

गोंय आनी गोंयकारपण

प्रकाश तळवणेकार

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
806
Acc. No:
1968
LIT→DEV
PRA

गोंय आनी गोंयकारपण

0019608
L:B02-R10 (Dev. 51)

गोंय आनी गोंयकारपण

प्रकाश तळवणेकार

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
Acc. No: 806

गोवा कोंकणी अकादेमी
GOA
KONKANI AKADEMI

गोवा कोंकणी अकादेमी

गोंय आनी गोंयकारपण
(लेखसंग्रह)
प्रकाश तळवणेकार

प्रकाशन क्र. ४०

©गोवा कोंकणी अकादेमी

उजवाडावपी :
श्री. ज्यॉर्ज द् आब्रेव
सचिव,
गोवा कोंकणी अकादेमी,
बोरी, फोंडें, गोंय

छापपी :
कस्तुरी ग्राफिक्स,
धवळी, फोंडें, गोंय

मुखचित्र :
कस्तुरी ग्राफिक्स

पयली आवृत्ती :
मार्च २००१

मोल : ५०/- रुपया

Goem Ani Goenkarponn
(Collection of Articles)
Prakash Talavnekar

Publication No. 40

©Goa Konkani Akademi

Publisher :
Shri George de Abreu
Secretary,
Goa Konkani Akademi,
Borim, Ponda, Goa

51, PRA (P01

Printer :
Kasturi Graphics,
Ponda, Goa.

Cover :
Kasturi Graphics

First Edition :
March, 2001

Price : Rs. 50/-

पयलो चंवर येवजणेतलें अकादेमीचें प्रकाशन

1968
LIT->Dev
PRA

मांडावळ

	लेखकाचें मनोगत	६
	गोंय आनी गोंयकारपण हांकां जाग येतना	७
१.	गोंयकारांच्या हितसंबंदांची राखण	१०
२.	गोंय स्वयंपूर्ण कशें जातलें?	१६
३.	कमाल जमीन धारणा विधेयकाचो गोंयक लाब	२५
४.	पर्यटनाचे गोंयचेर वायट परिणाम	२९
५.	संस्कृतीक मळार भारताक गोंयचें देणें	३७
६.	'कसता ताची जमीन' कायद्याचे परिणाम	४३
७.	हिंदु - क्रिस्तांव एकवट गोंयांत कसो वाडटलो?	४९
८.	राजभास कायदो आनी ताची अंमलबजावणी	५५
९.	गोंयांत फ्री पोर्ट जालो जाल्यार	६०
१०.	पेडणें म्हालाचें गोंयाक देणें	६७

लेखकाचें मनोगत

कोंकण टायम्स दर वर्सा दिवाळी अंकाखातीर निबंद सर्त दवरता. १९८५ वर्सा खबरांपत्रांनी हांवें कोकण टायम्साच्या दिवाळी अंकाखातीर दवरिल्ले विशय वाचले. तातूंत "गोंयकारांच्या हितसंबदांची राखण" हो विशय म्हाका आवडलो. विशय आवडलो म्हणचे परस हो विशय गोंयच्या जिव्हाळ्याचो आसा आनी ह्या विशयाचेर म्हजे विचार व्यक्त करपाक मेळटले अशें दिसलें आनी ह्या विशयाचेर हांवें निबंद बरोवन धाडलो. ह्या म्हज्या निबंदाक सर्तीतलें पयलें इनाम मेळ्ळें. हे सर्तींत वाटो घेतिल्ल्यान उमेद जाली. कोंकणीतलो हो म्हजो पयलो निबंद. ताचे पयलीं गोंयच्या नामनेच्या कांय खबरांपत्रातल्यान कांय लेख बरयल्ले.

हो सुर्वेचो निबंद बरोवचे पयलीं म्हजें कोंकणी वाचप मर्यादीत आशिल्लें. ताका लागून सुर्वेचो हो लेख ह्या पुस्तकांत घेतना पर्थून बरयला.

ताचे उपरांत कोंकण टायम्साचे संपादक भौमानेस्त तुकारामबाब शेट हांचे कडेन वळख जाली आनी दिवाळी अंक सर्ती वांगडाच कोंकण टायम्साखातीर हांवे ललीत आनी हेर तरेचें बरोवप केलें.

कोंकण टायम्साच्या दर एका दिवाळी अंकाचे सर्तीखातीर दवरिल्ले निबंदाचे विशय हे गोंयांवांगडा संबंदीत आशिल्यान म्हाका ते बरोवंकच जाय अशें दिसलें. सेगीत तीन-चार वर्सां दिवाळी अंकाच्या सर्तीनी वांटो घेतकच दुसऱ्यांक बरोवन इनामां मेळोवनी अशें म्हाका दिसूंक लागलें. हांवें तशें तुकारामबाबाकय सांगलें, पूण तांणी म्हाका बरोवचो आग्रहच केलो. "ही सर्त सगल्यांक उक्ती आसा, तातूंत कोणाचेर अन्याय जावचो ना, तूं दिवाळी अंका खातीर बरयल्ले निबंद बरे आसात, अशे आनीक कांय निबंद बरोवन जाले जाल्यार ताचो संग्रह करून पुस्तक काडूं येता." अशें म्हाका तांणी समजावन सांगलें आनी म्हजी उमेद वाडयली. अमकेच मुदतींत म्हाका निबंद जाय अशी अट घालून म्हजेकडल्यान तांणी निबंद बरोवन घेतले. हाका लागून ह्या पुस्तकांतले निबंद जरी हांवें बरयले तरी ताचें चडशें श्रेय हें तुकारामबाबाक वता. कोंकण टायम्साच्या दिवाळी अंक सर्ती खातीर सुर्वेक निबंद बरयताना हांवें हे निबंद पुस्तक स्वरुपांत छापून येतले हो विचारय तेन्ना करूंक नाशिल्लो. खरें म्हळ्यार हें पुस्तक तीन-चार वर्सां पयलींच प्रसिद्ध जावंक जाय आशिल्लें, पूण कांय कारणांक लागून जावंक शकलें ना.

आतां हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमी वरवीं उजवाडा येता हाची म्हाका खूब्ब खोस जाता. हे खोशेवेळारूच म्हाका म्हजो साहित्यीक आनी पत्रकार इश्ट स. श्याम मोहन पै हांचो उगडास जाता. हें पुस्तक हांव ताच्या उगडासाक ओंपतां.

प्रकाश वि. तळवणेकार

गोंय आनी गोंयकारपण हांकां जाग येतना

धाकटुल्या गोंयांत रावपी कर्तुत्वी गोंयकारांनी आपल्या विचारांच्या धाग्यार आनी इत्साशक्तीच्या बळग्यार तशेंच एकवट आनी विधायक चळवळींतल्यान आपले व्हडले व्हडले हावेस जिखून घेतले. गोंयचे स्वतंत्रताये उपरान्त सार्वमत कौल जिखून गोंयचें स्वतंत्र अस्तित्व राखलें. कोंकणी भाशेक राजभाशेचो पाट प्राप्त करून घेतलो, तशेंच गोंय घटकराज्य जालें आनी कोंकणी भाशेचो भारतीय संविधानाचे आठवे वळेरेंत आसपाव जालो. विचार, चळवळ आनी प्राप्त जाल्ल्या ध्येयांतल्यान गोंयच्या वाठाराक आनी गोंयकारांच्या व्यक्तिमत्वाक एक खाशेलो भाशीक, संस्कृतीक आनी राजकीय रूपकार फावो जालो.

ह्या मुखेल हावेसांभायर कितलेशेच ल्हान व्हड हावेस आसले आनी आसात. तशेंच स्वतंत्रताये उपरान्तचे गोंयचे वाटेर कितलेशेच प्रस्नय उप्रासले. देखीक, गोंयकारांचो एकवट सांबाळप, राजभास कायदो अंमलांत हाडप, गोंयचें मनीस बळगें आनी बुद्धी हांचो उपेग करून गोंयच्या वातावरणाक फावोसारके उद्देग उबारप, गोंयच्या पारंपारीक उद्देग धंद्याक पालव दिवप, गोंयच्या शेतजमिनीतलें, न्हंय दर्याच्या उदकांतलें आनी हेर उत्पादन वाडोवप, शेतकारांचें राज्य येतलें जाल्यार 'कसता ताची जमीन' कायद्याची अंमलबजावणी करप, उत्पादन वाडचें ही नदर दवरून जमीन धारणा कायदो करप, गोंयची जमीन भायल्या लोकांक विकती दिवप ना, कोंकणी भाशा, संस्कृतायेची राखण आनी पोसवण करप, गोंयकार गोंयांत अल्पसंख्य जावचे नात हाची काळजी घेवन तशी तजवीज करप, गोंयांक बादीकार जावचो ना असो पर्यटनाचो मर्यादीत विकास राखप, गोंयकारांक नोकरी धंद्याची संद फावो करप आनी गोंयकार पोटापाणयाखातीर गोंयांभायरो जाता अशी दशा टाळपाचो यत्न करप, गोंय स्वयंपूर्ण करप, गोंयच्या पर्यावरणाक बादीकार जावपी रसायनीक उद्देग तशेंच फ्री पोर्ट, कॅसिनो-जुगार, ड्रग्स, एड्स हांकां आडावप, गोंयकारांच्या कल्याणाचे कायदे करप आनी प्रकल्प राबोवप आदी गोंयच्या खास विशयांचेर विचार मंथन जावन जागृती जावपाखातीर 'कोंकण टायम्स' अंकाक बरपावळ जाय आसली.

'कोंकण टायम्स'चे निबंद सर्तीक हेर बरोवप्यांवांगडा श्री. प्रकाश तळवणेकारान

WORLD KONKANI LIBRARY

बरींच वर्सां उत्स्फूर्त असो प्रतिसाद दिलो आनी ताचेकडल्यान गोंयचेविशीं तळमळीन आनी अभ्यासपूर्ण लिखाण जायत रावलें. बाब प्रकाशान १९८५ सालच्या 'कोंकण टायम्स' वर्सुकी निबंद सर्तींत पयले फावट भाग घेतलो आनी त्याच वर्सा ताका 'कोंकण टायम्स'चें पयलें इनाम फावो जालें. मागीर आमच्या सहवासांतल्यान आमी इश्ट जाले. कोंकणी राजभाशा चळवळींत तर ताणें आनी शशिकांत पुनाजी हांणी पेडणे तालुक्याचे प्रतिनिधी म्हूण प्रत्यक्ष वावरूय केलो.

बाब प्रकाश हो फकत बरोवपी वा विचार मांडपीच न्हय तर तो कार्यां तडीक व्हरपी सक्रिय कार्यकर्तो. ताच्यांत नेतृत्वाचे आनी निर्भीडपणाचे गूण आसात. प्रोग्रेसीव्ह स्टुडंट्स युनियन हे संघटनेतल्या विचारवंत विद्यार्थी फुडाऱ्यांच्या संपर्कांतल्यान बाब प्रकाशाची विचारसरणी बरी फुल्ली. तो समाजाचें हीत राखपी बरो पत्रकार. 'सुनापरान्त' खातीर पेडणेचो बातमीदार म्हण बरींच वर्सां काम करीत आसा आनी दै. गोमन्तक चो पेडणेचो पत्रकार म्हणुनूय जापसालदारी सांबाळटा. ताच्या वृत्तपत्रांतल्या बरपावळींतल्यान लोकांविशी आशिल्ली तळमळ आनी समाजीक बांधिलकी दिश्टी पडटा.

हरमल दर्या वेळेर सरकारान जपानग्राम, गोल्फ कोर्स हाडपाचें थारायलें तेन्ना जाग्रुत गोंयकारांची फौज हे संघटनेचे वावुरपी भौमानेस्त रॉलंड मार्टीन हांणी लोकांमदीं हाचे आड जाग्रुताय करपाक 'पेडणे किनारी ग्राम कृती समिती' स्थापन केली. ते समितीचो सचीव बाब प्रकाश आसलो. तांणी गोल्फ कोर्साच्या आनी जपानग्रामाच्या वायट परिणामाविशीं दिसाळ्यांतल्यान लेख बरोवन आनी पदयात्रा काडून गोंयच्या लोकांमदीं जाग्रुताय केली. आमचेकडेन जे हातार मेजपासारके बरोवपी आनी वावुरपी आसात आनी जे गोंयचे विशीं सपनेतात आनी आंवडेतात तातुंतलोच प्रकाश एक. ताच्या दोळ्यांत गोंयचेविशीं उप्पाट सपनां भरल्यांत.

ह्या पुस्तकांत गोंयचेविशीं वेगवेगळ्या विशयांचेर बरप आसा. गोंयकारांच्या हितसंबंदांची राखण' ह्या विचारीक लेखांत गोंयकारांच्या हितसंबंदांचे राखणेखातीर वेगवेगळे उपाय सुचयल्यात. हे धर्तरेर गोंयकार आसा मेरेन हो विशय जितो उरतलो आनी ताचेर विंगड विंगड नदरेन विचार जातलो. 'गोंय स्वयंपूर्ण कशें जातलें' ह्या लेखांत एक खाशेलो चिकीत्सक कसो विचार मांडटना लेखक म्हण्टा, ''राजा पुर्तुगेजांचे राजवटीत ९७ %लोकांचें जिवीत हें शेतारच आशिल्लें. पुर्तुगेजांचें लक्ष केन्नाच शेताकडेन वचूंक ना आनी ताका लागून भाटकारशाय तशेच अवस्थेंत रावली. गोंय म्हळ्यार एक संघर्षाचो इतिहास. पुर्तुगेजांनी केल्ल्या धर्मीक अत्याचारांआड, जावं गोंयचे स्वतंत्रताये खातीर केल्ल्या संघर्षाचो गोंयांक इतिहास

आसा. पूण देशांतल्या हेर भागांप्रमाण कृषी क्षेत्रांत संघर्षाचो इतिहास ना. भाटकारशाय उलथावन उडोवन ती ना करपाचो आयज मेरेन केन्नाच यत्नच जावंना आनी हाका लागून आयज मेरेन ही भाटकारशाय घट्ट पाळां मुळां रोवन उबी आसा.'' 'कमाल जमीन धारणा विधेयकाचो गोंयांक लाब' हातूंत लेखक बरयता '... सगल्या कश्ट करपी कुळांक शेताचे धनी करप हो कृषी क्षेत्रांतले प्रगतीचो आनी लोकशायेचो खरो मार्ग आसा...' 'हिंदु - क्रिस्तांव एकवट गोंयांत कसो वाडटला?' ह्या लेखांत दोनूय समाजांतलो एकचार खंय आनी कसो आसा तें लेखक सांगता. 'कसता ताची जमीन कायद्याचे परिणाम' ह्या लेखांत गोंयचे शेतजमिनीचे परिस्थितीचें आनी शेतकारांच्या समस्यांचें तपशिलान विवेचन केलां आनी दुखण्याचेर बोट दवरून वखदूय सुचयलां. 'पर्यटनाचे गोंयचेर वायट परिणाम' ह्या लेखांत पर्यटनाचे गोंयचेर वायट परिणाम कशे जायत आसात तें अभ्यासपूर्ण रितीन मांडलां. हो लेख वाचतकूच खंयचोय गोंयकार पर्यटन नाका वा तें एके शिमेतूच आडावन दवरुंया म्हूण उसळून उठ्ठलो.

लेखकान आपल्या वेगवेगळ्या लेखांतल्यान गोंयचे आड जें कितें आसा आनी येता ताका विरोध केला आनी गोंयकारांक लाभदायक कितें जातलें ताचो पुरस्कार केला. गोंयकारांच्या हितसंबंदाचे राखणेची घुडी लेखकान आपल्या खांदार उबारून घेतल्या. हो लेखक गोंयचे स्वतंत्रताये उपरान्तचे पिळगेचो तरनाटो प्रतिनिधी. गोंय आनी गोंयकाराचे राखणेची घुडी ताणें आदले राखणदार पिळगेकडसून घेतल्या. हें दायज फुडें ‥ लपाक जाय आनी ही घुडी अशीच वयर हुबपाक जाय.

गोंयच्या सैमाविशीं कविता वा हेर तरेच्या साहित्याचीं पुस्तकां कोंकणीत खूब. पूण गोंयच्या खतखतीत प्रस्नाविशींच्या आनी हावेसां विशींच्या विचारीक पुस्तकांचो दुकळ. त्या कारणान गोंयांतल्या चळवळींचो पुराय इतिहास समजून घेवपाक कठीण जाता. वाव प्रकाशाचें हें पुस्तक धगधगपी प्रस्नांविशीं आनी उर्वेभरीत ध्येयांविशींचें आसा. प्रकाश गोंयचे काळजीन वथ्रेता. हांव ह्या पुस्तकाक खासा येवकार दितां.

हें पुस्तक गोंय आनी गोंयकारांचो फुडार थारावपाक मार्गदर्शक जातलें. तशेंच गोंयचें धोरण थारावपाक, गोंयची विकास येवजण आंखपाक एक उजवाडाची पण्टी कशी जावंयेता. ह्या पुस्तकाक लागून वेगवेगळ्या विशयांचेर जाग्रुताय जातली आनी ही जाग्रुताय जावप म्हळ्यार ह्या पुस्तकाचें जैत.

तुकाराम शेट

गोंयकारांच्या हितसंबंदांची राखण

पाचवेचार दोंगर, सोबीत सुंदर दर्या, संथ व्हांवपी हांगच्यो न्हंयो, गांव आनी दर्या वेळांची सोबितकाय वाडोवपी माड. एका परस एक सोबीत आनी मन प्रसन्न करपी हांगचीं देवळां आनी चर्ची. जंय हिंदू, क्रिस्तांव आनी मुस्लीम भावपणान नांदतात अशें हें आमचें गोंय. आमचें गोंय, आमचें गोंय अशें आमी मोगान म्हणटात. पूण आमचें गोंय हे खऱ्यांनीच आमचें रावलां?

जे सुवातेर जे लोक रावतात अशा थळाव्या लोकांक थंय पयलीं हक्क आसूंक जाय. जसो महाराष्ट्रांत थंयच्या लोकांक, गुजरातेंत गुजरातेंतल्या लोकांक वो कर्नाटकांत कर्नाटकांतल्या . देसांतल्या हेर बऱ्याच राज्यांपरस गोंयांत सुशिक्षीत लोक चड मेळटले. पूण गोंय स्वतंत्र जावचे पयलीं गोंयांत साक्षरतेचें प्रमाण बरेंच उणें आशिल्लें. सुशगाद गोंयकार जीं कामां करूंक सोदिनाशिल्ले त्यो नोकऱ्यो भायल्या राज्यांतल्यान आयिल्ल्या लोकांनी धरल्यो. सुर्वेक ज्या ज्या खाजगी कंपन्यांनी वो सरकारी खात्यांनी जे भायल्या राज्यांतले अधिकारी उंचेल्या सुवातेर आयले तांणी आपापणाल्या राज्यांतल्या लोकांक थंय नोकरेक घेवंक सुरवात केली. ताका लागून आयज एका खंयच्याय खात्यांत एका अमुक राज्यांतले कर्मचारी भौसंख्येन नोकरेक आशिल्याचें स्पश्टपणान जाणवता. गोंयचे लोक जशे कुवेट, दुबय वतात तशें ह्या भायल्या लोकांचे गोंय हें कुवेट जालां. दुसऱ्या राज्यांतल्यान येवन तांकां हांगा सहजपणान नोकऱ्यो मेळटात आनी आमचीं गोंयकार भुरगीं मात बेकार रावून गुंडगिरी करीत फिरतात, घुंवळी वरवदां घेतात वो तीं विकपासारके धंदे करतात.

स्वतंत्रताये उपरांत भांडवलदारांनी ल्हान व्हड उद्येग, कारखाने गोंयांत सुरू केले. भारतांतल्या दर एका राज्याची भास, संस्कृताय, खावप, जेवप वेगळें आसा. खूब्ब धर्म, जाती आसात. ह्या फरकांतल्यान भांडवलदारांनी आयज मेरेन आपली सुवात सांबाळून दवरूंक लोकांक अशेच वांटून घातल्यात. समजात, ह्या

उद्येग-कारखान्यांनी सगल्या गोंयकारांकूच घेतलें जाल्यार फाल्यां रोखडेच ते एकठांय येवन आपल्या हक्क-मागण्यांखातीर झगडटले. पूण कांय भायले, कांय भितरले लोक घेतले म्हणटकच रोखड्या रोखडे तरी एकठांय येवचे नात. हो ताचे फाटलो हेतू आसलो तरी थळाव्या लोकांच्या हितसंबदांक ताची बादा येता.

वास्को, मडगांव सारक्या शारांतल्या कांय वाठारांनी ह्या गोंयांभायल्या लोकांची चलिल्ली वाडटी दादागिरी, जुगार, मटको, शिंदळकी, घुंवळी वखदांचे वेवार, दिसानदीस वाडत रावपी झोपडपट्टी हाका लागून गोंयची शांतिकाय, गोंयची सोबितकाय ना जायत चल्ल्या. कांय वर्सां पयलीं गोंयांत घर उक्तें लेगीत सांडून गेल्यार केन्ना चोरी जायनाशिल्ली. पूण आतां गोंयांभायल्यान येवपी वाडटे संख्येक लागून चोरयो, दरोडे, मारामाऱ्यो, खून हांचें प्रमाण वरेंच वाडलां. ह्या भायल्यान येवपी लोकांक लागून गोंयचो समतोल बिगडला अशें म्हणटात. हाका खरेपणी सरकार, सरकारी खात्यांनी उंचेल्या जाग्यांर आशिल्ले अधिकारी आनी भांडवलदार हे जापसालदार आसात. जायते फावटी अशें दिसता की, गोंय कोणाचें? तें कोण चलयता? आनी तातूंत कोण भडून वता? हातुंतल्यानच कांय वर्सां फाटीं वास्को दंगल पेटली. मिलीटरीक हाडून सरकाराक तेन्ना हें आंदोलन चिड्डून उडोवचें पडिल्लें. ते दंगलीत पोटाखातीर मेळत तें काम करून पोट भरपी गरीब लोकांच्यो तकल्यो फुटल्यो, खोपी लासल्यो. जीव आसल्यार भीक मागून खावं येत म्हणत हे गरीब लोक रेल्वेच्यो रेल्वे भरून आपल्या गांवांनी गेले. पूण ह्या कारणाचें खरें मूळ आशिल्ले मात आपल्या बंगल्यानी सुशेगाद रावले. आपलो खरो दुस्मान कोण आनी तेखातीर कितें उपाय घेवंक येता ताचेर थंडपणान विचार करून उपाय घेवंक जाय. गोंयांत दर एके नोकरेंत गोंयकारांक पयलें प्राधान्य मेळूंक जाय. पूण खऱ्यांनीच जर गोंयकार उमेदवार ते ते नोकरेक पात्र नात जाल्यार भायल्या उमेदवारांक अवश्य संद दिवची.

भारत देसाचे घटनेप्रमाण भारतांत खंयच्याय मनशाक देसाच्या खंयच्याय वाठारांत आपली उपजीविका करूंक नोकरी वो वेवसायाखातीर वचून रावपाचो पुराय हक्क आसा. पूण थळाव्या लोकांक आपल्या हक्कांचेर वो हितसंवदांचेर अतिक्रमण जाता अशें दिसूंक फावना. पूण घटनेचोय उपेग हालीं सारको जाता अशें दिसना. गोंयां भायल्यान जे हांगा नोकरी वो वेवसाया निमतान येतात ते पयशे मेळोवपाक. कांय थाराविक लोकांचो आडवाद सोडलो जाल्यार गोंय आनी गोंयकारांच्या विकासाचें कोणाक तशें कांय पडूंक ना. निवृत्त जातकच फाल्यां ते आपल्या गांवांनी वतले.

गोंयकारांक जर नोकऱ्यांनी पयलो थारो दिवपाक जाय तर गोंयांत नोकरी

करतल्याक कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसप सक्तीचें करूंक जाय. हे खातीर गोंयकारांनी आपणा भितरले वाद, मतभेद कुशीक दवरल्यार ताचो गोंयच्या तरनाट्यांक नोकरे खातीर निवड करतना निश्चीतपणान फायदो जातलो. कोंकणी ही राजभास जाल्ल्यान ताचो अशे तरेन गोंयकारांचे हितसंवद राखून दवरपासंबंदान लाब करून घेवं येता. नोकरेक कोंकणीची सक्ती केले उपरांत गोंयकार उमेदवारांक पयलो थारो दिवप शक्य जातलेंच. पूण आयज सरकारी ऑफिसांनी ह्या भायल्या लोकांक कोंकणी कळना आनी कोंकणी बगर हेर दुसरी भास कळनाशिल्ल्या गरीब, सामान्य गोंयकारांक आयज गोयांत कसलीच सुवात उरूक ना. सगलो सरकारी कारभार इंग्लीश वो हेर भासांनी चलता. जांकां फकत कोंकणीच येता तो मनीस काळखांत उरला. आयज सरकारी ऑफिसांतल्यान एकाद्रें पत्र आयल्यार सामान्य मनशाक तें दुसऱ्याकडल्यान वाचून घेवचें पडटा. कोंकणीक राजभाशेचो मान मेळ्ळो, ताचे उपरांत कोंकणीचो आठवे वळेरेंतय आस्पाव जालो. पूण हें सगलें कागदारच उरला. गोंयांत गोंय आनी गोंयकारांचे हितसंवद राखून दवरचे खातीर राजभास कायदो आनी कोंकणी आठवे वळेरेंत पावल्या ताचो सरकारान गरज आसा थंय उपेग करून घेवंक जाय.

कोंकणी गोंयची राजभास जावन गोंयांतलो भाशावाद सोंपलो तरी हो भाशावाद मदीं मदीं कांय लोक उस्तून काडटात. कांय खबरांपत्रांनी ह्या वादाक खतपाणी घालपाचो सदांच यत्न केला. भाशावाद आनी सिमावाद असले प्रस्न राजकारणी लोकांक चड करून तशेच उरिल्ले जाय आसतात. दुसरे कसलेय गंभीर प्रस्न आसल्यार ह्या वादांत लोकांक घुस्पावन दवरूं येता. वेंचणुके वेळार अशा वादाक भावनीक स्वरूप हाडून मतां मेळोवं येतात. हाका लागून राजकारणी लोकांकडल्यान कोंकणीचे उदरगतीच्यो तशो व्हडल्यो अपेक्षा बाळगप चुकीचें. कोंकणीचो विकास ही काळाची गरज आशिल्ली. पूण भौतेक राजकी फुडाऱ्यांनी हाचो उपेग आपल्या सुवार्थाखातीर करून घेतलो.

रशिया सारक्या देसांत कितल्याशाच भाशांक लिपीच नाशिल्ली. अशा लिपी नाशिल्ल्या ७४ भाशांक थंय लिपी घडयल्यो. हाचे परस कोंकणीची प्रगती कितकेशेच वाटेन वरी आसा. तरीय हे भाशेची गिरेस्तकाय वाडोवचे खातीर विंगड विंगड प्रकाराच्या दर्जेदार साहित्याची भर पडूंक जाय.

दर्या लागच्यो सोबीत वेळो ही गोंयांक सैमान दिल्ली सोवीत भेट. ह्यो दर्या वेळो पळोवन दर वर्सा हजारांनी भोंवडेकार धादोशी जातात. विदेशांतल्यान जे हिप्पी भोंवडेकार येतात, तातुंतले चडशे तर दर्या वेळेरच रावतात. ह्या विदेशी भोंवडेकारांक लागून गोंय सरकार आनी आमच्या देसाक विदेशी चलन मेळून

बरोच अर्थीक लाव जाता. पूण ह्या हिप्पी भोंवडेकारांक चरस, गांजा, मर्फीन असल्या कितल्याशाच घुंवळी वखदांचें व्यसन आसता. ह्या हिप्प्यांच्या सांगातान आमच्या गोंयकार तरनाट्यांकय ह्या घुंवळी वखदांचीं व्यसनां जडल्यांत. तर हीं घुंवळी वखदां चोरयां हाडपा - व्हरपाच्या आनी विकपाच्या धंद्यांतय हांगचे तरनाटे आनी हेर लोक घुस्पल्यात. ज्या खेळामैदानार हे तरनाटे क्रिकेट, फुटबॉलासारके खेळ खेळटाले तीं मैदानां आयज रितीं पडून हे तरनाटे ह्या घुंवळी वखदांच्या सुवादीन गेल्ल्याचें जाणवता. हें व्यसन पुराय करचे खातीर घरांत हातीक मेळत तें हे तरनाटे घेवन वतात आनी आपली घुंवळी वखदांची इत्सा पुराय करून घेतात. ह्या घुंवळी वखदांची एकदां चटक लागली म्हणटकच ती सुटप खूब्ब कठीण. ह्या घुंवळी वखदांचें व्यसन लागिल्लो मनीस दुसऱ्याच एका संवसारांत वावरता. ताका आपणाले सरभोंवतणीं कितें चल्लां हाचें कांय लागून गेल्लें नासता. हाचो परिणाम मनशाचे कुडीर जाता आनी चड करून हें व्यसन ताच्या मर्णा वांगडाच सुट्टा. तो मेलो तरीय वांगडा ताणें एका संवसाराचीय वाट लायिल्ली आसता. अशीं घुंवळी वखदां बाळगितल्याक सरकारान खर ख्यास्त दिवपाचो कायदो केला. पूण तरीय हीं घुंवळी वखदां लिपचोरयां विकपाचे धंदे खंय ना खंय चालू आसतातच. ह्या घुंवळी वखदांच्या चपक्यांत सांपडिल्ली तरनाटी पिळगी रोगी अवतिकायेंत जीण सारीत मरता. सहजपणान मेळपी ह्या घुंवळी वखदांक लागून घुंवळी वखदांचें नंदनवन म्हळ्यार गोंय अशें समीकरण जावन आंतरराष्ट्रीय पातळेचेर गोंयचें नांव इबाडलां. ताका लागून घुंवळी वखदां गोंयांत येवचींच न्हय म्हूण उपाय घेवप गरजेचें आसा.

पर्यटनाच्या नांवांर थारायल्ले सगले नेम कुशीक दवरून आयज पावला कणकणी पांच नखेत्री हॉटेलां उबीं रावल्यांत आनी रावत आसात. अशीं हॉटेलां जालीं म्हणटकच आपल्या भुरग्यांक तातूंत नोकऱ्यो मेळटल्यो म्हण लोक खोशी जाले. पूण लोकांक ताचे परिणाम रोखडेच कळूंक लागले. ह्या पांच नखेत्री हॉटेलांनी चोवीसय वरां लागपी उदकाखातीर बोअरिंग मशिनां खोल जमनीत व्हेल्यांत. हाका लागून अशा हॉटेलां कुशीच्या गांवांतल्या वांयक उदक मेळना. दर्या वेळ ही कोणाचे मालकीची जावं शकना. पूण ह्या पांच नखेत्री हॉटेलवाल्यांनी बेकायदेशीरपणान ह्यो दर्या वेळो बळकायल्यात. कांयकडेन दर्या वेळांचेर 'प्रायव्हेट प्रॉपर्टी' अशे बोर्ड लायल्ले दिश्टी पडटात. अशा दर्या वेळांचेर आयज आमकां पांय लेंगीत दवरूंक मेळना. थंय दवरिल्ले हॉटेलांचे गुरखे आमकां आडायतात. दर्या वेळांचेर अतीक्रमण करपी अशा हॉटेलांचेर सरकार कसलीच कारवाय करिना. कांय वर्सांफाटीं दर्या वेळेवेल्या एका पांच नखेत्री हॉटेलाच्या दुरगा भितर गांवच्या

लोकांचीं गोरवां चुकून गेलीं म्हण तांकां गुळ्यो घालून मारलीं. ह्योच गुळयो एक दिसा गांवच्या लोकांचेर पासून चलूंक शकतात. ह्यो सोबीत सुंदर दर्या वेळो बळकावपी अशा हॉटेलांआड सरकार कसलीच कारवाय करिना जाल्यार लोकांनी संघटीतपणान हाचे आड आवाज उठोवन दर्या वेळो ह्या हॉटेलांपासून मुक्त करच्यो पडटल्यो. दर्या वेळो ही निसर्गीक आनी राष्ट्रीय संपत्ती आसा. हे अशे संपत्तीचो आस्वाद घेवपाचो दर एका नागरिकाचो हक्क आसा. हें अशेंच चालू रावल्यार गोंयांत एका परस एक सोवीत दर्या वेळो आशिल्ल्यो हें इतिहास जमा जातलें.

उद्यंगीक मळार गोंयची उदरगत करतलो आनी वाडटे वेकारीचेर उपाय काडटलो जाल्यार उद्येगीकरणाची गरज ही आसाच. पूण गोंयचो निसर्ग आनी हांगचें लोकजीवन हांचेर ताचे परिणाम जावचे नात अशाच उद्येग, कारखान्यांचो विचार जावंक जाय. उद्येगीकरण म्हळ्यार प्रदूशण हें आयलेंच. पूण ताकाय म्हण मर्यादा ही आसूंक जाय. उद्येगीकरणाच्या नांवांसकल गोंयांत जे व्हडल्या कंपन्यांचे कारखाने सुरू केल्ले त्या बऱ्याच कारखान्यांचो प्रदुशणाचो त्रास आयजय, लोकांक जाता. लोकांच्या जिवितांत वीख कालोवपी अशा कारखान्यांक गोंयांत थारो दिवंक उपकारना.

गोंयचे चडशे लोक गांवांनी रावतात. शेत हो गांवांतलो मुखेल वेवसाय. पूण इतले शेतकामती लोक आसुनय दिसपट्ट्या जिवीताक लागपी गरजेच्यो वस्तू जावं धान्य हांगा उत्पन्न जायना. हाचें मुखेल कारण म्हळ्यार कांय मूठभर लोकांच्या हातींत आशिल्ली जमीन. एका दर्यार शेतकामत्यान कवाथे लायले, फाल्यां हे कवाथे व्हडले जावन तांकां नाल्ल लागतकच मात ते भाटकार काडून व्हरतलो. मागीर ते लायतल्याक कायदो कितें? हाका लागून हे मातयेंत जीं पिकां येतात ताका फावो तें वातावरण आसुनय ताचें उत्पन्न वाडना. पूण कसतल्यांकच तांची जमीन म्हण दियत जाल्यार हें उत्पन्न वाडुं येता. हे खातीर गोंय स्वतंत्र जातकच 'कमाल जमीन धारणा' हो फायदो चालीक लावंक जाय आशिल्लो. एकट्या मनशाकडेन सादारणपणान कितली जमीन आसची हाचे खातीर देसांतल्या हेर राज्यांप्रमाण हांगा कसलोच कायदो ना. आतां हो कायदो चालीक लावनय व्हडलोसो फायदो जावचो ना. कारण, अशी व्हडा प्रमाणांत जमीन आशिल्ल्यांनी सादूर जावन पयलींच ही जमीन कुटुंबांतल्या मनशांच्या नांवार केल्या. हो कायदो गोंयांत हाडटलो जाल्यार वयलो मुद्दो लक्षांत घेवन नवे नेम तयार करून अंमलात हाडूंक जाय.

गोंय स्वतंत्र जाले उपरांत तें स्वतंत्र उरचें काय महाराष्ट्रांत विलीन करचें हाचेर वाद निमार्ण जालो. ते खातीर 'ओपीनियन पोल' घेतलो आनी भौसंख्य

गोंयकारांनी आमकां आमचें अस्तित्व सांबाळून दवरचें आसा, महाराष्ट्रांत गोंय विलीन करूंक आमचो विरोध आसा हें मतपेटयांतल्यान दाखोवन दिलें. हाचे उपरांतय मदीं मदीं कांय लोक गोंय लागसारचे वाठार घेवन विशाल गोमन्तकाचीं सपना रंगयतात. विशाल गोमन्तकासारको प्रस्ताव म्हळ्यार एके तरेन गोंयचें विलीनीकरणच जातलें. हो वाठार गोंयांत आस्पावन घेतलो जाल्यार मूळ गोंयांपरस ह्या गांवांचेंच क्षेत्रफळ कितल्याशाच पटींनी व्हडलें जातलें. तातूंत बरेच गांव हे मागाशिल्ले वाठार. थंय सुदारणा घडोवन हाडपाक थंय खर्च करपाक सरकाराची शक्त फुकट वतली. हाका लागून मूळ गोंयकार आसा ताचें सगल्या मळांनी अस्तित्वच ना जातलें आनी गोंयकार स्वंयचे स्वंय शेणटले. तातूंत करून ह्या विशाल गोमंतका खातीर जे गांव आस्पावतले ते बरेच मागाशिल्ले आशिल्ल्यान थंय सुदारणा घडोवन हाडपाक बरींच वर्सां लागतलीं. हेरकडचो प्रस्न सोडयतना कांय अविचारी लोकांच्या मागण्यांवेल्यान गोंयचो बळी दिवचो यत्न केन्नाय केलो जाल्यार तो ना करून उडोवंक जाय. कारण असो विचार उक्तावपीच ओपीनियन पोलावेळार दिल्ल्या जनमत कौलाक पांयांपोंदा घालून ही मागणी करतात. फाटीफुडें हो प्रस्ताव मुखार येवं शकता. अशा वेळार गोंयकारांक जागृत रावचें पडटलें.

आयज मेरेन गोंयांत सगल्या धर्मांचे लोक एकमेकांवांगडा इश्टागतीन वागत आयल्यात. पूण गोंयांत संख्येन व्हड आशिल्ल्या दोन धर्मांत, धर्माच्या नांवार दुसऱ्या धर्माचे दोश दाखोवन अंधश्रध्दा वाडोवप, तांच्यो धर्मीक भावना पेटोवन घालप असले उद्योग ल्हान व्हड प्रमाणांत सुरू आसात. हाका लागून दोन धर्मांमदीं तणाव निर्माण जावं येता. ताका लागून अशा जातीयवादी लोकांक गोंयकारांनी लागीं धरूंक उपकारना.

गोंयकारांचें गोंयकारपण आनी हितसंवद राखूंक गोंयचे पर्यावरण तज्ञ, पर्यावरण मोगी, साहित्यीक, हेर तज्ञ, जाणकार ह्या लोकांनी एकठांय येवन अभ्यास करून ताचेर फावो ते उपाय घेवंक जाय. नाजाल्यार येता त्या कांय वर्सांत गोंयांत गोंयकार अल्पसंख्याक जातलो.

गोंय स्वयंपूर्ण कशें जातलें ?

मन भुलोवपी सुंदरकाय आनी सैमाचें अप्रूप देणें मेळिल्लें आमचें धाकटुलेंशें गोंय. १५१०त गोंयांत आयिल्ल्या पोर्तुगेजा पयलीं हे भुंयेर आदिलशहा, कदंब राजा तशेंच हेर कितल्याशाच राजांनी गोंयांर आपलें राज्य चलयलें. १५१०त आयिल्ल्या पोर्तुगिजाक १९६१त गोंय सोडचें पडलें.

पोर्तुगेजाक धांवडोन लावपाक सुरू जाल्ले मुक्ती लडायेंत गोंयांतल्या सामान्य मनशान लेगीत भाग घेतिल्लो. एके परकीय सत्तेक धांवडावन लायले उपरान्त आपणाक सुखान जगपाक मेळटलें हें स्वातंत्र्य सैनिक आनी स्वातंत्र्यमोगींचें सपन मात सामकें चुकीचें जालें. आयज गोंयांर नदर मारल्यार भांडवलदार तशेंच राजकारणी लोक फकत आपल्या सुवार्था फाटल्यान लागल्यात अशें चित्र दिसता. गोंय स्वतंत्र जाले उपरान्त गोंयांत सुदारणा जाल्यात हें जरी खरें आसलें तरी पंचवीस वर्सांत जे तरेन गोंयची उदरगत जावपाक जाय आसली ते तरेन गोंयची कांयच उदरगत जावंक ना अशें दिसता. पोर्तुगेज सत्तेच्या सबंद काळांत गोंयांत आयाती अर्थवेवस्था आशिल्ली, म्हळ्यार जिविताक गरजेचें सामान, वस्तू भायल्या देशांतल्यान घेवच्यो पडटाल्यो. पोर्तुगेज सरकार जे तरेन सगल्या सामान-म्हालाची आयात भायल्या देसांतल्यान करून गोंयच्या लोकांची सोय करतालें तेच तरेन स्वतंत्रताये उपरान्त ते आयज मेरेन गोंयांक लागपी वीज, नाल्ल, तांदळामेरेन लागीं-लागीं सगलेंच आयात करचें पडटा. फरक इतलोच की, पोर्तुगेजावेळार भायल्या देसांतल्यान तर सद्या आमच्याच देसांतल्यान हें सगलें हाडचें पडटा.

पोर्तुगेजांचे राजवटींत ९७% लोकांचें जिवीत हें शेताचेरूच आशिल्लें. पोर्तुगेजांचें लक्ष केन्नाच शेताकडेन वचूंक ना आनी ताका लागून भाटकारशाय तशेच अवस्तेंत रावली. गोंय म्हळ्यार एक संघर्पाचो इतिहास आसा. पोर्तुगेजांनी केल्ल्या धर्मीक अत्याचाराआड जावं गोंयचे स्वतंत्रताये खातीर केल्ल्या संघर्पाचो गोंयांक इतिहास आसा पूण देशांतल्या हेर भागांप्रमाण कृपीक्षेत्रांतल्या संघर्षाचो गोंयांक

इतिहासच ना. भाटकारशाय उलथावन उडोवन ती ना करपाचो आयज मेरेन केन्ना यत्नच जावंक ना आनी हाकाच लागून आयज मेरेन ही भाटकारशाय गोंयांत घट्ट पाळांमुळां रोवन उबी आसा. सादारणपणान घरालागची जमीन कोणायक आसूं येता पूण एकाच मनशाचो अख्खो तालुको जावं हेर गांवांनी कितलींशीं भाटां कशीं आसूं येतात? काय ह्या भाटकारांनी कारखान्यातल्यान जमनी - भाटां तयार केल्यांत? हाचें उत्तर सामकें सोपें आसा. आमचे जाण्टेले पुर्वज हे कांयच शिकनाशिल्ले, अडाणी आशिल्ले आनी हाचो फायदो बुध्दीवादी, शिकिल्ल्या कांय अल्प लोकांनी घेवन ह्या लोकांक चलो-चलयेच्या लग्नांनी जावं हेर कारणांक रिणां दिवन त्या रिणांनीच तांकां गुरफटावन उडयलें. जावं आपल्या सोबीत सुंदर घरां-बंगल्यांचेर व्हरून च्यापाणी दिलें आनी खोशी करून तांचेकडल्यान आंगठो लावन घेवन भाटां-जमनी आपल्या नांवांर केल्यो.

खंयचोय देश वा राष्ट्र पुराय स्वयंपूर्ण जातलें जाल्यार थंयच्या लोकांक पुराय जेवण मेळप सामकें गरजेचें आसता. पोटाकच खावपाक सारकें जाय तशें मेळना जाल्यार भुकेच्या पोटार हेर गजालींकडेन कोणाचेंच लक्ष वच्चें ना. गोंयांतले चड लोक हे गांवांनी रावपी. शेत हो गांवांतलो मुखेल धंदो. इतले शेतकार लोक आसून लेगीत दिसानदीस जेवणाखातीर लागपी धान्य हांगा उत्पन्न जायना; माडाक फावोशें वातावरण आसून लेगीत आमकां भायल्यान नाल्ल घेवचे पडटात. हाचें मुखेल कारण म्हळ्यार कांय मूठभर लोकांच्या हातींत आसलेली जमीन. शेतकारान माडाचे कवाथें नाजाल्यार कसलेंय झाड लायलें तर फाल्यां कवातो व्हडलो जातकच भाटकार ताचे नाल्ल काडून व्हरतलो. जावं झाडाचें उत्पन्न ना जाल्यार झाड कापून व्हरतलो. मागीर घाम गळोवन वावुरतल्याक कितें? हाकाच लागून गोंयांत शेताचें कसलेंच उत्पन्न व्हडल्या प्रमाणांत जायना. गोंय हें धाकटुल्या-व्हडल्या दोंगरांचो प्रदेश. काजुच्या झाडाक हांगा फावो तें वातावरण आसा. काजुबियांच्या गराक भायल्या देसांनी खूब्ब मागणी आसा, तशेंच काजूपासून काडटात तें हुर्राक आनी फेणी देशांत आनी देशाभायर लोकप्रिय आसा आनी ताका कितलीशीच मागणीय आसा. ह्या काजुच्या उत्पन्नांक लागून गोंयांक जाय तें विदेशी चलन मेळटा हें खरें पूण जण एकट्या शेतकाराक हीच जमीन तांची तांकांच दिली तर ह्या काजूच्या उत्पन्नाची संख्या कमीतकमी सात पटीन वाडून गोंयांक व्हडल्या प्रमाणात विदेशी चलन मेळोवं येता. इतकेंच न्हय तर शेतकार आपली हक्काची जमीन म्हण पोट तिडकीन वावरून आंबो, पणस, केळीं तशेंच हेर उत्पन्न करून गोंयच्या विकासाक हातभार लायतलो. गोंयचे स्वतंत्रताये उपरांत म. गो. सरकारान 'कसेल ताची जमीन' हो कायदो हाडपाचो यत्न केलो.

पूण जाय तितल्या तळमळीन हो प्रस्न तांच्यांनी हाताळ्ळो ना आनी हाचे उपरांत सत्तेर आयिल्ल्या कॉंग्रेस सरकाराक तर ताचें कांयच पडूंक ना अशें दिसता. सगल्या भाटकारांनी एकठांय येवन त्या कायद्यांक आव्हान दिला. पूण शेतकारांविशीं कांयच दिस नाशिल्ले प्रमाण आयज हातपांय गळोवन पडिल्ले प्रमाण भेन्या-कुड्ड्या-थोट्याभशेन सरकार वोगी आसा. खंयचोय राजकी पक्ष हाचेर कितेंय पूण करतलो अशी अपेक्षा बाळगपच पयलीं पिशेपण जातलें. आयज गोंयांतल्या खंयच्याय राजकी पक्षार नदर मारली तर लागीं-लागीं सगल्याच पक्षांनी भाटकार लोक दिसतले. तशेंच प्रत्यक्ष भाटकार जरी खंयच्याय पक्षांत नासले तरी वेंचणुके वेळार अशा लोकांकडल्यानच ह्या सगल्या पक्षांक पयशे मेळटात आनी म्हणूनच सगले पक्ष जावं राजकी फुडारी ह्या असल्या लोकांच्या हातांतलीं बावलीं जातात. म्हणूनच 'कसेल ताची जमीन' हो कायदो सद्या गोंयांत फकत कागदाचेरूच उरला. हो कायदो भाताचें शेत सोडून हेर माडाचें बाग, काजूक बी लागना आनी हाचोच फायदो घेवन हे भाटकार लोक भाताचो खंड मुंडकारालागीं मागतात आनी खंड घालीना जाल्यार माडाचें बाग ना जाल्यार काजूचें बाग काडपाची धमकी दिवन मुंडकाराक 'ब्लॅक मेल' करतात म्हणून सगल्या कष्ट करपी कुळांक शेताचे धनी करप हो कृषिक्षेत्रांतलो प्रगतीचो आनी लोकशायेचो खरो मार्ग आसा आनी म्हणूनच गोंयांत खंयच्याय पक्षाचेर जावं राजकी फुडान्याचेर विस्वासान रावचे परस शेतकारांनी हे मागणेखातीर आपली पुराय स्वतंत्र अशी संघटना उबारप सामकें गरजेचें आसा.

गोंयांतलें चडशें शेत रानामळारच आसा. पावसाच्या उदकारच ह्या शेताचो फुडार थारता. जाय त्या वेळार पावस पडूंक ना जाल्यार भाताचें उत्पन्न जायना तशेंच पावस सोंपले उपरांत उदक मेळना म्हण ही जमीन बेस्टीच पडून हांगा कसलेंच उत्पन्न घेवंक मेळना. गोंयांत पावसाचें प्रमाण १०० इंच इतलें आसता. इतलो पावस लागून लेगीत हांगा ह्या उदकाचो जाय तसो उपेग करून घेतिल्लो दिसना. उदक म्हळ्यार एक फुकट मेळपी पदार्थ अशेच नदरेन उदकाक पळोवपाचो दृष्टीकोन आसा. पावसाचें उदक आडावन रानामळावयल्या जमनीर दोन-तीन पिकांखातीर ताचो उपेग करूं येता. गर्मीच्या दिसांनी कितल्याशाच गांवांक उदक मेळना; त्या गांवांक हें उदक दिवप शक्य जातलें. मनशाचे जिणेंत उदकाचो खूब्ब उपेग आसा. हें उदक आमकां पावस पडले उपरांत मेळटा. धाकटुले-व्हडले दोंगर आनी पाचवींचार रानां-झाडां-पेडां अशे भलायकेक फावोशा वातावरणात गोंयचे लोक रावतात. पूण कांय सुवार्थी लोकांनी दुडवांचे आशेन रानां मारपाचें सत्र धरलां आनी व्हडलीं रानां सामकीं बोडकीं करून उडयल्यांत. सरकारान हालींच

अशीं झाडां कापपाचेर कडक बंदी हाडल्या. पूण ती बंदी कागदारच उरल्या. कितल्याशाच फावटी सरकारी अधिकाऱ्यांक हाताक धरून रानां मारपाचीं कामां पध्दतशीरपणान चलतात. इतलेंच न्हय तर ज्या लोकांक लोकांनी लोकप्रतिनिधी म्हण वेंचणुकेक वेंचून दिल्यात अशा कांय आमदारांचो रानां मारपांत हात धरपी कोण ना. अशेतरेन गांव बोडके जायत आसात. तेन्ना सरकारान कसलोच भेदभाव न दाखयतां अशा लोकांक कडक ख्यास्त दिवपाची तजवीज करपाक जाय. तशेंच लोकांनीय वी ह्या लोकांक रानां मारपाक विरोध करपाक जाय. अशे हे जंगलतोडीक लागून वातावरणातलो समतोल बिगडटा. पावस पडपाक गारवो जाय आसता तो उरना आनी हाका लागून पावस पडत जाल्यार पडत उरता आनी लागना जाल्यार कितलेशे दीस लागच ना.

गोंयांत शेताचें उत्पन्न व्हडल्या प्रमाणात वाडयतलो जाल्यार व्हडलें कृपीपीठ उबारून गोंयचे मानयेंत आनी वातावरणाक फावो अशा नवीन-नवीन भाता बियांचो वापर करूंक जाय, तशेंच खासा फॉर्म्युल्यान चड उत्पन्न दिवपी शेतां तयार करपाक जाय.

गोंयांतल्या शेतार नदर मारल्यार आजून अशें दिसून येता की आजूनय अठराव्या शतकांत आमलेंप्रमाण गोंयचे शेतकार बैलाक हिरीरी करीत आमुडटात, डव्यांनी झाडां मोडासर उदाक उपापतात जावं अशेंच तरेन जायतें कश्टाचें काम गामकें मरून करतात. पूण इतलेंय आसून तांकां तांच्या कश्टांचो फायदो जाय तितल्या प्रमाणान जायना. गोंयांतल्या शेतकारांचें शेत एकाचकडेन ना, तें शिंपडून सगल्याक कुडक्या-कुडक्यांनी आसा आनी ताचेंय प्रमाण खूब्ब कमी आसा. हाका लागून परवडनाशिल्लें ट्रॅक्टर, पावर टिलर, वॉटर पंप घेवप सामान्य शेतकऱ्याक शक्य नासता. आयज गोंयच्या इकराय तालुक्यांनी कृपी केंद्रां आसात पूण तीं फकत नांवांक. शेतकऱ्याक खऱ्या अर्थान फायदो जावचो म्हण केंद्रां उगडपाफाटलो खरो हेत आसलो. पूण शेतकऱ्याक ह्या केंद्रांतल्यान फावो तें मार्गदर्शन जायना आनी शेतकारा वांगडा तांचो संबंदय येयना. कितल्याशाच फावटीं ह्या केंद्रांतलीं मशिनां मोडलेलीं आसतात ना जाल्यार तांचें प्रमाण कमी आशिल्ल्यान सगल्या शेतकारांक तांचो लाव घेवपाक मेळना. म्हणून सरकारान ह्या सगल्या कृपी केंद्रांचेर तीं केंद्रां काम करतात काय ना, गरीब शेतकारांक तांचो लाव मेळटा काय ना तें पळोवन फावो ते उपाय घेवपाक जाय. तशेंच तालुक्यांनी, गांवांतल्या सोसायटींनी ना जाल्यार लोकांनी एकठांय येवन अशीं मशिनां घेवन तांचो उपेग करपाक जाय. हाका लागून कमी वेळांत आनी कमी कश्टान शेतकऱ्यांक चड पीक घेवं येतलें.

गोंय हें ल्हान व्हड जुंव्यांनी तयार जाल्लें आसा. ह्यो सगल्यो न्हंयो दर्याक मेळिल्ल्यान ह्यो न्हंयो खाऱ्या उदकाच्यो आसात. ह्या न्हंयच्या लागीं खाऱ्या उदकान खारपण भरिल्ल्यान ही जमीन शेताक वापरूंक मेळना. अशी कितलीशीच जमीन सद्या वेस्टी पडून आसा. अशा जाग्यार 'फीश फार्म' करून जाय तसल्या नुस्त्याचें उत्पन्न करूं येता. सुंगटांसारक्या नुस्त्याक तर देसांत आनी भायर खूब्ब मागणी आसा, म्हूण अशे वेस्टे पडून आशिल्ले जमनीचो विचार जावपाक जाय.

गोंयचो सगल्यांत व्हडलो उद्योग म्हळ्यार गोंयांतल्यो मायनी. १९५० सुमाराक हो उद्योग गोंयांत सुरू जालो. मायनी हें एकूच गोंयकारांक शिर्वीस मेळोवचें साधन आशिल्लें. गोंयचे सुटके उपरांत गोंयचे पयले मुखेलमंत्री भौ. बांदोडकार हे स्वताच एक मिनेर आशिल्ल्यान ह्या उद्योगाक हांगा फावो तें उत्तेजन मेळ्ळें. तेन्ना पासून ते आयज मेरेन सगल्या मिनेरांनी जपान, ऑस्ट्रिया सारक्या देसांनी खनिज निर्यात करून आपल्यो तिजोऱ्यो गच्च भरल्यो पूण आयज मेरेन गोंयकारांक शिर्विंशीची संद मेळची म्हण गोंयांत लोह-पोलादाचे कारखाने काडपाचें एकाय मिनेराक दिसूंक ना. सद्या गोंयांतलें मीन कमी जायत आसा आनी कांय दिसांनी तें सोंपतलें अशें कांय जाणकारांचें म्हणणें आसा. पूण वारकायेन पळयत जाल्यार दुसऱ्या-दुसऱ्या जाग्यार मीन गावत आसा इतलेंच न्हय तर पेडण्यातल्या कांय वाठारांनी मीन सांपडलां. गोंयांतलें मीन एक दीस सोंपतलें तरी पूण हाका खूब्ब दीस आसात. म्हूण गोंयांतल्या मायनींचें मीन निर्यात करपा परस गोंयांतच लोह-पोलाद तयार करपाचे कारखाने उगडपाक सरकारान फुडार घेवपाक जाय. हाका लागून गोंयच्या लोकांक शिर्विसूय मेळटली. लोह-पोलादाच्यो वस्तू सवाय पडूं येतात, तशेंच गोंयांक दर्या आशिल्ल्यान देसांतलें हेर मीन हांगा घेवन लोह-पोलाद तयार करप शक्य जातलें आनी गोंयच्या उत्पन्नात व्हडली भर पडटली हातूंत दुबाव ना.

गोंय हें उद्योगिक नदरेन मागाशिल्लें म्हूण जाहीर करून सवाय जमीन, लायट,उदक आनी जाय तें सगलें दिवन टॅक्सांत सवलत तश्योच जायत्यो हेर सवलती दिल्यार देसांतल्या भांडवलदारांक ओडून घेतलें. झुआरी ॲग्रो., एम्. आर्. एफ्., सिवा सारके तशेंच कितलेशेच लघु उद्येग गोंयांत उगडले. अशें आसलें तरीय हे कारखाने गोंयकारांचे गरजेखातीर उगडूंक नाशिल्ले तर गोंयची बाजारपेठ ही देशी-विदेशी भांडवलदारांक व्हडली संदच आशिल्ली. तशेंच पयलींच गोंयांत कमी आशिल्ल्यो तंत्रीक शिर्विसो भायल्या लोकांकूच मेळ्ळ्यो. इंडस्ट्रियल इस्टेटीचेर नदर मारल्यार सगले लोक गोंयांत मेळपी सवलतींचो फायदो घेवपाकच येतात आनी कामगारांच्या घामार आपलीं जाय तशीं बोल्सां भरून कामगारांक

अगदीं उणो पगार दितात. खरें म्हटल्यार अशा ह्या उद्येगांचो गोंयांक कांयच फायदो ना. खंयच्याय राष्ट्रा-देशाच्या विकासाक उद्योगीकरण गरजेचें आसता. पूण आमची सोविताय सुंदरताय ना करून लोकांच्या जिवितांत काळोख हाडपी कारखान्याक विरोध जावपाक जाय हेंय तितलेंच खरें आसा. अशा कारखान्याक लागून गोंयचें भोपाळ जावपाक वगत लागचो ना. तशेंच हाचे परिणाम फुडले पिळगेर जावं येतात म्हूण गोंय स्वयंपूर्ण करचो विचार करतना हाचोय विचार करचोच पडटलो आनी म्हणूनच अशा कारखान्यांक विरोध जावपाक जाय.

तांत्रिक शिक्षणाच्या नांवांन आयज सगलेचकडेन गजाल जाता. आमी उद्योगीक विकासांत फाटीं नात म्हूण दाखोवपा खातीर गोंयच्या इकराय तालुक्यांनी इकरा आय. टी. आय्. केंद्रां, एका ट्रेडीक तीन-चार बॅचीस सुरू करून सरकारान खऱ्या अर्थान वारावें घातलां. ह्या केंद्रांचो दर्जो सामको देंवून मुळाव्या शाळांचो दर्जो ह्या केंद्राक आयला. आय. टी. आय्. केल्ल्या बेकार तरण्याट्यांची संख्या कितलीशीच आसा. ह्या केंद्रांतल्यान मागणी नाशिल्ले ट्रेड बंद करून नवीन, जाका मागणी आसा आनी गोंयचे उदरगतींत भर घालूं येतात अशे ट्रेड ह्या केंद्रांतल्यान सुरू करपाक जाय. आमचे फुडारी सभांनी ताळयो मेळोवपाक 'तांत्रिक शिक्षण घेतिल्लयांनी आप रोजगाराची संद घेवची, स्वतंत्र धंदो करचो' हो फुटको धोल सदांच वाजयतात. भाशणां दिवप सोपें आसता, पूण वारीक पळयत जाल्यार सरकार जितले पयशे दिता, तातूंत बजेट बसपाक कठीण जाता म्हूण जण एकटो तरणाटो शिर्विसूच गावता जाल्यार पळयता आनी कोणय एक तरणाटो जिद्दीन हे स्किमीचो उपेग करचो थारायता तेन्ना बँक मॅनेजरासारके लोक सतायतात आनी हातुंतल्यान तरणाटे आपलें आंग काडून घेतात. म्हणून आपरोजगाराचे स्किमीचे पयशे वाडोवन उमेदवाराक कमीत कमी त्रास जायना अशी पद्धत आपणावपाक जाय. आपरोजगार येवजणेक तरणाटे फुडें येतले. कितल्याशाच वेळार तरणाट्यांमदीं जिद्द आसता पूण ताका जाय तें मार्गदर्शन मेळना म्हूण तरणाट्यांक अशें मार्गदर्शन करपाखातीर स्वतंत्र केंद्र उबारपाची गरज आसा. हातुंतल्यान आपलो आपरोजगार धंदो सांबाळटना आपले आपूणच गोंयच्या विकासांत भर पडटली.

आयच्या यांत्रिक युगांत विजेक खूब्व म्हत्व आसा. विजेवगर कसलोच विकास सादपाक ना. गोंयांक उद्‌योगाक आनी हेर कामाक लागपी वीज गोंयच्या शेजारी कर्नाटक आनी महाराष्ट्र राज्यांतल्यान हाडल्या. रोखडया-रोखडे हे आमचे शेजारी विजेचे दर वाडयत रावतात. वीज पुरवठो बंद लेगीत उडयला. अशेतरेन विजेखातीर गोंयांक आयज दुसऱ्याच्या उपकाराचेर रावचें पडटा. गोंयांत लांबच्यो

लांब दर्या वेळो आसात. ह्या वेळांचेर वाऱ्याच्यो झांती येतना ताचेर 'जपानी टेक्नोलॉजी'चेर पवनचक्की वसोवन वीज मेळोवं येता तशेंच गोंयांत दर्याच्या तोंडार न्हंय मेळटा थंय ज्या जाग्यार सुकती आनी भरतेचो विंदू आसता थंय 'जपानी टेक्नोलॉजी' चेर वीज मेळोंव येता. कांय दिसांनी दर्याच्या ल्हारांचेर लेगीत वीज तयार करपाक जातली. आमच्या गोंयांत विषुववृत्त लागीं आशिल्ल्यान गोंयांत कडक वोत आसता, म्हण सौरशक्तीचेर वीज करप शक्य आसा काय किते ताचो अभ्यास जावपाक जाय. तशेंच हेर भाशेन वीज तयार करपाच्या कामाक लागपी तज्ञ लोक आमच्या देशांतल्यान ना जाल्यार भायल्या देशांतल्यान हाडून ही पद्धत आपणावपाक जाय.

खण वेवसाया फाटल्यान पर्यटन हो एक म्हत्वाचो उद्योग आसा अशें सरकाराचें म्हणणें आसा. पर्यटनाक लागून गोंयांत जायते देशी-विदेशी भोंवडेकार वर्साच्या वर्सा गोंयांत आपली हजेरी लावन वतात, हाका लागोन गोंय सरकाराक भायलें चलन मेळून बरोच अर्थीक फायदो जाता हें खरेंच. पूण गोंयच्या इतिहासार नदर मारल्यार अशें दिसून येतलें की गोंय फकत मजा मारपाचो एक जागो हे नदरेन गोंयांकडेन सगळ्यांनी पळयलां. गोंय पर्यटन केंद्र म्हूण जाहीर केले उपरांत उगडीं नागडीं वायलां, हिप्पी दाखोवन गोंयची जायरात केल्या आनी हाका लागून गोंयांत येवपी भोंवडेकारां भितर गोंयांबद्दल वेगळो दृष्टीकोन जालो. हिप्पी हे कोण? गोंयचे संस्कृताये वांगडा तांचो परिणाम आमच्या कळत नकळत भुरग्यां-वायलां-तरणाट्यांचेर जाता. ह्या हिप्पींक कितल्योशोच वायट संवंयो आसतात. येतना चोरून हे हिप्पी लोक चरस, गांजा, अफू असले अंमली पदार्थ हाडटात. व्हडले उमेदीन खेळटले आमचे तरणाटे ह्या हिप्पींच्या सांगातान काम, धंदो, शाळा-कॉलेज सोडून ह्या अंमली पदार्थांचे मुवादीन गेल्यात. आपलें व्यसन पुराय करपाक घर-दार विकपाक ते फाटीं रावूंक नात. गोंयांत पर्यटन केंद्र म्हूण सुरू केले उपरांत गोंयांक ही पर्यटनाची धाकटुलीशी भेट आसा.

गोंयांतल्या मोवीत दर्या वेळांचेर कांय व्हडल्या कंपन्यानी ह्यो वेळो विकत घेवन माडवीन कापून व्हडलीं हॉटेलां उबारल्यांत. हीं व्हडलीं हॉटेलां बांदलीं म्हणटकच आपल्या भुरग्यांक शिर्वीस मेळटली म्हूण लोक खोशी आसले, पूण उपरांत लोकांक कळून आयलें की हॉटेलाक लागपी उदक मेळपाक बोरींग मशिनां खोल व्हेल्यांत. ताका लागून गांवच्यो वांयो आटटात.आयज त्या वेळार आमकां पांय दवरपाक मेळना. थंयचो गुरखो आडायता तर गरीब नुस्तेकारांचीं जाळीं तोडून भोंवडेकारांक मोटार लांचींनी भोंवडायतात. त्या हॉटेलांच्या वेळांनी गांवचीं गोरवां गेल्यार तांचेर गुळयो घालून मारप आनी इतलेंय जावन हालींच गोंयांत व्हडल्या-

व्हडल्या हॉटेलांनी रावन गेल्ल्या केंद्रीय पर्यटन मंत्र्यान 'पर्यटन हो गोंयचो उदयोग म्हूण मान्य करचो' तशेंच 'आनीक कितलेशेच अब्ज रुपया खर्च करून अमलीं हॉटलां बांदतले' म्हूण सांगले आनी आमचे गोंयचे मंत्री-आमदार, विरोधी पक्ष 'हय सायबा' करीत तकली खाला घालून वोगी रावले.

पर्यटन उद्योग म्हण आपणायल्ल्या कोरिया, सिंगापूराचो कितें इतिहास आसा हाचेकडेन कोणी लक्षूच दिवंक ना. थंय आयज व्हडल्या-व्हडल्या हॉटेलांनी सगल्या जगांतल्यान येवपी भोंवडेकारांक खोशी करपाक थंयचीं तरणाटीं चेडवां, बायलां वतात. तांकां संस्कृताय वी कांयच उरूक ना! तेंच फाल्यां गोंयांत कित्याक घडून येवचें ना? बायलां-तरणाट्या चेडवांच्या धंद्यावांगडा ह्या हॉटेलांचो उपेग दर्यातल्या काळ्या धंद्याक लेगीत जातलो.गोंय हो शांत प्रदेश. पूण वेळांनी पावला पावलार हॉटेलां उबारले उपरांत ही शांतताय राखप शक्यच ना. तातुंतल्यान 'एड्स' सारके रोग येतले, खून मारामाऱ्यो हांचें प्रमाण वाडटलें. गोंयकारांचें खेरीतपण, भाशा, संस्कृताय, अस्मिता हें सगलें खंयचें खंय ना जातलें आनी गोंयकार वखदाक लेगीत मेळचो ना. हें सगलें घडून येतलें तेन्ना उकत्या दोळ्यांनी पळोवपाखेरीज आमी कितेंच करूंक पावचेनात; आनी म्हणूनच पर्यटनाक लागून गोंयांक म्हा अर्थीक फायदो जालो तरी फुडाराचें चितून गोंय हें पर्यटन केंद्र जावपाक तशेंच हांगा हॉटेलां उबारपाक विरोध जावपाक जाय. हांगाच्या मनशाक धड सारकें रावपाक घर-दार ना जावं ताका संवसारांतल्या सगल्या कटकटींक तोंड दिवन कशेंय तरी हाल काडीत जिवीत सारचें पडटा आनी हीं पंचतारांकीत हॉटेलां कोणाक? अशे नग्न ह्या पर्यटनाक लागून गोंय स्वयंपूर्ण तर जावचेंच ना परतें वायट मार्गाक मात लागतलें.

पेडणेंगून काणकोणमेरेन गोंयांक दर्यो मेळिल्लो आसा. गोंयांत दोनापावला दर्या संशोधन केंद्र आसा पूण ताचें काम मर्यादित आसा. ह्या केंद्रान आपलें काम मर्यादित न दवरतां हेर दर्या वाठारांत संशोधन करपाक जाय. सांगूंक जायना, खंयतरी तेलाचें साटे ना जाल्यार हेर कितेंय मोलादीक सांपडून गोंयचो फुडारच बदलूं येता. दर्या संशोधन केंद्राचे मदतीन नुस्त्यांचीं भिरीं खंय-खंय आसात ताचो सोद घेवं येता. गोंयांत न्हंयेंनी बऱ्याच प्रमाणांत रेंव गावता, ताचेपासून गोंयांत हारशे करपाचे कारखाने सुरू करूं येतात.

देशांत आनी देशाभायर गोंयांतल्या कारागिरांनी तयार केल्लीं मातयेचीं आयदनां, लाकडाचें कोरीव काम, तांब्या-चांदीचीं नक्षी आयदनां, तरे-तरेचे दागिने तशेंच मुर्ती, शिल्प खूब्ब लोकप्रिय आसात. ह्या सगल्या वस्तूंकडेन जग आयज ह्यो दुर्मिळ वस्तू म्हूण पळयता. अशा ह्या सगल्या कलाकारांक पुंजावन

तांच्या कलांचीं गोंयांत तशेंच देशांतल्या हेर भागांनी प्रदर्शनां घडोवन हाडपाक जाय, जाका लागून तांच्या कलांक प्रसिद्धी मेळूं येता. कितल्याशाच फावटी अशें जाता की एकादो व्हडलो कलाकार उजवाडाक येवं शकता. सरकारान ही येवजण चालीक लावपाचो यत्न करपाक जाय. ह्या कलाकारांक फावो तें उत्तेजन दिल्यार हस्तकारागीर हे गोंयांत लघुउद्योगाचें म्हत्वाचें आंग जावं येता.

तशेंच लोकसंख्येचेर नियंत्रण दवरप लेगीत तितलेंच गरजेचें आसा. ना जाल्यार सगळें करून लेगीत लोकसंख्या वाडत रावली जाल्यार ताचो कांयच उपेग जावचो ना.

ह्या सगळ्या गजालींचेर खासा जाणाकारांकडल्यान खोल अभ्यास जावपाक जाय आनी हें सगळें घडून आयलें तर गोंय स्वयंपूर्ण जावपाक वगत लागचो ना आनी त्याच वेळार खऱ्या अर्थान गोंय स्वतंत्र जाल्ल्याचें समादान गोंयकारांक मेळटलें.

कमाल जमीन धारणा विधेयकाचो गोंयाक लाब

देशाच्या हेर वाठारांप्रमाण गोंयचो वाठार हो लेगीत तसो कृषीप्रधान वाठारच. गोंयांत आशिल्ले पोर्तुगीज राजवटेंत आनी ताचे पयलींय जायत्या राजांच्या राजवटींतूय चडशा लोकांचें जिवीत हें तशें शेतारच आदारून आशिल्लें. हांगा जमीन कोणाक आसा, कोणाक अजिवात ना वो कोणा एकल्याचे मालकीची इतली जमीन कशी हाचें सोयरसुतक पोर्तुगीज राजवटीक नासलें. कारण, पोर्तुगीज हे हांगा समाज सुधारणा वो समाजीक क्रांती घडोवंक येवंक नाशिल्ले, तर तांकां गोंयचेर सत्ता गाजोवन हांगा मेळपी उत्पन्नाचो फायदो पोर्तुगालाक व्हरूंक जाय आशिल्लो. हाका लागून शेत वो जमनी संबंदान शेतकामती आनी हेरांचेर जावपी अन्याया आड पोर्तुगीज राजवटींत न्याय मेळपाची शक्यताच नाशिल्ली.

दुसरेवटेन विचार केलो जाल्यार पोर्तुगीज राजवटींत पोर्तुगीजांनी केल्ल्या धर्मीक अत्याचाराआड वो गोंयच्या स्वातंत्र्याखातीर केल्ल्या संघर्षाचो गोंयांक इतिहास आसा. पूण देशांतल्या बऱ्याच वाठारांक जसो कृषी क्षेत्राचो इतिहास आसा तसो इतिहास गोंयांक ना. कांय थरावीक लोकांचे मालकीची कितलीशीच जमीन आसप वो इतलीं वर्सां ते जमनींत वो शेतांत मरून वावर करतल्याक ताचो कांयच फायदो जावप ना हें तांचें चलिल्लें शोशण आनी अन्याय. पोर्तुगेज सत्तेक धांवडोवन घालपाक सुरू जाल्ल्या मुक्ती लड्यांत गोंयांतल्या सामान्य मनशान लेगीत वांटो घेतिल्लो, जमिनी संवदांतल्या हक्काविशीं गोंयकारांनी संघर्ष ना केलो तरी गोंयांत थरावीक लोकांचेच मालकीची जमीन आशिल्ल्यान आपणाचेर अन्याय जाता म्हण लोकांमदीं तसो असंतोश आशिल्लो. एके परकी सत्तेक धांवडोवन लायले उपरांत हांगा लोकशाय येतली. भाटकाराकडल्यान एकेतरेची वेठविगारी चलता तातुंतल्यान आपली सुटका जातली, आपूण कसता तें शेत आनी घाम

गाळून करतां तीं कुळागरां आनी माडाचीं वागां फळटलीं ताचो आपूण धनी जातलो,जाचे कडेन व्हडा प्रमाणांत जमीन आसा तातुंतली जमीन नाशिल्ल्याक वाटून मेळटली अशें गोंय मुक्ती लड्यांत वांटो घेतिल्ल्या सर्वसामान्य मनशाचें सपन आशिल्लें. गोंयचे मुक्तताये उपरांत महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाचें सरकार सत्तेर आयलें. शेतारूच आदारून आशिल्ल्या चडशा शेतकामत्यांची सदांच वन्याचशा भाटकारांकडल्यान सतावणूक जाली, अशा भाटकारांवद्दल भौजन समाजाक आशिल्लो राग वळखून म. गो. पक्षान "भाटकारशाय नश्ट करात "ही घोशणा दिवन लोकांक आपलेवटेन ओडपाचो यत्न केलो, हातूंत लोकांचें आपलेंपण मेळोवंक तांकां व्हडा प्रमाणांत जैतय मेळ्ळें. हें करतना तांचो राजकी सुवार्थ हो आशिल्लोच पूण "कसता ताची जमीन" हो कायदो तांणी अस्तित्वांत हाडलो हेंय तितलेंच म्हत्वाचें.

'कसता ताची जमीन' हो कायदो शेतकामत्यांचे वटेन जालो. तरीय हो कायदो फकत शेतापुरतोच मर्यादीत आसलो. काजुचीं वागां, माडाचीं वागां हांचे खातीर ह्या कायद्यांत कांयच तरतूद ना. भारत देश स्वतंत्र जाले उपरांत आमच्या शेजारच्या महाराष्ट्र राज्यांत जमनीत कसपी जमनीचो धनी जालो जाल्यार देशांत सामाजिक आनी आर्थिक परिस्थितीं सुदारली. ह्या कायद्याचे तरतुदी प्रमाण शेतांत रावतलीं कुळां जमनीचे मालक जालीं. जमीन मालकान कायद्याचे तरतुदी प्रमाण कुळाक उण्यांत उण्या मोलान जमीन विकपाची सक्ती केली. ह्या कायद्याप्रमाण फकत फायद्या खातीर दुसऱ्या कोणाकूय अशी जमीन भाटकाराक विकपाक मेळचीना आनी सामकी म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार एका कुटुंबाक एके थरावीक मर्यादेंतच जमीन आपलेलागीं दवरपाक मेळटली असो सामान्य शेतकामत्याक न्याय दिवपी लोक हिताचो कायदो ह्या राज्यांत हाडलो. गोंयचे स्वतंत्रताये उपरांत गोंय तशेंच उरचें काय महाराष्ट्रांत विलीन करचें ह्या प्रस्नावेल्यान वाद सुरू जालो. गोंय स्वतंत्र उरप हें गोंयकारांचे दिश्टीन फायद्याचें आशिल्लें हातूंत इल्लोय दुबाव ना. गोंय स्वतंत्र उरचें म्हूण भोसंख्य गोंयकारांफाटल्यान तेन्ना सगल्या भाटकारांनी आपली तांक उबी केली. हाचे फाटल्यान गोंय स्वतंत्र उरचें हे तळमळी परस गोंय महाराष्ट्रांत घातलें जाल्यार 'कमाल जमीन धारणा' कायद्यान आपलीं भाटां वतलीं हो सुवार्थ आशिल्लो.

खंयचोय देश वा राष्ट्र पुराय स्वयंपूर्ण जातलें आनी देशांतले भोसंख्य लोक सुखी जातले तर तांच्यो मुळाव्या गरजो पुराय जावप गरजेचें. पोटाकच खावपाक सारकें ना जाल्यार भुकेच्या पोटार हेर गजालींकडेन कोणाचेंच लक्ष वचचें ना. तांचे राहणीमानांतय बदल जावचो ना. गोंयांतले चड लोक हे गांवांनी रावपी. शेत होच

गांवांतलो मुखेल धंदो अशें आसुनूय दिसानदीस जेवणा खातीर लागपी धान्याचें हांगा उत्पन्न जायना. माडाक फावोशें वातावरण आसून लेगीत भायल्यान नाल्ल आयात करचे पडटात. हाचें मुखेल कारण, कांय मूठभर लोकांच्या हातांत आशिल्ली जमीन. आयज सरकाराकडेन कवाथे जावं हेर तरेचें उत्पन्न दिवपी झाडां, कलमां लावपाच्यो कितल्योश्योच बऱ्यो येवजणो आसात. पूण जेमेरेन शेतकामत्यांक ते मुंडकार म्हूण कसतात त्या शेताभाटाचेर स्वताचो मालकी हक्क मेळना, ते मेरेन सरकाराच्यो येवजणो कितल्योय बऱ्यो आसल्यो तरी तांचो कांयच उपेग जावपाक ना. समजात, शेतकारान माडाचे कवाथे ताचेकडेन राखणेक आशिल्ल्या भाटकाराचे जमनींत रोयले. ते कवाथे व्हडले जाले, म्हणटकच भाटकार आपल्या मालकी हक्कान त्या माडाचे नाल्ल काडून व्हरतलो, जावं ताणें रोयल्लीं झाडां व्हडलीं जानकच कापून व्हरतलो. मागीर घाम गळोवन वावुरतल्या शेतकामत्यांचें कितें?

गोंय हो ल्हान व्हड दोंगरांचो प्रदेश. काजूच्या झाडांक हांगा फावो तें वातावरण आसा. काजू बियांच्या गराक भायल्या देसांनी खूब्ब मागणी आसा. तशेंच काजूंपासून काडटात तें हुर्राक आनी फेणी देशांत आनी देशाभायर लोकप्रिय आसा आनी ताका बरीच मागणी आसा. ह्या काजूच्या उत्पन्नाक लागून गोंयांक विदेशी चलन मेळटा हें खरें, पूण एकल्या शेतकाराकडची हीच जमीन ताची ताका दिली तर ह्या काजूच्या उत्पन्नाचो आंकडो उण्यांत उणो स-सात पटीन वाडून गोंयांक व्हडल्या प्रमाणात विदेशी चलन मेळूं येता, इतलेंच न्हय तर शेतकार आपली हक्काची जमीन म्हूण पोटतिडकीन वावरून शेत, नाल्ल, केळीं आनी हेर तरेचें उत्पन्न कश्टान काडटा. आपली उदरगत सादतना तो गोंयच्या आनी देशाच्या विकासाक आपसूकच हातभार लायतलो. देखून सगल्या कश्ट करपी कुळांक शेताचे धनी करप हो कृषीक्षेत्रांतलो प्रगतीचो आनी लोकशायेंतलो खरो मार्ग आसा.

सद्या कुळहक्कान आशिल्ल्या जमनींनी शेतकार थरावीक भाताचें उत्पन्न घेता. पिकाचें उत्पन्न हें जमनीच्या गुणवत्तेर आदारून आसता. पूण जे जमनींत भातशेताचें बरें उत्पन्न येयना, तातूंत ऊस, काजू, आंबे, कलमां इमारतीक लागपी लाकूड हाचें सारकें उत्पन्न घेवं येता. कूळ म्हूण नोंद जाल्ल्या शेतांत अशें उत्पन्न बदललें तर भाटकार ताचेर आपलो हक्क सांगूं शकता. खूब्वशा फावटी शेतकामती आपल्यो जमनी पडिंग दवरतात आनी मदें एक वर्स रितें सोडून तातूंत पीक घेतात. हाचें मुखेल कारण म्हळ्यार शेताक येवपी खर्च शेताच्या उत्पन्नान भरून येयना. जमीन ही भाटकाराचे मालकीची आशिल्ल्यान शेताचें चड उत्पन्न घेवपाखातीर बांय, वॉटरपंप जावं दुरीग बांदतलो जाल्यार भाटकाराकडल्यान

आडमेळीं येतात. गोंयांतलीं चडशीं शेतां हीं कुडक्या पध्दतीचीं सगलेकडेन वांटून गेल्लीं. अशीं वांटून गेल्लीं शेतां दोन शेतकामत्यांमदी समजिकायेन तांकां एकठांय करून घेवं येतात.

महाराष्ट्रांत 'कमाल जमीन धारणा' कायदो चालीक लायल्ल्यान गोंयचे भाटकार शिटूक जाल्यात. एकाद्रो असो कायदो गोंयांत आयलो तर तातुंतल्यान पळवाट म्हुणून चडशा भाटकारांनी आपल्या भावां सोयऱ्यांमदीं ही जमीन पयलींच वांटून घेतल्या. ताका लागून गोंयांत असो कायदो हाडटना अशा भावांभावांमदल्या भाटकाराच्यो जमनी कुळांक विकपाक काडटना एकठांय विचार करपाची तरतूद आसपाक जाय. गोंयांक आतां राज्याचो दर्जो मेळिल्ल्यान गोंयान चडानचड स्वंयपूर्ण जावपाक जाय. महाराष्ट्रांत आपणायल्लो 'कमाल जमीन धारणा' कायदो जर गोंयांत हाडलो तर गोंयचे अर्थीक येणावळींत व्हड प्रमाणात फायदो जातलो.

पर्यटनाचो आयज गोंयांत अतिरेक जाला. पावला कणकणीं शेतां आनी दर्या वेळांनी हॉटेलां उबीं रावत आसात. चड दुडवांच्या हावेसान भाटकार लोक दर्या प्रायो, शेतां दुडवांकारांक विकत आसात. शेतां पुरोवन आनी माड कापून पांचनखेत्री हॉटेलां उबारून एकवटेन राष्ट्रीय संपत्तीचेर तांणी घालोच घातला. गोंयां भायलो कोणय येवन आपणांक जाय तशी जमीन घेवन हांगा बंगले उबारता. हेर राज्याप्रमाण राज्याभायल्याक जमीन विकतना जशे कायदे आनी अटी आसात तशे हांगा कसलेच कायदे आनी बंधना नात, ताका लागून घरधनी आसून चोर आशिल्लेवरी गोंयकारांची परिस्थिती जायत आसा. 'कमाल जमीन धारणा' कायद्यावरवीं अशे जमीन विक्रीचेर अटी घालपाची तरतूद करप शक्य जातलें आनी गोंयकारांच्या हितसंवंदांची राखण करूं येतली. ह्या सगल्यांचो विचार केल्यार 'कमाल जमीन धारणा' विधेयक गोंयांत बेगोबेग हाडपाची सामकी गरज आसा.

पर्यटनाचे गोंयचेर वायट परिणाम

मुक्तताये उपरान्त पर्यटन वेवसाय गोंयान आपणायलो. देखून हो पर्यटन वेवसाय आपणायले उपरान्त ते आयज मेरेन ताचो कितें परिणाम जालो आनी फायदो-लुकसाण कशें जालें तें पळोवप गरजेचें. गोंयांतल्यो लांवच्यो लांब दर्या वेळो, विशाल दर्या, पाचवेगार दोंगर, एका परस एक सोवित सुंदर देवळां आनी चर्चीं अशें सैमाचें अप्रूप मेळिल्लें हें माणकुलें गोंय साहजिकच कोणायकय पिशें लावपी. गोंय स्वतंत्रताये उपरान्त पयलींच सत्तेर आयिल्ल्या म.गो. सरकारान पर्यटनाक लागून जातल्या वायट परिणामांचो कसलोच अभ्यास करिनासताना फकत अर्थीक दिश्टीन फायद्याखातीर गोंयांत पर्यटन केंद्रां उगडलीं. कांय दिसांभितरच पर्यटनाखातीर गोंयचें नांव सवंद संवसारांत रोखडेंच पावलें. देशी-विदेशी भोंवडेकारांच्या लोंड्यार नदर दवरून वेरकी लोकांनी वेगोवेग व्हडलीं-व्हडलीं पंचतारांकित हॉटेलां उबारलीं. म.गो. ची सत्ता आसा मेरेन ह्या पर्यटन वेवसायान हांगा आपलीं पाळां-मुळां घट रोयलीं. ताचे उपरान्त कॉंग्रेस सरकारानय म.गो. सरकाराच्या पावलार पावल दवरून पर्यटनाक बरें उत्तेजन दिलें.

मदल्या काळांत पाश्चात्त्य देसांनी जांचेकडेन थंयचो समाज तुच्छतायेन आनी वायट नदरेन पळयता ते केंस वाडयल्ले, आपल्या कुडींची सारकी नितळसाण ना राखपी, नागडे रावन दर्या प्रायेर सनवाथ घेवपी हिप्पी जमात गोंयांत आयली. संवसारांत जितलीं म्हूण कसलीं-कसलीं व्यसनां आसात ताचे परस चडूच म्हटल्यार उपकारता तीं हे जमातींत सांपडूं येतात. अंमली पदार्थ तर तांचे मदीं सामके प्रिय. गोंयांत येतना ह्या हिप्पी भोंवडेकारांनी चरस, गांजा, अफू, हेरायन, गर्द तशेंच सामान्य मनशाक जाचीं नांवां लेगीत खबर नात तसले अंमली पदार्थ हांगा हाडले. हांगाचे तरणाटे, शाळा-कॉलेजांतले विद्यार्थी-विद्यार्थिनी ह्या सगल्यांनी ह्या हिप्पींकडल्यान गुंगीचे पदार्थ वोडपाचें रोखडेंच वेसवरें शिक्षण घेतलें. ज्या मैदानार काल सकाळ मेरेन तरणाटे व्हडा उमेदीन क्रिकेट-फुटबॉल खेळटाले तीं मैदानां आयज बेस्टीं दिसतात. आपलो कामधंदो, शाळा-कॉलेज सोडून घरांत कितें मेळत तें घेवन

तांणी आपली अंमली पदार्थांची चटक पुराय करपाखातीर घरादाराचो सत्यानाश केलो. अशे अंमली पदार्थ ओडपी तरणाट्यांचो आंकडो दिसान दीस वाडत आसा. एक वेळ गिरेस्त बापायचीं भुरगीं चैन-मजेखातीर हातूंत घुस्पतात म्हणपाचें समजूं येयत. पूण हांगाच्या मामक्या गरीब कुटुंबांतल्या तरणाट्यांक ह्या अंमली पदार्थांची चटक कशी आनी कित्याक लागली? जाप सोपी आसा. पयलीं हिप्पींनी ह्या धुंवळीच्या वस्वदांची संवय कांय तरणाट्यांक लायली. ह्या तरणाट्यांनी पर्थून हे अंमली पदार्थ वोडपाचें शिक्षण तांच्या इश्टमित्रांक दिलें. अशे तरेन हें चक्र फिरत आसा. आतां हे अंमली पदार्थ तर भुसारी दुकानावेल्या सामाना सारके सगल्याक मेळत आसात.

आयचे आदर्श तरणाटे हे फाल्यांचे आदर्श नागरीक अशें म्हणटात. अंमली पदार्थांच्या पुराय सुवादीन गेल्ले, रोगी, फोक्यांचे कुडी जाल्ले आनी स्मरणशक्ती व्हगडायल्ले आमचे आदर्श नागरीक? आयज गोंयांतलें खंयचेंय दिसाळें सकाळ फुडें उगडलें जाल्यार अंमली पदार्थां संबंदान कसली ना कसली खबर आसतली. असो अंमली पदार्थ धरलो वो अड्ड्यांर धाडी घातल्यो अशो खबरो चड करून पोलिसांनी धाड घातले उपरांतच्यो आसतात. सगल्याच जाग्यांनी कांय पोलिस धाडी घालूं शकनात. तशेंच पोलिसांक हप्तो चालू आशिल्ल्यान अशे पदार्थ विकपी अड्ड्यांर वो अड्डेवाल्यांक हे पदार्थ हाडून घालपी एजंटांचेर धाडी पडनात. पेपरांतल्यान येवपी वातम्यां परस आठ-णव पटीन ह्या असल्या अंमली पदार्थांच्या आपलिपयां वेवहाराचो आंकडो निश्चितपणान व्हडलो आसा. ह्या अंमली पदार्थांचे सुवादीन गेल्ल्या लोकांक तांचे पासून वाचोवपाखातीर गोंयांत कांय समाजकार्यकर्ते, समाजसंस्था वावुरतात. पूण दिसानदीस हे पदार्थ ओडप्यांचो आंकडो वाडत राविल्ल्यान तांचे मुखार अशा लोकांचो यत्न आनी वावर सामको उणो पडटा. पयलीं हे पदार्थ हिप्पींनी हाडले. आतां ते तांचे पुरतेच मर्यादित ऊरूंक नात तर सरकारी मान्यताय मेळिल्लेवरी ते सगल्याक मेळत आसात. आतां ह्या हिप्पींक जरी गोंयांत येवपाचें बंद केलें तरी ताचो कांयच उपेग जावचो ना; इतलो ह्या पदार्थांचो प्रसार जाला. पर्यटन केंद्र म्हूण सुरू केले उपरान्त गोंयांक मेळिल्ली तांची ही एक धाकटुली भेंट आसा.

हांगाच्यो दर्या वेळो मनाक पिशें लायतात. ह्या दर्या वेळो हें गोंयांक मेळिल्लें एक वरदान. पूण हिप्पींनी थंय नागडे-उगडे रावून भ्रष्ट केलें. सभ्य मनीस अशा वेळांर वचूंक लेगीत पळयना, तर शाळा-कॉलेजींचे भुरगे, तरणाटे शाळा-कॉलेजां चुकोवन तांकां पळोवंक वतात. हाचो भुरग्यां वायलांचेर सामको वायट संस्कार घडला. देशी-विदेशी गिरेस्त भोंवडेकारांच्या लोंड्यार दोळो दवरून व्हडल्या-

व्हडल्या गिरेस्त लोकांनी हांगाच्यो दर्या वेळो विकत घेतल्यो. दुडवांचे आशेन कांयच विचार केले बगर भाटकार लोक ह्यो दर्या लागच्यो प्रायों विकीत रावले. विकत घेतिल्ल्या प्रायांवयले माड-झाडां कापून व्हडलीं-व्हडलीं पंचतारांकित हॉटेलां उबारलीं. हॉटेलां पळोवन पयलीं गांवांतले लोक तांच्या गांवाचें नांव अख्ख्या संवसारांत वतलें, व्हडले-व्हडले गिरेस्त लोक त्या निमतान गांवांत येतले ह्या हॉटेलवाल्यांच्या प्रचारान भुल्ले. हीं हॉटेलां उबारले उपरान्त आपल्या भुरग्यांक ना जाल्यार गांवच्या कोणायक तरी तातूंत नोकरी मेळत म्हूण माड, शेतां-भाटां गेलीं तर वचूं म्हूण लोक फुडाराचे आशेर वोगी रावले. भारत देशाचे घटनेप्रमाण देशांतलो खंयचोय नागरीक ह्या देशांतल्या खंयच्याय राज्यांत-प्रांतांत कामा-धंद्याखातीर रावूं शकता. अशें आसलें तरीय त्या त्या राज्यांत वो प्रांतांत थंयच्या थळाव्या लोकांक पयलो धारो मेळपाक जाय हेंय तितलेंच खरें आसा. पूण ह्या हॉटेलांनी थळाव्या लोकांपरस हेर लोकांकच चड प्रमाणांत संद मेळ्ळी. हांगाच्या लोकांक कामां मेळ्ळीं तीं प्यून, स्वीपर, रुमबॉय, रानपी असलीं. कांय दिसांभितरच ह्या हॉटेलांचे वायट परिणाम सरभोंवतणींच्या लोकांक जाणवपाक लागले. ह्या हॉटेलांक लागपी उदकाखातीर बोअरिंग मशिनां, ट्यूबवेल खोल व्हेल्ल्यान लागच्या वाटारांक, वांयंक उदक मेळप खूब कठीण जालें. मनशां वांगडा गोरवांचेय व्हळव्हळ सुरू जाली. आयज ह्या प्रायांर अशीं हॉटेलां जाल्ल्यान तांच्यानी हॉटेलां भोंवतणींच्या प्रायांचो वगीच जागो आडायला. थंय आमकां आतां पाय दवरपाक मेळना. थंयसलो गुरखो-शिपाय आमकां धांवडावन लायता. गोंयची राजधानी पणजे सावन लागींच्या अंतरार अशाच एका हॉटेला लागींचे प्रायेर गांवांतलीं गोरवां चुकून गेलीं म्हूण मनीसपण सांडून ह्या मोन्या जनावरांक जात्रेक आमी जशें मजे खातीर फारान फुगे फोडटात ते भाशेन फारान मारलीं. पूण प्रकरण कोणाक कांयच कळोवंक दियनासतना चेपून उडयलें. आयज गोरवांचेर फार मारले, फाल्यां ते मनशांचेरपासून चलूं येता. दर्या वेळेर हॉटेलां उबारलीं म्हूण दर्या ह्या हॉटेलांचे मालकेचो जावं शकना. पूण अशा कांय हॉटेलांनी रावपी गिरेस्त भोंवडेकारांचे खोशयेखातीर मोटार, लॉंची दर्यांत भोंवडावपाक पोटाखातीर आपलो पारंपारिक वेवसाय करपी गरीब रापणकारांची जाळीं कसलोच विचार नासतना तोडटात. ह्या संबंदान तक्रार केली जाल्यार वयल्यान ह्या रापणकाराकच धमकी. खंयचो कोण देशाभायलो दोतोर काणकोणां शेंद्रें गांवांत येता आनी गांवांचो जागो आडावन गांवांतल्या लोकांचेर भाड्याचे गुंड घालून वडयता. हरमलचे वेळेर मजेक लोक गेले म्हूण तांचेर हिप्पींच्या जमावाकडल्यान हल्लो जाता. घरधनी आसून चोर आसलेवरी थळाव्या लोकांक वागणूक मेळटा. आयजमेरेन गोंयच्यो

प्रायो आनी गोंय सैमान नटिल्लें, शांत म्हूण वळखताले, पूण पावला-पावलार उबारपाक येवपी ह्या हॉटेलांक लागून हो सैमय रावचो ना आनी शांतताय रावची ना. काणकोण सावन बांदपाक सुरवात केल्लीं हीं हॉटेलां वार्देसच्यान पेडणें मेरेन चलत आसाता.

सद्या जीं अशीं पंचातारांकित हॉटेलां आसात, तातुंतल्या कांय हॉटेलांनी नागडीं-उगडीं बायलां दाखोवन अश्यो जायत्यो अश्लील जायराती वृत्तपत्रांनी, सातोळ्यांनी, म्हयनाळ्यांनी छापतात. कांय हॉटेलांनी न्यूडिस्ट क्लव चलतात. मसाज पार्लरच्यो जायराती नागडीं उगडीं सेक्सी बायलां दाखोवपी जायराती करतात.

गोंयांक सादारणपणान १०० मैल दर्या वेळ आसा. सद्या दर एका वीस मैलां फाटल्यान एक पंचतारांकित हॉटेल आसा.२६ मे १९८७त तेन्नाचे केंद्रीय पर्यटन मंत्री श्री. मुफ्ती महंमद सईद हांणी गोंयांत अशीं पंचतारांकित हॉटेलां बांदपावयली वंदी उठोवपाचें जाहीर केलें आनी १९९० मेरेन गोंयांत अशीं आनीक १९ पंचतारांकित हॉटेलां जातलीं अशी घोशणा करून पर्यटत विकासाची येवजण तांणी ह्या वेळार जाहीर केल्ली. तांच्याच सुरांत सूर मेळोवन गोंयचे मंत्री आनी हेर मुखेल संवंदीत अधिकाऱ्यांनी 'हय सायबा' म्हणपाचें काम केलें. ताचे उपरान्त एका दिसा सरकारान मास्टर प्लॅनाविशीं घोशणा केली. मडगांवां मावाय हॉटेलांत फकत तीन वरां आनी ताचे उपरान्त पणजे जाल्ल्या परिसंवादावेळार पोस्टर्स प्रदर्शन दवरलें. खरें म्हटल्यार ह्या येवजण, प्रदर्शन-परिसंवादांसंवंदान सगल्यांक जाणविकाय करून दिवची गरज आसली. पूण लोकांक हें खवर जालें जाल्यार खर विरोध जावपाची भिरांत म्हूण ताकतिकेन तें घडोवन हाडलें हें दाखोवपाचो यत्न केलो. पूण जे कांय जाग्रुत लोक हाचेर पयलीं सावन सारको दोळो दवरून आशिल्ले आनी जांकां ह्या धोरणाची पुराय खवर आशिल्ली तांच्यानी हांगा मोर्चो, निदर्शनां, निशेध करून तशेंच कांय वृत्तपत्रांच्या आधारान विरोध करून मास्टर प्लॅन चालीक लागचे पयलीं तो लोकांखातीर उकतो करचो म्हूण सरकाराचेर पेंच हाडलो. हे उपरान्त अशा कांय संघटनांनी खरें कितें तें लोकांक पटोवन जाग्रुती करपाचो यत्न केलो. हे मास्टर प्लॅन येवजणे फाटल्यान केंद्रीय सरकार आनी थळावें सरकार आसा; तेचप्रमाण यु.एन.डी.पी. रिपोर्टाचोय तातूंत उल्लेख आसा. ह्या रिपोर्टांत 'हॉटेलाखातीर हेर लोकांचें (गोंयकारांचें) येवप-वचप जावचें ना, असो व्हड आकाराचो हॉटेलाक जागो जाय', असो उल्लेख आसा. सरकाराचे येवजणेप्रमाण दर एका ३-४ मैलां फाटल्यान अशीं पंचतारांकित हॉटेलां उबीं रावलीं जाल्यार मागीर दर्यावेळ रावली ती तरी खंयची? हाका लागून गोंयांत एका

परस एक सोबीत-सुंदर प्रायो आशिल्ल्यो हो इतिहास जातलो. फुडले पिळगेक खंयतरी कथा-कादंबऱ्यांनी ताचीं वर्णनां वाचपाक मेळटलीं.

ह्या पंचतारांकित हॉटेलांचो हांगाच्या गरीब-सामान्य मनशांक कुस्कुटाइतलो लेगीत फायदो नाच्च, पूण ५-६ किलोमिटरार वेशागृहांक मात निश्चितपणान जातलो. कॉलगर्लचो धंदो तेजींत चलतलो! तातूंत फाल्यां गोंयकाराची आवय-भयण लेगीत आसूं येता. एड्स सारके तशेंच हेर रोग जाचीं केन्ना नांवां लेगीत आयकूंक नात तेय रोग येवन अंमली पदार्थां सारकेच सगल्या लोकांची वाट लावन उडयतले.

खण वेवसाया फाटल्यान पर्यटन हो गोंयचो म्हत्वाचो उद्योग जातलो अशें सरकाराचें म्हणणें आसा. पर्यटन हो वेवसाय म्हूण आपणायल्ल्या सिंगापूर, कोरिया, हॉंगकॉंग, फ्रान्सांतलीं कांय राज्यां हीं सगलीं राज्यां-राष्ट्रां आयज वायट मार्गान वतात. तांची संस्कृताय, भाशा, स्वतंत्र अस्मिता हाची सामकी वाट तर लागल्याच, पूण ह्या देशांतल्या गरीब, गिरेस्त तरणाट्या बायलांचो हो एक छंद आनी सायड बिझनेस जाला. आपली भाशा सोडून अशा कांय राष्ट्रांनी थंयचे लोक भोंवडेकारांच्यो भाशा उलोवपाचो यत्न करतात. ताका लागून तांच्यो भाशा ना जावच्या मार्गाक लागल्यात तर तांच्या भाशांतलें पोरणे सगलें साहित्य कपाटांनी बंद पडून उरलां, हें हांगाच्या देश, भाशा, संस्कृताये बद्दल मोग आशिल्ल्या नागरिकांक उकत्या दोळ्यांनी पळोवचें पडटा. हेखातीर तांकां कितेंय तरी करचें अशें दिसलें तरी ते आतां कांयच करूंक शकनात अशी सगली परिस्थिती आसा.

ह्या मास्टर प्लॅनाच्या रिपोर्टांत अमेरिकेच्या भोंवडेकारांक ओडपाखातीर बरे यत्न जावंक जाय अशी एक सुचोवणी आसा. तेखातीर परदेशी मासिकां, साप्ताहिकांतल्या This Picture of the Bahamanas was shot in Goa (India) अशे तरेन गोंयचीं बायलां प्रायेर नागडीं न्हिदल्यांत अश्यो व्हडल्यो व्हडल्यो बऱ्यो रंगीत जायराती केन्नाच छापून येवंक सुरवात जाल्या. ताचे उपरांत 'इश्टागतीन वागपी गोंयचे लोक तुमचे वांगडा खंय आनी खंयच्याय वेळार तुमचे वांगडा नाचपाक, गावपाक, खावपा-पिवपाक सदांच व्हडा उमेदीन तयार आसात' अशी जायरात भायल्या देशांनी चालू आसा. अशे तरेन गोंयच्या बायलांची अब्रू वाऱ्यार सोडून बायलां बराबर मजा मारपाचो जागो म्हटल्यार गोंय असो गोंयच्या बायलां बद्दल संसारात सामको वायट प्रचार करून तांचेकडेन पळोवपाचो एक वेगळो दिस्टीकोन करून उडयला.

देशा भायल्यान येवपी भोंवडेकारांक खूश करपाखातीर खासा आयोजीत करतात त्या कार्यावळींनी अशेच पद्धतीन गोंयची संस्कृताय दाखोवचे बदला

पाश्चात्य संस्कृतायेचीं नाच गाणीं दाखोवन गोंयची पाश्चात्य संस्कृताय अशें भायल्या भोंवडेकारांच्या मनार विंबोवपाचो यत्न जाता. ह्या असल्या सगल्या तरांच्या गजालींक लागून हांगाच्या समाज आनी संस्कृतायेचें प्रदूशण निश्चीतपणान जातलें. पर्यटनाक लागून सरकाराक जरी व्हड प्रमाणांत चलन मेळ्ळें तरीय ताचें व्हडलें मोल दिवचें पडटलें.

गोंयच्या इतिहासार नदर मारली जाल्यार राजा-महाराजा ते पुर्तुगेज राजवटीमून आयज मेरेन सगल्यांनीच गोंयांकडेन एक मजा मारपाचो जागो ह्याच दिश्टीकोनांतल्यान पळयलें. गोंय हें पर्यटन केंद्र म्हूण जाहीर केले उपरान्त उगडीं-नागडीं वायलां सांगाताक हिप्पी विन दाखोवन पर्यटनाची जायरात केली. हिप्पी हे गोंयचे कोण? गोंयचे संस्कृताये वांगडा तांचो कितें संबंद? अशे तरेन ही हिप्पी आनी नागडे संस्कृतायेची जायरात करून भोंवडेकारांक ओडपाचो हो एक कुन्नाट्टो मार्ग आसा.

ह्या हॉटेलांखातीर जमनी विकल्यो म्हणटकच बरे पयशे मेळटात म्हूण पयशांचे आशेन भाटकारांनी जमनी विकून शेतकामत्यांच्या पोटार पांय दवरलो. एके वटेन सरकार 'झाडां रोयात' म्हूण सांगता जाल्यार दुसरेवटेन ह्या हॉटेलवाल्यांक जाय तशे कायदे करून दिल्ल्यान सपासप माड-झाड ते तोडून उडयत आसात. हाका लागून पर्यावरणाचो समतोल विगडूंक तर लागलाच पूण पारंपारिक धंदो करपी रेंदेरांचोय धंदो बसलो. आपल्या खाजगी फायद्या खातीर देशाचे राष्ट्रीय संपत्तीचेर एके तरेन हो दरोडोच घालपाचो यत्न आसा.

गोंय आनी गोंयच्या सैमाबद्दल आपणाक खूब हुसको आसा अशें दाखोवन भरतेचे पातळेपासून अमूक एका अंतरामेरेन ह्या बांदकामाक बंदी आसतली असोय ह्या मास्टर प्लॅनार उल्लेख आसा. तेरेखोल ते मोरजी, कायसूंव ते रेईसमागूस, मुरगांव ते मोबोर आनी बेतूल ते पोळेंमेरेन ५०० मिटरांच्या अंतरार सगल्या तरांच्या बांदकामाक बंदी आसा अशें जाहीर केलां. पूण सद्या नव्यान बांदपाक घेतल्या हॉटेलांक हो कायदो लागता काय ना ताचो कांयच उल्लेख ना. खरें म्हटल्यार लोकांच्या दोळ्यांत धूल्ल मारपाक हो उल्लेख केला हें कोणाकूय समजूं येता. शेंद्रें, काणकोण हांगा निसर्गोपचार केंद्र उबारतात ताचो पंचतारांकित हॉटेला वांगडा कितें संबंद हो प्रस्न बऱ्याबऱ्या विचारवंतांक गोंदळांत उडयता. हें निसर्गोपचार केंद्र कारवार हांगा जावपी नाविक तळापासून फक्त १५ कि. मी. अंतरार आसा. तशेंच पद्धतीचें एक हॉटेल मुरगांवां नाविक तळापासून सामकें लागच्या अंतरार आसा. फाल्यां अशा हॉटेलांचो उपेग हेरगिरी केंद्र म्हूण जावं येयना म्हूण कोण छातयेर हात दवरून सांगूं शकता? सद्या जीं पंचतारांकित हॉटेलां आसात आनी हाचे उपरांत जीं हॉटेला उबारतले तीं दर्या प्रायेर आशिल्ल्यान

ह्या हॉटेलांचो उपेग काळ्या धंद्याखातीर जातलो. ह्या काळ्या धंद्यांत व्हडल्यो किंमती वस्तीच आसतल्यो अशें न्हय तर अंमली पदार्थांगारक्या हेर वस्तींचाय आसपाव आसतलो. वेगीनच अशीं पंचतारांकित हॉटेलां उबारतले, तातूंत कांय कुविख्यात अशे स्मगलरूय आसात, हाचेवयल्यान फाल्यां ह्या तांच्या हॉटेलांनी कितें वावर चलतलें तें तशें स्पश्टच सांगपाची गरज ना.

फाटीं गोंयच्या वच्याच वाठारांनी उदकाक लागून लोकांचे खूब हाल जाले. पूण ह्या पंचतारांकित हॉटेलां खातीर मात चोवीसूय वरां खासा नळांतल्यान उदकाची सोय आसली. तशेंच टँकर्संनीय उदक थंय पावतालें. ह्या अशा हॉटेलांखातीर एका दिसाक सादारणपणान २०,००० लिटर उदक लागता. तेच भशेन ट्यूबवेल, बोरिंग मशीन वसयल्ल्यान उदकाची पातळी देंवता आनी वांयो विन आटून लोकांचे हाल जातात. एका पर्यावरणतज्ञाच्या मतान ह्या एका हॉटेलाक जितलें उदक वापरतात तेंच उदक ५-६ गांवांची गरज भागोवं शकता. फाल्यां जर आनीक अशा १९ हॉटेलांची भर पडली जाल्यार फावो त्या प्रमाणांत पावस पडून लेगीत गोंयांत उदकाखातीर लोकांचे हाल-हाल जातले.

पर्यटन हो वेवसाय म्हूण जाहीर केल्ल्यान ह्या अशा हॉटेलवाल्यांचो कितलोसोच फायदो मात वरें तरेन जालो. सगल्यांत म्हत्वाचो उद्योग आनी गोंयच्या विकासाचो कणो अशें चित्र उबें करून ह्या हॉटेल मालकांक आर्थिक विकास महामंडळावरवीं ९ कोटी रुपयांचें रीण आयज मेरेन दिलां. तातुंतले ३ कोटी रुपया सबिसडीच्या नांवार तांच्या खात्यार पडल्यात. हें अशें दिल्लें रीण फारीक जावंक तशें भोंकटीण आसा. अशें ह्या क्षेत्रांतल्याच कांय अधिकाऱ्यांचें म्हणणें आसा. सामान्य मनीस थोडेंशें रीण घेवपाक गेलो जाल्यार ताका शंवर फावटी बँकेचीं सोपणां झरोवचीं पडटात, हाका हाड आनी ताका हाड आनी इतलेंय करून तें रीण मेळतच म्हूण खंय खात्री?

पर्यटन हो गोंयच्या उद्योगांतलो म्हत्वाचो कणो म्हूण फुटासर धोल वडोवन 'लॅन्ड ॲक्विझिशन ॲक्ट' चो वापर करून कोणायच्योय जमनी घेवप ह्या हॉटेलवाल्यांक सामकें सोपें करून दिलां. ह्या कायद्याचो आदार घेवन आनी हेर कायद्यांचो आपणांक जाय तसो अर्थ लावन, जमनी वळकावपाचे यत्न चालूच आसात.

ह्या धाकटुल्याशा सोबीत सुंदर प्रदेशाक ह्या येद्या व्हडल्या पर्यटनाच्या येवजणांचो, भोंवडेकार येतले त्या सगल्यांचो भार घेवपा इतली तांक अजिवात ना. सवंद संवसारांतल्यान येवपी भोंवडेकारांक लागून आयज वशी उपाट भरून वतात. उबे रावपाक एकेक फावट जागो मेळना, हेर वाहनांचो आंकडोय वाडला

आनी तातुंतल्यान अपघाताचें प्रमाण खूब्बच वाडलां. सामान्य भोंवडेकाराक व्हडल्या हॉटेलांनी रावप शक्य नासता. धाकटीं-धाकटीं हॉटेलां, लॉजिंगां पयलींच भरिल्लीं आसतात देखून हे अशे भोंवडेकार दर्यावेळेर, वागांनी, देवळां, चर्चीनी रावतात. भोंवडेकार हे मजा करपाच्या हेतून येतात. तांकां दुसऱ्यांच्या वाठाराच्या बऱ्या वायटाचें कितें पडलां? मागीर तांचे मोग, रंग-ढंग अशा सार्वजनीक जाग्यारच उकत्यारच चलतात. थंयच ते हळशीक विन केल्ल्यान हांगाच्या सभ्य दादले-वायलां. भुरग्यांक सकल मान घालून, कान-नाक वंद करून रस्त्यांनी मान्यानी वच्चें पडटा. ह्या पर्यटनाक लागून दिसान-दीस हेर राज्यांपरस हांगाची म्हारगाय वाडत राविल्ल्यान हांगाच्या सामान्य मनशाक जगप आतां कठीण जावंक लागलां. पर्यटनाक लागून कांय मूठभर लोकांचो फायदो जालो तरीय सामान्य मनीस ताका लागून दिसानदीस चिड्डून वचत आसा. अंमली पदार्थांचें नंदनवन म्हटल्यार गोंय. वायल आनी बाटली सांगाताक मजा मारपाचो जागो म्हटल्यार गोंय. आंतरराष्ट्रीय गुन्यांवकारांक लिपून रावपाक सुरक्षीत जागो म्हटल्यार गोंय. अशें हाका लागून समीकरणच जाल्लें आसा.

कितें वायट जातलें अशी खबर कळ्ळी जाल्यार 'जाता तेन्ना पळोवया' आनी सगलें जाले उपरान्त मागीर वेजासांव करीत बसप ही गोंयकारामदें वायट प्रवृती आसा. गोंयचे स्वतंत्रताये उपरान्त गोंय हो स्वतंत्र प्रदेश म्हण उरचो काय महाराष्ट्रांत विलीन करचो ह्या ओपिनिअन पोलावेळार 'आमकां गोंय स्वतंत्र प्रदेश म्हूण जाय' असो लोकशाही मार्गान इतिहासीक कौल लोकांनी तेन्ना दिलो. पूण पर्यटनाच्या नांवांन ह्या स्वतंत्र अस्तित्वार गोंयचे संस्कृतायेर अशे तरेन धवळा धवळ करून घावो घालपाचे यत्न चल्ल्यात. पर्यटना संवंदान गोंयचे मंत्री सरकार जे तरेन उलयता आनी ह्या मास्टर प्लॅनाक, पर्यटन येवजणेक विरोध करतल्यांची जे तरेन फकाणां मारता ते तरेन ते तांच्याच धोरणाक घट्ट धरून रावतले अशें दिसता. मंत्री-सरकार हे चार दिसांचे आसतात, आयज आसल्यार फाल्यां आसत हाचो नेम ना, देखून सत्तेर आसतनाच मेळिल्ले संदेंत हात धुवन घेवप वरें असोय घडये तांच्यानी विचार केलो आसुंये. पयशां मुखार गोंय आनी गोंयकारांचें कोणाक पडलां? म्हणूनच लोकशाय पद्धतींत जर सरकाराक लोकांच्यो भावना समजनात तर वेळ पडल्यार कायदो हातांत घेवन हाचे आड गोंयकारांक एकवटान झगडचें पडटलें. ना जाल्यार पंचतारांकित होटेलां, पर्यटन आनी नागडे संस्कृतायेन हांगा एक वेगळेंच विकृत वातावरण तयार जातलें, गोंयकार अल्पसंख्याक जातले. गोंयकारांच्याच गोंयांत गोंयकार भायले जातले.

देखून गोंयची पावणी घालपाचे यत्न वंद उडोवपाक वेळारूच फावो तीं पावलां घालप गरजेचें आसा, तरच गोंय हें गोंय उरतलें.

WORLD KONKANI CENTRE
806

संस्कृतीक मळार भारताक गोंयचें देणें

दर एका राज्यांतले वेवहार, अर्थीक येणावळ, सैम, थंयची लोकजीण आनी थंयची संस्कृताय हांचेर त्या त्या राज्याची गिरेस्तकाय थारता. भारत देशांतल्या वेगवेगळ्या प्रांतांतलो सैम, धर्म, भाशा अशे विविधतायेन नटिल्लो भारत देश आनी भारताचे अस्तेंत दिकेक वशिल्लें गोंय हें एक सैमाचो उदार वरदहस्त मेळिल्लें सुपुलें राज्य.

हांगाचे वाऱ्यार धोलपी माड, रातदीस प्रायो-खडपां वांगडा खेळपी दर्याचीं ल्हारां, ल्हान-व्हड पाचवेगार दोंगर-दोंगुल्ल्यो, सवंद प्रदेशांत पावला-पावलार धांवपी न्हंयो आनी विशाळ दर्या, हांगच्या सैमांत भर घालपी सोवीत चर्चीं आनी देवळां असो गोंयचो भूगोलीक वाठार. न्हयच्या कांय तोंडांनी ल्हान व्हड बंदरां. तातुंतल्यांन व्हड प्रमाणांत आयात-निर्यात जाता. न्हंय-दर्यातलें नुस्तें धरून ताचेर कांय लोकांचे वेवहार चलतात. शेतमळ्यांनी शेतकामती शेतां पिकयतात. माडांक फावो तें वातावरण आनी किनारपट्ट्यो. हांगच्या निसर्गाचे व्हड उपकार म्हटल्यार निसर्ग ह्या सोवीत राज्यार केन्नाच कोपना. उटंगाराच्या पावसांत हांगच्यो न्हंयो उपाट भरून व्हांवतात. गिमाच्या दिसांनी रखरखीत वोत पडटा. पूण ताचो कसलोच त्रास कोणाक जायना. हांगा दोन ॠतू. पावसाच्या व्हड प्रमाणांत पावस आनी उपरान्त रखरखीत वोत पडटा. हांगाची माती, पाचवींचार झाडांपेडां, दोंगर, नितळ उदक, जण एका वाठारांतल्या निसर्गाचें पडविंब थंयचे लोकजिणेर पडून मनशांचो सभाव, चालीरिती आनी संस्कार घडयता. निसर्गीक संकश्टांक केन्नाच तोंड दिवचें ना पडिल्ल्यान हांगचे लोक मात्शे सुशेगाद आनी थंड सभावाचे, दुसऱ्याच्या उपकाराक धांवन वचपी. गोंयच्या निसर्गान गोंयकारांचेर सौंदर्य आनी कलारसिकतेचे संस्कार केले. तांच्या दोळ्यांक भडक रंग आनी कर्कश आवाज आयकल्यार तांकां तें आवडना. हांगाच्या मनशांक ही कलारसिकता दिली ती हांगाच्या निसर्गान. देखूनच हाचे पयलीं संगीत, चित्रकला जावं हेर

स्वंयचेच कलेचें शास्त्रशुध्द शिक्षण दिवपी एकय संस्था नासतना लेगीत संवसारभर नामना जोडपी कलाकार हे भुंयेन दिले. गोंयच्या निसर्गान गायकारांचेर संस्कार केले ते तांच्या दिसपट्ट्या जिवितांतल्यान दिसतात. शेताच्यो कुणग्यो रंयतात त्यो कशाकश्यो दिसूंक उपकारना हाची जतनाय शेतकार घेता. वेळांखातीर सादो गांठो उबारतना लेगीत तो त्या गांठ्याकडेन कलात्मक दिश्टीन पळयता.

इतिहासांत स्वूब पूर्विल्ल्या काळासावन गोंयचेर कितल्याशाच परकी राजवटींनी आपलो शेक चलयलो. कांय राजवटी छळपी, धर्मीक अत्याचार करपी तर कांय सुसंस्कृत आशिल्ल्यो. देशाचे उत्तरेवटेन मुस्लीम राजवटींत जशे थंयचे प्रजेर अत्याचार केले तशे गोंयांत मुस्लीम राजवटी येवन लेगीत तांणी हांगा वाटावाटी जावं धर्मीक अत्त्याचार केले नात. देखून हांगचे लोकजिणेर मुस्लीम संस्कृतायेचो व्हडलोसो परिणाम जावंक पावलो ना. पूण पोर्तुगीज राजवटीन मात धर्मीक अत्त्याचार आनी लोकजिणेंत धवळाधवळ जाली. पुर्तुगेज वेपारा निमतान आयले तरीय वेपारावांगडा तांकां हे भुंयेर सत्ता गाजोवपाक आपलो धर्म हाडूंक जाय आशिल्लो. गोंयांत क्रिस्तांव धर्माचेर, हिंदू धर्माचो, परंपरेचो, रुढींचो आनी पयलींच्या आपल्या मूळ धर्माचो प्रभाव दिस्टी पडटा. हिंदू क्रिस्तांव अशा दोन धर्मांमदें अशे लोक वांटून गेले तरीय दोनय धर्मांमदें एकचारपण, एकमेकाक समजून घेवप चलता. ह्या दोनय धर्मांमदें धर्मीक प्रश्नावेल्यान केन्त्यांवो, दंगली अशो घडणुको घडनात. पुर्तुगेज राजवटीनय हिंदू-क्रिस्तांव एकमेकांच्या आदारान रावले, आयजय रावतात. हेर राज्यांतल्यो धर्मीक दंगली-आंदोलनां पळयल्ल्या लोकांक हें एक अजाप दिसता. जी संस्कृताय वेळ-काळ, धर्मीक संकश्टां, अत्याचार आनी परिस्थिती हांचे प्रमाण वदलत रावता, ताचेर कांयच परिणाम जायना, ती अग्नीपरिक्षा दिल्ली खरी संस्कृताय. आनी हीच गोंयकारांची संस्कृताय. सारीर त्या गोंयकारांचो स्वंयचोय एक धर्म आसूं. संस्कृताय ही एका व्हांवपी झऱ्याच्या उदकाप्रमाण. एके पिळगे कडल्यान दुसरे पिळगेकडेन चलत वचपी. तशीच गोंयांत ती एके पिळगेकडल्यान दुसरे पिळगेकडेन चलत आसा आनी चलत रावतली.

गोंयचे संस्कृतायेंत लोककला ही ताचें म्हत्वाचें आंग. दिसभर आपल्या शेतां, भाटां, स्वोल दर्यांत नुस्तें मारपाक व्हडें घेवन वचपी कश्टकरी रात दिसाचें आपलें कश्ट आनी जिवितांतलीं दुख्खां विसरून मनाचें करमणुकेखातीर आपली खोशी हे लोक कलेंतल्यान सादर करतात. हे लोककलेंत तांचे भोंवतणचो संस्कार आनी दिसपट्टें जिवीत हांचो संबंद आसता. लोककलेंतलो मांड हो एक म्हत्वाचो प्रकार. मांड म्हटल्यार लोककला सादर करपाखातीर राखून दवरिल्ली जागो.

गांवांतल्या दर एका वाड्यार अशे मांड आसतात. तातूंत धाल्यांचो मांड आसता. धालो-फुगडी हें एकें खासा पद्दतीन नाचत नाचत बायलां सादर करतात. फकत बायलांचीच ताचेर पुराय सत्ता.

धाल्याक उबीं रावलीं म्हणटकच रातच्या णव वरांसावन फांतोडेमेरेन ह्या धाल्याक मामको नेट येता. धालां मांड गोंयचे संस्कृतायेची मूस.

'जागर' हे लोककलेचे दोन प्रकार गोंयांत पळोवंक मेळटात. तातुंतलो एक प्रकार हो हिंदू समाजांतल्या 'परणी' ह्या खासा जागर करपी, आदल्या संस्कृत ग्रंथांत गावड्यांचे यादींत नांव मेळटा अशी परंपरा सांगपी लोकांकडल्यान जातालो. हातूंत गोंयकारांच्यो धर्मीक भावना आसताल्यो. गांवांत दरवर्सा थारावीक दिसा तो जातालो. हातूंतलें ढोलकीचें वादन हें सामकें आकर्शक आनी तोखणाय करपासारकें. दुसरो जागराचो प्रकार हो क्रिस्तांव समाजाचो. हो आयजय चालू आसा. हातूंत म्हादळें आनी घुमटां ह्या वाद्यांचो उपेग जाता. हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजांक एकठांय हाडपी शिवोलेंचो जागर आजूनय फामाद आसा. 'देखणी' हो एक लोककला प्रकारांतलो लोकप्रिय लोकगीत प्रकार. 'हांव सायबा पलतडीं वयतां, दामूल्या लग्नाक वयतां'. हें देखणीतलेंच एक लोकगीत देशांतच न्हय तर देशाभायर लेगीत लोकप्रिय जालां. देखून सर्गेस्त राजकपूरा सारक्या नामनेच्या सिनेनिर्मात्याकय तें आपल्या सिनेमांत घेवपाचो मोह जालो. आपलो खासा पारंपारिक भेस आनी हर वस्ती आंगार घालून बायलांचो पंगड देखणीं सादर करता. संगीत आनी नाटक हांचो आस्वाद जाल्ल्या 'रणमाले' ह्या लोक कला प्रकारांतल्यान रामायणांतले सितेचे पवित्रताये वांगडा हे भुंयेवेल्या बायलांची परंपरा आनी राम ह्या म्हापुरसावांगडा दादल्यांचो सभाव दिश्टी पडटा. लोककलांचो खरो हेतू मनाक खोशी करप हो आसलो तरीय देव देवचारा वांगडा हांगाच्या सैमाक, जनावरां प्राण्यांकय तितलीच सुवात दिल्ली शिगम्या वेळार जोती म्हणटना दिसून येता.

गोंयांत मुखेलपणान हिंदू, क्रिस्तांव, मुस्लीम धर्माचे लोक आसात. प्रत्येक धर्मांत जाती आनी पोट जाती आसात. तें प्रमाण लोककलेंतय फरक जाणवतात. अशें आसलें तरी हांगच्या वातावरणाचे, सैमाचे ताचेर संस्कार जाल्ले जाणवतात. लोककलांत त्या त्या काळांच्या घडणुकांचो, सत्ता चलोवपी राजकर्त्यांचो वांटो म्हत्वाचो. गोंयचेर आक्रमणां करून सातवाहन, चालुक्य, यादव, भोज, मराठे, पुर्तुगेज हांणी कितलींशींच वर्सां राज्य केलें. पुर्तुगेजांनी धर्माच्या नांवान बऱ्याच हिंदूंक बाटोवन क्रिस्तांव केलें. मूळ हिंदू धर्मासावन ते पयसावले तरी आपणाली अस्मिताय आनी मूळ संस्कृताय तांणी बरे तरेन तिगोवन दवरली. मांडो, धुलपदां

हांचेर तांचे मूळ संस्कृतायेची पडिल्ली छाप दिसता. पुर्तुगेज राजवटींनी गोंयची मुळावी लोककला चिडून उडयली आनी आपली संस्कृताय हांगा फुलोवपाचो तांणी यत्न केलो. हांगचो सैम आनी मातये वांगडा संवंद सांगपी फुलांनी नटोवन-थटोवन तयार केल्ल्या सांगडांचेर पांरपारिक लोकगितां म्हणत न्हंयेंत आनी चिखलांत मजा करपी 'सांजांव' हो आनीक एक लोककला प्रकार. ते भायर धनगरांचो चपयखेळ, घोडेमोडणी, पेरणी, गावडा जागर, कालो अशा कितल्याशाच लोककला प्रकारांचो हातूंत आसपाव आसा.

तालगडी, गोफ, तोणयां मेळ, घोडेमोडणी अशे जायते लोकनाचांचेय प्रकार लोककलेंत आसपावतात. हातूंत धोल, तासो, सनय ह्या वाद्यांची गरज आसता. धोल, ताश्यांच्या ठेक्यार ह्या नाचांच्यो हालचाली आसतात.

गोंयच्या लोकनाट्यांक शेंकड्यांनी वर्सांची परंपरा आसा. आयचो तियात्र सामान्य क्रिस्तांव लोकांमदें बरोच लोकप्रिय आसा. ह्या तियात्रांनी प्रांसगीक आनी रोखड्या-रोखडीं गितां(कातरां) आसतात. सादें सरळ कथानक, समाजांतल्यो बऱ्यो-वायट घडणुको तियात्रांनी आसतात. ह्या तियात्रांनी कितल्याशाच लोकांची सांस्कृतिक भूक भागयल्या.

लोककले प्रमाण लोककथेचीय गोंयांक खासा परंपरा आसा. चड करून नेणट्या भुरग्यांक काणयांच्या रुपान ह्यो लोक काणयो सांगतात. ताका लागून एके पिळगेकडल्यान दुसरे पिळगेकडेन ही लोककाणयांची परंपरा चलत उरल्या. लोकवेदा वांगडा आर्विल्ल्या साहित्याची निर्मणी घडटा आनी हें साहित्य भारतीय साहित्यांत भर घालता.

दिसपट्ट्या जिविताक लागपी तोवल्यो, माळट्यो, रेंदरां खातीर सूर काडपाक लागपी जामणे आनी मातयेच्यो हेर वस्तू करप ही कला कुंभार समाजान आपलो वेवसाय सांबाळटना तिगोवन धरल्या.

मातयेचीं चित्रां-गणपती करपी, पाशी फातराचेर चित्रां कोरपी, नक्षीकाम करपी, फाकिवंत कलाकार हे भुंयेन दिल्यात. देवळां, चर्चीं हातुंतल्यान ही कला आयज दिस्टी पडटा.

संगीत हें खंयचेय संस्कृतायेचो म्हत्वाचो घटक. गोंयकारांची धर्मीक आनी उत्सवप्रिय वृत्ती, कितलेशेंच सण-उत्सव संगिताक फावो अशा देवस्थानांच्या वातावरणांत गोंयांत वाडले आनी भारतांत संगिताचो चड गुणधर्म आशिल्ल्या मनशांच्या प्रदेशांत गोंयचो आसपाव जालो. गोंयच्या संगीताविशीं विचार करतना दोन प्रकार सांपडटात. तातुंतलो एक भारतीय शास्त्रीय संगीत. दुसरें खासा

गोंयकार विद्वान कलाकारांनी रचिल्लें प्रादेशिक संगीत. हें संगीत ह्या प्रदेशा वांगडचें नातें सांगून वयता. गोंयच्या ह्या प्रादेशिक संगिताचें खाशेलपण म्हटल्यार गोंय सोडून हें संगीत आनीक खंयच दिस्टी पडना. ह्या प्रादेशिक संगितांतलें कासाळें, मृदंग, घुमटां ही खासा गोंयचीं लोकवाद्यां. घुमट हें मातयेचें, ताचेर गाराचें चामडें चडोवन केल्लें एक वेगळें लोकवाद्य. गोंयकार संगीत विद्वानांनी शास्त्राच्या आदारान लय, ताल हांचो सांगड घालून ताची घडी वसयली. ल्हवल्हव घुमटावाद्यार धर्मीक भावना आयल्यो आनी हिंदू-क्रिस्तांव धर्मांमदें हें घुमट म्हत्वाचें वाद्य थारलें.

हिंदूंच्या धर्मीक कार्यांनी आनी लग्नाखातीर दर एका गांवांत पंचवाद्यांचे मेळ आसतात. सूर्त, शेनाय, धोल, तासो, कासाळें पांच वाद्यां तेखातीर लागतात. पंचवाद्यांचे अशे पंगड देवळांत नबत आनी हेर कांय खासा सुवाळ्यांखातीर वाजयतात.

सवाई-पदां, दस्तकां, चंद्रावळ, त्या शिवाय पालखेफुडलें पेणें हो एक संगीतांतलो खासा प्रकार. वाजयत, नाचयत, गायत देवाची सेवा करपाचो हो संगीत प्रकार.

भारतीय संगीतमळावेल्या नामनेच्या कलाकारांचेर नदर भोंवडायतना तातूंत गोंयचे कितलेशेच कलाकार दिस्टी पडटले. ते खातीर आमकां इतिहासावेल्यान नदर मारची पडटली. १७७२ त श्रीमती मोहना पालकर (दिवचल-अडवलपाल) हीं त्यावेळचीं नामनेचीं गावपी श्रीमंत पेशव्यांच्या दरवारांत गायिका आशिल्लीं. १८०० त श्रीमती कृष्णा झुलपी हीं प्रसिध्द गायिका जावन गेलीं. ह्याच वेळार पेडणें म्हालांतले श्री. मुरारबा पेडणेकर हांणी सतार, घुमार, मृदंग वाजोवपांत आनी गावपांत नामना जोडिल्ली. तांणी 'सुरवहार' नांवाचें खास वाद्य तयार केल्लें. त्या शिवाय संगीतांतलें म्हत्वाचें नोटेशन काडून सवंद भारतीय संगीत मळाक आपलो हातभार लायल्लो श्री. दामोदर मालपेंकार, मालपें-पेडणें होय नामनेचो गावपी ह्याच काळांत संगीत मळार आपलें नांव गाजोवंक लागलो. श्रीमती अंजनीवाय मालपेंकार हीं तर सामकीं प्रसिध्द गायिका. नामनेच्या गावप्यांक तिचें वरेंच मार्गदर्शन जालें. श्रीमती दुर्गावाई उपरांतचीं श्रीमती जोत्स्ना भोळे, श्रीमती अंजनीवाई लोलयेंकार हांणीय भारतीय संगीत मळार नामना जोडली. श्रीमती तारावाय शिरोडकर हांणी गायन आनी नाच हातूंत नामना जोडली. सर्गेस्त राजाराम मांद्रेंकार हांणी तवलो, गायन आनी नाच हांची सेवा करून विद्यादानाचें पवित्र काम करून गोंयांक आनी देशाक अशे कितलेशेच कलाकार तयार करून दिले. तांची घरकान्न श्रीमती शुभलक्ष्मी मांद्रेंकार हांणी कथ्यक नाच शिकोवन विद्यादानाचें काम केलें. श्रीमती मोगूवाई कुर्डीकार, सर्गेस्त मास्टर दिनानाथ

मंगेशकार, सर्गेस्त मनोहर शिरगांवकार सारके गायक, सिनेमा संगीत सृश्टीक सर्गेस्त एन्. दत्ता हांचे सारको संगीतकार हे गोंयानच दिले. हीच परंपरा पंडित जितेंद्र अभिशेकी, प्रभाकर कारेकार हांणी वरें तरेन चलयली. सवंद संवसाराक आपल्या आवाजान पिशें लावन विंगड-विंगड भाशांनी गितां, अभंग गावन एक वेगळोच रेकॉर्ड तयार केल्ली श्रीमती लता मंगेशकर ही गोंयकार. तांचे विशीं कितें सांगपाचें? श्रीमती किशोरी आमोणकार हांच्याय वावराची तशी म्हायती सांगपाची गरज ना. संगीत हो संस्कृतायेचो म्हत्वाचो घटक. संगीत क्षेत्रांत गोंयान ह्या देशाक जें कितें दिलां ताचें मोल करपाक जावचें ना!

सुपुल्ल्या ह्या गोंयान जाची तुळाच करूंक जायना इतलें संस्कृतीक दायज भारत देशाक भेटोवन भारत देशाची शान आनी मान सवंद संवसारांत उंचायला.

'कसता ताची जमीन' कायद्याचे परिणाम

आमचो भारत देश हो कृषिप्रधान देश. हाका गोंय लेगीत आडवाद ना. आदल्या काळावेल्यान नदर भोंवडायली जाल्यार राजा तशेंच पुर्तुगेजांचे राजवटींत ९० टक्के लोकांचें जिवीत हें शेतार आदारून आशिल्लें. पुर्तुगेजांचें लक्ष केन्नाच शेताकडेन वचूंक ना. हाका लागून भाटकारशाय तशेंच अवितकायेंत रावली. पुर्तुगेजांनी केल्ल्या धर्मीक अत्याचारांआड जावं गोंयचे स्वतंत्रताये खातीर केल्ल्या संघर्शांचो गोंयांक इतिहास आसा. पूण देशांतल्या हेर वाठारां प्रमाण कृषीक्षेत्रांतल्या संघर्शांचो गोंयांक इतिहास ना. भाटकारशाय हुमटून वडोवन ती ना करपाचो आवाज भरेन केन्ना येल्लच जावंक ना. हाका लागून ही भाटकारशाय गोंयांत घट पाळांमुळां धरून उबी रावली. सादारणपणान धरालागर्चो जावं गांवची जमीन कोणायचेंय मालकीची आसूं येना. पूण एकाच मनशाचें मालकेचो अख्खो गांवचो गांव, सबंद तालुको कसो आसूं येता? आमचे जाणटेले पुर्वज हे कांय शिकनाशिल्ले, अडाणी अशिक्षीत आशिल्ले आनी हाचो फायदो समाजांतल्या एका विशिश्ट बुद्धीवादी अशा शिकिल्ल्या कांय लोकांनी घेतलो. ह्या लोकांक पूत वा धुवेच्या लग्नाक जावं हेर कारणांक रिणां दिवन त्या रिणांनीच तांकां गुरफटावन उडयले, जावं आपल्या सोबीत घरा बंगल्यांनी व्हरून च्या पाणी, सोरो दिलो आनी खोशी करून तांचे कडल्यान आंगठो वीन लावन घेतलो आनी शेतां भाटां आपल्या नांवार केलीं. पुर्तुगेज सत्तेक धांवडावन लावपाक सुरू जाल्ले मुक्ती लडायेंत गोंयांतल्या सामान्य मनशान लेगीत वांटो घेतिल्लो. एक परकी सत्तेक धांवडावन लायले उपरान्त हांगा लोकशाय येतली, लोकांच्या मताप्रमाण सरकार चलतलें, आपूण रातदीस शेतां कुणग्यांनी वावुरतां आनी फुकट सवाय ज्या भाटकाराक खंड घालचो पडटा हे एकतरेच्या वेठीवगारींतल्यान आपली सुटका जातली, आपूण कसता त्या शेतां जमनींचो आपूणच धनी जातलों आनी सुखान जियेतलों अशें सर्वसामान्य मनशाचें सपन आशिल्लें. भारताक स्वतंत्रताय मेळे उपरांत आमच्या

शेजारच्या महाराष्ट्र राज्यांत जमनींत कसतलो शेतकामती जमनीचो मालक जालो. कायद्याचे तरतुदीप्रमाण कुळां जमनीचीं मालक जालीं. कुळांक थंय उण्यात उण्या मोलान जमीन विकपाची सक्ती जाली. ह्या कायद्याप्रमाण फकत आपल्या फायद्याखातीर दुसऱ्या कोणाकच अशी कुळाची जमीन भाटकाराक विकपाक मेळची ना आनी म्हत्वाची गजाल म्हटल्यार एका कुटुंबाक एक थराविक मर्यादित जमीन आपणाकडेन दवरपाक मेळटा असो सामान्य शेतकामत्यांक न्याय दिवपी लोक हिताचो कायदो महाराष्ट्रान हाडलो. भारताक स्वतंत्रताय मेळ्ळे उपरांत उसरां गोंयांक स्वतंत्रताय मेळ्ळी. नाजाल्यार एकवेळ तेन्नाच हा गोंयांतय कायदो जावं येतालो. गोंय स्वतंत्र जाले उपरांत गोंय तशेंच उरचें काय महाराष्ट्रांत विलीन करचें ह्या प्रस्नावेल्यान वाद सुरू जालो. गोंय स्वतंत्र दवरप हें गोंयचे दिश्टीन खऱ्यांनीच फायद्याचें आशिल्लें हातूंत दुबाव ना. गोंय स्वतंत्र उरचें म्हण भौसंख्य गोंयकारां फाटल्यान तेन्ना सगल्या भाटकारांनी आपली ताकद उबी केली. हाचे फाटल्यान गोंय स्वतंत्र उरचें हे तळमळी परस गोंय महाराष्ट्रांत घातलें जाल्यार 'कसताताची जमीन' आनी 'कमाल जमीन धारणा' कायद्यान आपलीं भाटां-जमनी वतल्यो हो भंय आनी सुवार्थ आशिल्लो.

'कसताताची जमीन' हो कायदो १९७८ वर्सा आदल्या म.गो सरकारान १९६४ च्या शेतकूळ कायद्यांत दुरुस्ती करून हाडिल्लो. श्रीमती लक्ष्मीबाई नारायण पाटील आनी गोंयांतल्या हेर भाटकारांनी एकठांय येवन ह्या कायद्याक आव्हान दिलें आनी हो कायदो अयोग्य थारावपी निकाल न्याय आयुक्तांनी दिलो. हाका लागून हो कायदो धोक्यांत आयिल्लो. ह्याच वेळार सरकारान ह्या आव्हान निर्णयाक स्थगिती हाडिल्ली. ह्या काळांत म.गो.चें सरकार कोंसळ्ळें आनी सत्तेर आयिल्ल्या कॉंग्रेस सरकारान ह्या कायद्याखातीर प्रामाणिक अशे तळमळीन कांयच केलें ना. १९८४ त भारताच्या राष्ट्रपतींनी 'कसताताची जमीन' कायदो णव्वे वळेरेंत घातलो. राष्ट्रपतींच्या अशा आदेशाक आव्हान दिवपाक जायना. देखून ह्याच वेळार हो कायदो जाल्ल्याचें स्पश्ट जालें. हे फाटभुंयेर २७ जुलय १९९० त खंडपीठाचे न्यायाधीश जस्टीस ललीत मोहन शर्मा आनी थोमन हांणी शेतांत रातदीस कश्ट करून जियेतल्या कुळांक ते रावतल्या शेतांचे धनी करून गोंयांतल्या शेतकामत्यांच्या दिस्टीन इतिहासीक असो निर्णय दिलो. ह्या कायद्यान व्हड प्रमाणांत चलतले सरंजामशायेचो शेवट जालो.

म.गो. पक्षाच्या हेर ध्येयधोरणांविशीं कोणायचे कसलेय मतभेद आसूं येतात. पूण गोंयांत जमीन सुदारणा कायदो घडोवन हाडपाक समाजीक दिकेन चालना दिवपाचें श्रेय हें म.गो. पक्षाक दिवचेंच पडटलें. गोंय उसरां मुक्त जालें

तरीय जमनीचो सर्वे सुरू आशिल्लो. हीं कामां पुराय जातलीं आनी उपरान्त हो कायदो आमी हाडपाखातीर वावुरतले असो वेळ काडपी विचार करी नासतना आदल्या म.गो. सरकारान कूळ-मुंडकार हांकां संरक्षण दिवन तांकां समाजांतले म्हत्वाचे घटक करपाचे दिस्टीन हो वावर केलो अशें म्हणपाक जाय. कायद्याच्यो गजाली वेगोवेग चालीक लावप शक्य नासता. जेन्ना हो कायदो सुप्रीम कोर्टांत आशिल्लो तेन्ना 'कमाल जमीन धारणा' कायदो अस्तित्वांत हाडपा खातीर तेन्ना म.गो. पक्षान कांयच यत्न केलो ना. म.गो. ची राजवट कोसळ्ळी. उपरांत सत्तेर आयिल्ल्या कॉंग्रेस सरकारान तशी 'कसताताची जमीन' ह्या कायद्या खातीर व्हडली अशी कांयच हालचाल केली ना. तशेंच 'कमाल जमीन धारणा' कायदो हाडपाचे दिस्टीन काँग्रेस सरकारान गोंयांत कांय केलें ना आनी जाणकारांच्या मतान हाकाच लागून १४ वर्सां 'कसता ताची जमीन' हो कायदो पडून उरलो. गोंयांत कांय कुळां हीं विगंड-विंगड भाटकारांचीं कुळां म्हूण आसून लेगीत तांचेकडेन व्हड प्रमाणांत जमीन आसा. हाका लागून 'कसता ताची जमीन' ह्या कायद्याच्या मूळ उद्देशाकच फांटो फुटिल्लेवरी जाता. कांय भाटकारांकडेन अशो व्हड प्रमाणांत जमनी आसात. सगल्या शेतकामत्यांक आनी जमीन नाशिल्ल्यांक ह्या कायद्याचो चडांतचड फायदो मेळोवन दितलो जाल्यार 'कमाल जमीन धारणा' कायदो बेगीन अस्तित्वांत हाडपाची गरज आसा. फाटली म.गो. आनी उपरांत काँग्रेसची राजवट सत्तेर येवन लेगीत हो 'कमाल जमीन धारणा' कायदो अस्तित्वांत हाडूंक शकलीं नात. हो कायदो गोंयांत हाडपाक हाचे फुडलीं सरकारां कितलीं वर्सां घेतलीं असो प्रस्न पडटा.

'कसतल्याची जमीन' कायद्यार सुप्रीम कोर्टान म्होर मारिल्ल्यान सुमार एक लाख वीस हजार कुळांक आतां ह्या कायद्याचो फायदो जातलो. गोंयचे भुंयेर शेतांत कश्ट करून जियेतल्या शेतकामत्यांक तांच्या शेतांचे कायद्यान खरे धनी करून एक म्हत्वाचो निर्णय दिलोच; हाचे वांगडाच गोंयांतल्या सरंजामशायेचो शेवट ह्या निर्णयान जावपाक मदत जातली. भाटकार आनी कूळ अशे मनशांमनशांमदले भेद ना करून सगल्यांक समान वागणूक ह्या कायद्यान आतां मेळटली.

'कसता ताची जमीन' कायद्याचेर सुप्रीम कोर्टान म्होर मारले उपरांत सरकारान जाहीर केलें की, जे खरेपणी कुळां आसून लेगीत जर कसल्याय चुकांक लागून ते कूळ म्हूण लागूंक नात तर तांणी ही चूक सुदारून कूळ म्हूण लावन घेवचें. पूण कांय जाणकारांच्या मतान अशें घडूंक शकना. हाचें उदाहरण म्हळ्यार म्हापशां मामलेदार/जोड मामलेदाराक चुकून कूळ म्हूण लागूंक नाशिल्ल्या एका

शेतकामत्याक कायद्याचो सारको आदार घेवन त्या शेतकामत्याक कायद्यावरवीं संरक्षण दिवप शक्य नाशिल्ल्यान त्या शेतकामत्याच्या आड निकाल दिवचो पडलो. देखून ह्या कायद्याचो लाव हांगच्या गरीब सामान्य आनी अशिक्षीत शेतकामत्याक मेळोवन दिवपाक ह्या कायद्यांत फावो त्यो सुदारणा घडोवन हाडपाक सरकारान यत्न करपाक जाय. ना जाल्यार कायद्यांतल्या पळवाटांचो उपेग करून कुळांक नाडपाचो कांय भाटकारांकडल्यान यत्न जावपाची शक्यताय न्हयकारपाक येयना.

ह्या कायद्यान जरीय शेतां-जमनी कुळांचे मालकीच्यो जाल्यो तरीय कुळांक जमनी फुकट पडच्यो नात. त्या जमिनींचें मोल हें कुळांक फारीक करचेंच पडटलें. कुळांक हें मोल एके फावटीन फारीक करप शक्य जावचें ना. ताचे खातीर कितेंय तरी खासा अशी येवजण तयार करपाक जाय की जे वरवीं गरीब-सामान्य कुळांक हें मोल फारीक करतना कसले त्रास पडचे नात.

कूळ ही सरंजामशाही संस्था ना करून गांवगिऱ्या वाठारांतल्यान शाराकडेन येवपी लोकांचे लोंढे थारावन धरप आनी शेतांचें उत्पन्न वाडोवप होय ह्या कुळकायद्या फाटलो एक म्हत्वाचो उद्देश आसा. फाटलीं बारा-तेरा वर्सां सावन कूळकायद्याची पांचवी दुरुस्ती सुप्रीम कोर्टांत पडून आशिल्ली. सुप्रीम कोर्टांत खंड वसुलीक स्थगिती दिल्ल्यान कुळां ही जमनीची मालक जाल्ली. पूण ह्या काळांत शेतांचें उत्पन्न वाडूंक शकलें ना. गोंयांतलीं शेतां हीं आयज खर्चाक लागून परवडनात अशें सामान्य शेतकामत्यांचें मत आसा आनी खुद्द सरकार लेगीत हें मान्य करता. सुप्रीम कोर्टांत खंड वसुलेक जरी स्थगिती दिल्ली तरीय सामान्य शेतकामत्यांक आपूण रावनल्या शेताचो मालक जातलों हें तशें पटय नाशिल्लें. भाटकार लोक आपल्या दुडवांच्या नेटार कायदो आपले वटेन वोडटले अशी भोंसख्य सामान्य शेतकामत्यांक भिरांत दिसताली. हेंय उत्पन्न ना वाडपा फाटलें एक म्हत्वाचें कारण आशिल्लें. अशें आसलें तरीय तरणाटी पिळगी शेतांत वावुरपाक अनमनता. शेतांत काम करपा परस एकादया ऑफिसांत कारकुनी जावं प्युनाची लेगीत नोकरी ताका बरी दिसता. माड, कुळागर आनी काजू सोडले जाल्यार हेर पिकां गोंयांक परवडनात. ताका लागून गोंयांत शेतां पडींग पडपाक लागल्यांत. खाजन शेतांनी लागींच्या न्हंयांचें खारें उदक घेवन नुस्तें मारपाचें प्रमाण वाडत आसा. जशें एकदां खारें उदक शेतांनी हाडलें म्हणटकच उपरान्त हीं शेतां कायमचीं निरुपयोगी थारतात. गोंयांतले तरणाटे शेतांत वावुरपाक अनमनतात, हाचें एक कारण म्हटल्यार बैलांचीं जोतां, खोरें, कुदळ घेवन कश्ट करपाक तांकां वेजार येता. गोंयांतलीं शेतां हीं कुडक्या पद्धतीन सगळेकडेन विभागून गेल्लीं

आसात. ताका लागून तांत्रिक पध्दतीन शेतां करप हांगच्या शेतकामत्यांक शक्य जायना. शेतकामत्यांनी हीं शेतां आपणां भितर समजिकायेन एकठांयच वांटून घेतल्यार शेतकामत्यांक शेतां तांत्रिक पध्दतीन करपाक शक्य जातलें. अशें तांत्रिक पध्दतीन शेतां केल्यार शेतकामत्यांचे कश्टय उणे जातलें.

सद्या गोंयांत जायतेकडेन कूळ मदें पोटभागेली करून दुसऱ्या कोणाकय खंड दिवपाचे कवलातीचेर शेतां कसपाक दितात. हाका लागून कुळकायद्यान धनी जावन लेगीत ह्या कायद्याक खरेपणी कांयच अर्थ उरना. सद्या शेतकामत्यांखातीर जायत्यो येवजणो आसात. पूण ह्या येवजणांचो चड गिरेस्त शेतकामत्यांकच लाव जाता आनी शेतकामत्यां खातीर आशिल्ले हे कायदे कागदारच उरतात. गोंयांत शेतांचें उत्पन्न वाडोवपाक उर्बा दितलो जाल्यार ल्हान-ल्हान शेतकामत्यांखातीर वेगळ्यो येवजणो आंखूंक जाय. शेतकामांत आवड निर्माण करपाक तरणाट्यांखातीर येवजणांची आंखणी करपाक जाय. शेतकामती ज्या शेतांत कश्ट करतात तांच्या म्हेनतींचे दुप्पटीन तरी ताचो तांकां लाव जावपाक जाय. तरच शेतकामती-तरणाटी पिळगी शेतांत वावुरपाक खोशयेन येतली.

गोंय हें धाकट्या व्हडल्या दोंगरांचो प्रदेश. काजूच्या झाडाक हांगा फावो तें वातावरण आसा. काजू बियांच्या गराक भायल्या देसांनी खूब्ब मागणी आसा. काजूपासून काडटात तें हुर्राक आनी फेणी देशांत आनी देशाभायर लोकप्रिय आसा आनी ताका वरी मागणी आसा. काजूच्या ह्या उत्पन्नाक लागून गोंयांक विदेशी चलनय मेळटा. काजूच्या झाडाप्रमाणच कुळागरां आनी माडा खातीर हांगचें वातावरण फावो तशें आसा. कूळ कायदो कोर्टांत आसतना ह्या कायद्या संबंदान हांगचो शेतकामती दुबावीत आशिल्लो; तशेंच ह्या शेतकामत्यांनी अशा झाडांचे ते कसतले जमनींत उत्पन केलें जाल्यार हें शेतकामत्यांनी तयार केल्लें उत्पन्न भाटकार व्हरतलो, आपूण वावरून भाटकार हें उत्पन्न व्हरता जाल्यार तें उत्पन्न तरी कित्याक करात असो शेतकामती विचार करतालो. हाका लागून ह्या अशा उत्पन्नांत वाड जावंक शकली ना हेंय एक कारण आसा. पूण आतां ह्या कुळकायद्यावरवीं शेतावांगडाच काजू आनी माडाच्या वागांचो लाव जातलो. तांचे कडल्यान आतां व्हड उत्पन्नाची आस्त वाळगूंक येता.

कूळ कायद्यावरवीं जमनींत कसतले शेतकामती तांच्या जमनींचे धनी जाले. पूण हाचे वांगडाच देवळां, चर्चो आनी अशेच तरेच्यो धर्मीक संस्था हांच्यो शेतजमनी कुळांच्या मालकीच्यो जाल्ल्यान तांचें उत्पादनाचें साधनच आतां ना जालां. हाचेखातीर अशा संस्थांचे वेवहार चलपाखातीर ताचेरय कितेंतरी उपाय येवजुपाची गरज आसा.

कूळ कायदो हाडपाखातीर आदल्या म.गो. सरकारान म्हत्वाचो वावर केला. पूण ही पांचवी दुरुस्ती विधानसभेंत हाडचे पयलीं सरकारांतल्या आनी म.गो. तल्या जायत्या जाणांनी आपूण आनी आपणाले मर्जीतल्या लोकांक ह्या कायद्याचो मार लागचो ना हाची फावो ती खबरदारी घेतल्या अशें लोक स्पश्ट उलयतात. कुळकायद्याची ही पांचवी दुरुस्ती क्रांतीकारक जावन आसा हातूंत दुबाव नाच्च. पूण ह्या कायद्याचो लाब खऱ्यांनीच कुळांक करून दितलो जाल्यार अशे आपले वैयक्तीक सुवार्थ दवरून आपल्या फायद्याक कायदो जाय तसो घुंवडायल्यार ह्या कायद्याक मागीर कांयच म्हत्व रावचें ना. देखून ह्या कायद्याची कार्यवाही फावो ते रितीन जावपाक जाय तरच ह्या कायद्याचें जैत थारतलें.

हिंदु - क्रिस्तांव एकवट गोंयांत कसो वाडटलो ?

१५१०त वेपाराच्या निमतान पुर्तुगेजांनी गोंयांत पांय दवरलें. उपरान्त एका हातांत तलवार घेवन तांणी गोंयांर सत्ता मेळयली आनी दुसऱ्या हातांत खुरीस घेवन ख्रिस्ती धर्माचो प्रचार तांणी सुरू केलो. पुर्तुगेजांनी गोंयांत पांय दवरचे पयलीं गोंयांत हिंदूच भोंसंख्येन आशिल्ले. पुर्तुगेजांक आपणाल्या धर्माचो प्रचार आनी प्रसार करपाची तळमळ ही आशिल्लीच. पूण अशे तरेन धर्मांतरां घडोवन हाडलीं म्हणटकच गोंयच्या लोकांचो स्वाभिमान, संस्कृताय हें सगलें चिड्डोवन वडोवप शक्य जातलें आनी आपणाले सत्तेक कोणाचीच भिरांत उरची ना हो ताचे फाटलो पुर्तुगेजांचो खरो उद्देश आशिल्लो. त्या काळार चडशे लोक अशिक्षीत, पोरण्या विचारसरणीचे धर्मांध आनी अंध श्रद्धाळू आशिल्ले. हाचो फायदो पुर्तुगेजांनी घेतलो. जायते कडेन तांणी कोणाच्या वांयंत शीत, कोणाच्या पाव, कोणाच्या घरांर दुकराचें मांस उडयलें. वांयत जावं घरांर अशो कसल्योय वस्ती उडयले म्हणटकच त्या घरांतले लोक वाटले! ते आतां हिंदू उरूंक नात! ते क्रिस्तांव जाले! असो पाखले प्रचार करताले आनी ह्या प्रचाराक लोकय वळी पडटाले. कांयकडेन आर्मांची भिरांत दाखोवन आनी मारपेट करून धर्मांतरां घडोवन लोकांक क्रिस्तांव केले. अशे तरेन सत्तीन वाटयल्ल्या लोकांक म्हळयार आपणांल्या नात्यागोत्यांतल्या भावां - भयणींक लेगीत घरांतल्या लोकांनी आनी समाजान ते आता आमच्यांतले न्हय असो दिश्टीकोन दवरून तांचे वरोवरचे संबंद तोडून उडयले, तांकां समजून घेतलें ना.

आपणाल्या सुवार्थाखातीर पुर्तुगेजांनी अशीं धर्मांतरा घडोवन हाडून तांकां ख्रिस्ती नांवां आनी आडनांवां दिलीं. मूळ धर्मापासून तोडपाखातीर, तांकां आपणाल्या ख्रिस्ती धर्माची संस्कृताय आपणावपा खातीर धर्मांची, देवकृत्यांची

शिकवण दिवपाचें काम धर्मगुरुंकडेन सोपयलें. सगले सरकारी वेवहार, राज्यकारभार पुर्तुगेज भाशेंतल्यान सुरू केले. पुर्तुगेज भाशेंतल्यान शिक्षण घेतल्या विद्यार्थ्यां खातीर शिक्षणीक सोयी दिल्यो. पुर्तुगेज शिकल्ल्यांक सरकारी ऑफिसांनी विन नोकऱ्यो दिवन आमिशां दाखयलीं. स्वाभिमान आनी मूळ संस्कृतायेपासून गोंयकारांक पयस व्हरपांत कांय प्रमाणांत पुर्तुगेजांक जैतय मेळ्ळें आनी गोंयांत धर्माच्या आदारार क्रिस्तांव आनी हिंदू अशी विभागणी जाली.

पुर्तुगेजांनी लोकांमदें जरी धर्माच्या आदारान विभागणी करपाचो यत्न केलो तरीय पिळग्यान पिळग्यो हांगचे संस्कार जाल्ल्या गोंयकारांच्या मूळ संस्कृताये पासून तोडप मात पुर्तुगेजांक शक्य जालें ना. धर्मांतर करतना दिल्ली क्रिस्तांवांचीं नांवां, आडनांवां हीं ख्रिस्ती आसलीं तरीय गोंयांत कितल्याशाच क्रिस्तांव भावांच्या घराण्यांक तांच्या मूळ आडनांवांवेल्यानच वळखतात वो पाचारतात. देखीक, जुवेंकार, मेरशेंकार, आमेरकार, मांद्रेंकार, वेंगुर्लेकार.

पुर्तुगेजांनी वाटयले म्हण तांचे वांगडचे नात्या-गोत्यांत चलतले संवंद तोडून तेन्ना हिंदूंनी ह्या लोकांचेर व्हडलो अन्याय केलो. कारण, हीं धर्मांतरां तांणी आपखोशयेन करूंक नाशिल्लीं. तीं सक्तीन इत्सेआड जाल्लीं. हिंदू समाजान तांकां समजून घेवपाचीय संद दिली ना. खरी संस्कृताय ही व्हांवत रावतल्या झरीं सारकी आसता. ताचेर कितलींय संकश्टां आयलीं तरीय ती नश्ट जायना. तशी गोंयची संस्कृताय. पुर्तुगेजांनी हांगाच्या थोड्या लोकांचेर धर्मीक अत्याचार केले. पूण मूळ संस्कृताय मुळापासून ना करप पुर्तुगेजांक शक्य जालें ना. मूळ हिंदू आशिल्ले क्रिस्तांव भाव हिंदू धर्मापासून जरी पयसावले तरीय आयज मेरेन गोंयांत बरेचकडेन तांच्या लग्न कार्यांत पयलींच्या मूळ हिंदू धर्मांतल्या आपणाल्या मूळ देवाचो मान सन्मान आनी हेर कांय धर्मीक विधी पयलीं प्रमाण आयज मेरेन पाळटात. कांय थरावीक क्रिस्तांव समाजान जरी पाश्चिमात्त्य संस्कृताय आपणायली तरी हेर भौसंख्य क्रिस्तांव समाजाच्या चालीरितींचेर मूळ संस्कृतायेचोच प्रभाव आसा, हें स्पश्टपणान जाणवता.

त्यावेळार गोंयांत पुर्तुगेजांची राजवट तर देशांत हेरकडेन ब्रिटीशांची राजवट आशिल्ली. सबंद देशभर परकी ब्रिटीशांच्या हुकूमशाही राजवटींतल्यान स्वतंत्र जावपाक आंदोलनां चलतालीं, तशीं तीं गोंयांतय पुर्तुगेज राजवटी आड चलतालीं. गोंयांतले स्वतंत्रतायेचे लडायेंत जे प्रमाण हिंदू सुटके झुजाऱ्यांनी वांटो घेतलो, तसो पुर्तुगेजांक धांवडावन लावपा खातीर टी.बी. कुंज्य, इवाग्रियु जॉर्ज, मार्क फेर्नांदीश हांचे सारक्या जायत्या क्रिस्तांव समाजांतल्या स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांनी गोंयच्या स्वातंत्र्य झुजांत वांटो घेतलो.

गोंय स्वतंत्र जालें आनी महाराष्ट्रांतल्या कांय फुडाऱ्यांनी, विचारवंतांनी आनी साहित्यिकांनी गोंयचेर आपणालो म्हळयार महाराष्ट्राचो हक्क सांगपाक सुरवात केली. गोंयांतल्या मिनारवणींर, वास्को बंदर आनी गोंयचे गिरेस्तकायेचेर तांचो सुवार्थी दोळो आशिल्लो. महाराष्ट्रांतल्या अशा लोकांनी गोंयच्या कांय अविचारी, महाराष्ट्र धार्जिण्यांक हाताकडेन धरून 'गोवा महाराष्ट्रांत गेलाच पाहिजे' हो वाद तांची विचारीक दिशाभूल करून गोंयांत सोडून दिलो. गोंयच्या अर्थीक आनी समाजीक दिस्टीकोनांतल्यान आनी गोंयकारांच्या हितसंबदांची राखण करपाक गोंय स्वतंत्र आसप गरजेचें आशिल्लें. पूण भावनेच्या भरांत गोंयांतले कांय हिंदू लोक ह्या प्रचाराक बळी पडले आनी गोंय महाराष्ट्रांत घालचें काय आसा तशेंच स्वतंत्र दवरचें हाचेर व्हडलो वाद सुरू जालो. ह्या प्रस्नार उपाय काडपाक 'ओपीनियन पोल' घेवपाचें थारलें. जांकां गोंयचीअस्मिताय सांवाळपाची आशिल्ली आनी गोंयकारांच्या फुडाराची जांका चिंता आशिल्ली तांणी गोंय स्वतंत्र कित्याक उरपाक जाय हाचें म्हत्व पटोवन दितनाच गोंय महाराष्ट्रांत घाल्यार कशें लुकसाण जावं येता तें गोंयकारांक पटोवन दिवपाचें काम केलें. ह्या वेळार गोंयांतल्या पुराय क्रिस्तांव समाजान गोंय स्वतंत्र उरचें असो इतिहासीक कौल दिलो. क्रिस्तांव समाज तसो आपल्या निर्णयाक धरून ना राविल्लो तर आयज गोंय महाराष्ट्रांतलो एकाद्रो म्हाल म्हण आसपाचें. शेजारच्या सिंधुदुर्ग आनी रत्नागिरी जिल्ह्यांत जशें अर्थीक आनी समाजीक दिस्टीन कितलेंशेंच मागाशिल्लेंपण आसा, घडये तशे तरेचें दळदीर काडपाची परिस्थिती गोंय आनी गोंयकारांचेर येवपाची.

हिंदू समाजांतलो एक घटक इतिहासीक अपघाताक लागून ह्या समाजापासून जरी पयसावलो तरीय ह्या दोनय धर्मांमदले संबंद इश्टागतीचेच उरले. ओपीनियन पोला उपरान्त गोंयांत पयलीच विधानसभा वेंचणूक जाहीर जाली आनी गोंयांत ओपीनियन पोल - वेंचणुकेंत पराभव जाल्लो महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष आनी युनायटेड गोवन्स पार्टी हे पक्ष वेंचणुकेच्या रिंगणात देंवले. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष हो हिंदूंचो आनी युनायटेड गोवन्स हो पक्ष क्रिस्तांवांचो अशें ह्या दोनय पक्षांचें सरळ स्वरूप आशिल्लें. ह्या वेंचणुकांत म.गो. पक्ष सत्तेर तर यु.गो. विरोधी पक्ष म्हूण वेंचून आयलो. हातूंत म्हत्वाचें म्हळयार एकमेकांच्या अस्तित्वाचेरूय हे दोनूय पक्ष तिगून आशिल्ले. ताका लागून आपापणाले पक्ष सांवाळपा खातीर तांणी धर्माचो आदार घेतलो. हाचे कांय वायट परिणाम दोनय धर्मांचेर जाले. उपरांत यु.गो. पक्षांत दोन गट जाले. तातुंतल्या कांय फुडाऱ्यांनी काळाचीं पावलां वळखलीं. फकत धर्मार आदारिल्ल्या पक्षांक हाचेमुखार तिगून रावप कठीण आसा हाची तांकां जाणीव जाली आनी काँग्रेस पक्षांत यु.गो. चें विलीनीकरण जालें. धर्माचेर

आदारिल्लो यु.गो. पक्ष ना जाल्ल्यान ताचो परिणाम दुसऱ्या एका धर्मार आदारिल्ल्या म.गो. पक्षाचेरय जालो. म. गो. च्या हातांतली सत्ता गेली आनी उपरांत ल्हव ल्हव म.गो. पक्षाचें अस्तित्व सोपचेकडेन पावलें. तरीय यु.गो. पक्षांतल्यान कॉंग्रेसींमदें गेल्ल्या एका गटान आनी तेच विचारसरणीच्या कांय जाणांनी यु.गो. चें धर्मकोल्लपण चलयलें तें आयजय चलता. अशे तरेन आपणाल्या राजकी सुवार्थाखातीर राजकारणी लोकांनी जाती धर्माचेर राजकारण केल्ल्यान हिंदू-क्रिस्तांव जे आनीक एकमेकांच्या लागीं येवपाचे तांचे मदें फकत फूट घालपाचें तितलें काम केलें.

इतिहासीक अपघाताक लागून जरी हांगच्या समाजाची विभागणी जाली आनी स्वतंत्रताये उपरांत कांय राजकारणी लोकांनी आपणाल्या राजकी सुवार्थाक लागून धर्माचो वापर केलो, हाचो जरी कांय प्रमाणांत ह्या दोनय समाजांचेर परिणाम जालो, तरीय दोनय समाजांमदल्या इश्टागतीच्या संवंदाक तशी केन्नाच वादा आयली ना. जेन्ना जेन्ना गोंयच्या स्वाभिमानाचे आनी गोंयच्या अस्तित्वाचे प्रस्न उग्रासले, तेन्ना हिंदू-क्रिस्तांव हे दोनय समाज हातांत हात घालून वावुरले. हाचीं दोन वरीं उदाहरणां म्हळ्यार ओपीनियन पोल आनी उपरान्त जाल्ली कोंकणी राजभास चळवळ.

गोंयचे हिंदू-क्रिस्तांव भाव एकमेकांच्या धार्मिक भावनांचो सदांच आदर करीत आयल्यात. म्हापशां मिलाग्रीच्या फेस्ताक कितलेशेच हिंदू वतात. आंगवणी आंगयतात, त्यो पावोवपाक वतात. पोरण्या गोंयांत सेंट झेवियरच्या फेस्तांक वर्सान वर्सा वचपी कितलेशेच हिंदू आसात. क्रिस्तांव भावय अशेच तरेन हिंदूंच्या जात्रांक, सणांक वतात. मंगेशाच्या देवाचो प्रसाद घेतात. सणां परबांक हिंदू-क्रिस्तांव एकठांय वसतात उठटात. आपणागेर केल्ल्यो खावपाच्यो वस्तू एकमेकांगेर पावयतात. देशाच्या आनीक खंयच्याय वाठारांत दोन धर्मामदें अशे तरेन चलतले संवंद तशे सोपेपणी पळोवपाक मेळटीत अशें दिसना. गोंयांत हिंदू आनी क्रिस्तांवांमदें चलत आयिल्ले इश्टागतीचे संवंद अशेच तरेन वाडोवन दोन समाजांतलो एकचार आनीक घट करूं येता.

कोंकणी ही गोंयकारांची आवयभास. मागीर तो हिंदू आसूं वो क्रिस्तांव. दोनय धर्मांतल्या लोकांच्या ओंठार कोंकणीच घोळटा. कोंकणी भाशा ही फुलाभशेन दोनय धर्मातल्या लोकांक एकठांय हाडपाचें काम करता. पुर्तुगेजांनी अत्याचार करून एका घटकाक वेगळायलो. पूण धर्म प्रसाराखातीर हांगच्या लोकांक कोंकणीच सोपे रितीन आनी वरे तरेन समजूं येता हाची जाणीव पुर्तुगेजांकय आशिल्ली. ताका लागून इगर्जी-चर्चींनी जातल्या प्रार्थना आनी हेर सगल्या धार्मिक कामांत तांणी कोंकणीचोच उपेग केलो.

देशांत जायतेकडेन धर्मा धर्मामदें केस्त्यांवां, दंगली जातात. पूण गोंयांत अशें केन्नाच घडना. हाचें श्रेय हें कोंकणीकच दिवचें पडटलें. पुर्तुगेज भाशेच्या प्रभावाक लागून क्रिस्तांव भावांनी तेन्ना रोमन लिपींतल्यान कोंकणी वरोवप सुरू केलें. गोंयांत क्रिस्तांव धर्मातलें चडशें धार्मिक साहित्य हें रोमन लिपयेंत कोंकणीतल्यान वरयल्लें आसा. ताचे शिवाय रोमन लिपयेंतल्यान ह्या समाजांतल्या कांय लोकांनी साहित्य निर्मीती केली. त्या काळाचो विचार केल्यार ह्या समाजान दुसरे लिपीचो आदार घेवनूय जाल्यार कोंकणी तिगोवन दवरली हाका म्हत्व आसा. मात्त कितलेंय जालें तरी रोमन ही एक परकी लिपी. क्रिस्तांव-हिंदू समाजाक आनीक लागीं हाडपा खातीर फकत देवनागरी लिपींतल्यान कोंकणी वरोवप, साहित्य निर्मीती करप हाचेर भर दिवप गरजेचें आसा. रोमन कोंकणींत जें बरें साहित्य आसा, गाजलेले तियात्र आसात तें सगलें साहित्य देवनागरी कोंकणीत लिप्यंतर करून उजवाडावपाक जाय. राज्यांत आनी देशांत वेगवेगळ्या भाशांतल्या साहित्याक जे पुरस्कार फावो जातात ताचे खातीर हें साहित्य देवनागरींत उजवाडायले उपरान्त विचार जातलो. ताका लागून रोमन कोंकणीत वरयतल्या वऱ्या कोंकणी बरोवप्यांची उमेद वाडटली आनी ताका लागून हिंदू-क्रिस्तांव हे दोनय समाज आनीक सारके लागीं येतले. शाळा-कॉलेजांनी हिंदी हो सक्तीचो विशय आशिल्ल्यान आनी कोंकणी हो विशय देवनागरी लिपींतल्यान आशिल्ल्यान क्रिस्तांव समाजाचे नवे पिळगेक देवनागरीची बरी वळख जाल्या. पूण क्रिस्तांवांची जाणटी पिळगी ही पयलीं सावन रोमन लिपीचो उपेग करीत आयिल्ल्यान रोमन लिपीचीच तांकां संवय जाल्या. तांकां आतां एकदम रोमन लिपी आपणावन घेवप मात्शें कठीण आसा. तरीय 'गुलाब' सारक्या रोमन कोंकणीतल्यान येतल्या म्हयनाळ्यान देवनागरी लिपीचें म्हत्व लक्षांत घेवन देवनागरी शिकोवपाचो यत्न केला, तो तोखणाय करपासारको असोच आसा. हेर रोमन कोंकणी म्हयनाळ्यांनी अशे तरेचे यत्न करप गरजेचें आसा.

कोंकणी ही गोंयची भास, कोंकणी सोडून गोंयकारांची आनीक स्वयंचीच भास आसूं शकना. आवय भाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण आसचें हो जागतीक सिध्दांत. मुळाव्या शाळांनी आवय भाशेंतल्यान शिक्षण दिवप ह्या प्रस्तावाक सद्या गोंयांत वरो तेंको मेळटा. इंग्लीश, मराठी अशा वेगवेगळ्या भाशांनी शिक्षण घेतिल्ल्यान गोंयकार विद्यार्थ्यांचे कोंकणी शब्द, उच्चार, कोंकणी शैली आनी साहित्यीक-संस्कृतीक वेगळेंपण दिसता. ह्या सगल्यांमदें सारकेंपण हाडटलो जाल्यार गोंयांत कोंकणीतल्यानच मुळावें शिक्षण सक्तीचें करप गरजेचें आसा.

हिंदू-क्रिस्तांव भावांक एकठांय हाडपी शिवोलेचो प्रसिध्द जागर. हिंदू-क्रिस्तांव

हांगा एकठांय येतात आनी आपापणाल्यो कार्यावळी सादर करतात. गोंयचं हिंदू आनी क्रिस्तांव ह्या दोनय धर्मांत कितलेशेच लोककला प्रकार आसात. ह्या दोनय धर्मांतल्या लोककला प्रकारांत गोंयची जीण, गोंयचो सैम आनी गोंयचं संस्कृतायेचेंच पडबिंब दिसता. हिंदू आनी क्रिस्तांवांक एकठांय हाडपाचो शिवोलेचो जागर ही एक बरी देख. गोंयांत हेरकडेय ह्या शिवोलेच्या जागराप्रमाण हिंदू आनी क्रिस्तांवांनी एकठांय येवन अशे आपापणाले लोककला प्रकार सादर केले जाल्यार दोनय समाजामदें सांस्कृतिक दिवप-घेवप जातलें.

गोंयांत आतां हिंदू-क्रिस्तांव तरणाट्यांमदें मोगान लग्नांय जातात. ह्या अशा लग्नांक लागून पयलीं दोन धर्मांतलीं मनां एकठांय येतलीं, दोन मोग्यांच्या दोन कुटुंबांक लागून दोनय समाज एकठांय येवपाक पावतले. हाचे खातीर समाज वावुरपी संघटना, गोंयचीं खबरां पत्रां, सुशिक्षीत लोक हांणी अशा लग्नाक उत्तेजन दिवपाक जाय.

आपणाल्या राजकी सुवार्था खातीर गोंयच्या कांय राजकारणी लोकांनी हिंदू-क्रिस्तांव ह्या धर्माचो वापर आपणाक जाय तसो केल्लो आयजय दिसता. पूण तरीय गोंयांत हिंदू आनी क्रिस्तांव धर्मामदें केन्नाच केस्त्यांवां, दंगली जाल्यो नात. देशांत धर्म आनी जाती हांचें भांडवल करून राजकारणांत आपणालें आनी पक्षाचें अस्तित्व सांवाळपी कांय धर्मांध पक्ष आनी संघटनांनी गोंयांत प्रवेश केला. आपणाल्या राजकी सुवार्था खातीर लोकांचे धार्मिक भावनेक हात घालून तांकां दुसऱ्या धर्माआड चिथावप अशे तरेन ते स्वंयचेय पातळेक पावूंक शकतात. तशें जाल्यार आयजमेरेन गोंयांत हिंदू-क्रिस्तांवामदें जो एकचार दिसत आयला त्या एकवटाक वेर वचूं येता. गोंयांत हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजांत सद्या जे तरेचे संबंद आसात, ते बरे तरेन सांवाळ्ळ्यार लेगीत फाल्यां हे दोनय समाज आनीक लागीं येतले.

राजभास कायदो आनी ताची अंमलबजावणी

कोंकणी भाशेच्या जैतांतलो आनी गोंयकारांच्या जिवितांतलो ४ फेब्रुवारी १९८७ हो एक भांगराचो असो इतिहासीक दीस. ह्या दिसा गोंय विधानसभेंत कोंकणी राजभाशा विधेयक २१ आड ८ मतांनी संमत जालें.

कोंकणी राजभाशा जावचे पयलीं १९८४ त कोंकणी गोंयची राजभाशा जावची ही मागणी मुखार आयली. मागणी मान्य जायना म्हण मोर्चे आनी लाखांनी लोकांचे मेळावे-महामेळावे जाले आनी गोंयांत रणखेव सुरू जालो. तें खातीर कांय कोंकणी भक्तांक आपलो जिवय व्हगडावचो पडलो. लोकांनी अशे तरेन आंदोलन सुरू केल्ल्यान शेवटाक सरकाराक कोंकणीक राजभाशा करपाचो निर्णय घेवचोच पडलो.

राजभाशेचो मुखेल उपेग आसता तो ते भाशेंतल्यान राज्यकारभार चलोवपाचो. राज्यकारभार चलयतना लोकांकडेन संपर्क सादपाचें राजभाशा एक माध्यम. गोंयांत पोर्तुगीज सत्ता आसतना सगलो राज्यकारभार हो पुर्तुगेज भाशेंत चल्लो आनी गोंय स्वतंत्र जातकच ताची सुवात इंग्लीश भाशेन घेतली. सरकारी पत्रव्यवहार, सरकारी नोकरेखातीर जातल्यो मुलाखती असो सगलो राजकारभार इंग्लीश भाशेंतल्यान चलपाक लागलो. पुर्तुगेज राजवटींत पुर्तुगेज जाणा जाल्ल्याकूच जशो सरकारी नोकऱ्यो मेळटाल्यो, स्वतंत्रताये उपरांत ताची सुवात इंग्लीश भाशेन घेतली. आमचो देश इंग्लीश लोकांचे गुलामगिरींतल्यान स्वतंत्र जालो. पूण पुर्तुगेज सत्ता गेले उपरांत गोंयांत राजकारभारांत इंग्लीश भाशेक सुवात दिवन ही भाशीक गुलामी तशीच सुरू दवरली. सामान्य मनीस हो सदांच आपल्या फायद्याचो पयलीं विचार करता. सरकारी नोकरी जाय तर इंग्लीश भाशेंत शिक्षण घेवपाक जाय, इंग्लीश भाशेशिवाय आपल्या भुरग्यांक नोकरी मेळची ना हें सर्वसामान्य पालकांच्या मनार बिंबलें, तर गिरेस्त घराब्यांतल्या पालकांनी आपल्या भुरग्यांक

इंग्लीश मुळाव्या शाळांनी, हायस्कुलांनी घालप हो आपलो प्रतिश्टेचो कसो प्रस्न केलो. हायस्कुलांनी विद्यार्थ्यांची रीग लागपाक लागली. अशे तरेन गोंयांत इंग्लीश भाशेचो हिसपाभायर थातोमातो जालो. गोंयांत सादारणपणान १५ टक्के इतल्या लोकांक इंग्लीश समजता आनी हेर ८५ टक्के लोकांक इंग्लीश कळना. हाका लागून जांकां इंग्लीश येयना आनी जांकां फकत कोंकणीच कळटा अशा गरीब-सामान्य गोंयकारांक गोंयांत कसलेंच मोल उरूंक ना. कोंकणी राजभाशा जाली म्हणटकच इंग्लीश भाशेचें हें स्तोम ना जातलें, इंग्लीशच्या बदला कोंकणीचो उपेग जातलो, गोंयचो गरीब-सामान्य मनीस राजकारभार सोपेपणी जाणा जावन घेवंक शकतलो, ताका सारको न्याय मेळटलो अशी आस्त आशिल्ली. पूण ४ फेब्रुवारी १९८७ त कोंकणी राजभाशा जावनय आयज मेरेन ती कागदाचेर उरल्या.

कोंकणी गोंयकारांची आवयभास आनी गोंयची लोकभाशा. कोंकणी राजभाशा जावनय आयज पंचायत पातळेवेल्यान सगल्याच सरकारी कारभारांत फकत इंग्लीश भाशेचोच उपेग जाता. तशी सगल्याच सरकारी ऑफीसर-कर्मचाऱ्यांक सारकी कोंकणी कळना आनी ताका लागून गरीब-सामान्य गोंयकार तांचे मेरेन संपर्क साद्रूंक शकना आनी एके तरेन गोंयकारच गोंयांत भायलो जायत चल्ला.

दर एका गांवांतल्यो ग्रामपंचायती आनी नगरपालिका ह्यो त्या थळाव्या वाठारांतल्यो स्वराज्य संस्था. अशा चडशा पंचायती-नगरपालिका वांगड्यांचें वो सरपंच-नगराध्यक्ष हांचें शिक्षण हें मर्यादीत आसता. पंचायती-नगरपालिका वांगडा जावपी सरकाराचो सगलो वेवहार हो इंग्लीश भाशेंतल्यान चलता. इंग्लीश भाशेचें बरें गिन्यान नाशिल्ल्यान हो कारभार ह्या पंचायत-नगरपालिकेच्या वांगड्यांक बरे तरेन कळना आनी भौसंख्य लोकांकय कळना. हाका लागून पंचायत-नगरपालिकेचे वांगडी आनी लोक राजकारभारांत बरे तरेन वांटो घेवंक शकनात आनी हाचेपासत गांवच्या विकासाचीं कामां सारकीं जावंक पावनात. पंचायत-नगरपालिकेमदें चलपी कारभार बरे तरेन सगल्यांक कळपाखातीर अशा मुळाव्या पांवड्यावेल्यान सरकारान कोंकणी सक्तीची करपाक जाय.

आवय भाशेंतल्यानच विद्यार्थी बरो अभ्यास समजूं शकता, हो संवसारीक सिद्धांत. पूण गोंयांत इंग्लीश भाशेचो थातोमातो चलिल्ल्यान भौसंख्य आवय बापायचो कल हो आपल्या भुरग्यांक इंग्लीश शिक्षणाकडेन धाडपाचो आसा. पूण इंग्लीश ही एक परकी भाशा जाल्ल्यान विद्यार्थ्यांक ती सारकी कळना आनी विद्यार्थी फकत पाठांतराचेर भर दितात. हाका लागून गोंयच्या शिक्षणीक मळार आयज विद्यार्थ्यांचें व्हड प्रमाणांत बौध्दीक लुकसाण चल्लां. आयचे विद्यार्थी फाल्यांचे नागरीक. फाल्यां शिक्षण सोंपतकच हे विद्यार्थी गोंयांत विंगड विंगड सरकारी

आनी हेर मळार वावुरतले. आयज ना फाल्यां राजभाशा कायदो चालीक लायतकच राजकारभारांत कोंकणीचो उपेग हो करचोच पडटलो. ते खातीर मुळाव्या शाळांक आनी हायस्कुलांक कोंकणी माध्यम सक्तीचो विशय करपाक जाय. उच्च माध्यमिक शाळा-कॉलेजांनीय कोंकणी हो एक सक्तीचो विशय करपाक जाय. ताका लागून विद्यार्थी दशेंतच तांकां कोंकणीचें बरे तरेन गिन्यान मेळटलें आनी ताचो उपेग फुडाराक गोंय आनी गोंयकारांक जातलो.

आयज गोंयांत सगलेकडेन इंग्लीश भाशेचो प्रभाव लोकांचेर आसा. इंग्लीश भाशे संबंदान भ्रामक कल्पना आसात आनी कोंकणीविशीं गैरसमजुती. ते खातीर पयलीं सरकार दरबारांत इंग्लीश भाशेचें स्तोम आसा तें उणें करचें पडटलें. सरकारी नोकरे खातीर इंग्लीश जायच हो लोकांच्या मनांत आशिल्लो गैरसमज ना करचो पडटलो. सगलीं सरकारी खातीं हीं लोकांचे सेवेखातीर आशिल्ल्यान सरकारी ऑफिसांनी इंग्लीशच्या बदला कोंकणीच वापरची पडटली. नोकरे खातीरय कोंकणीचें गिन्यान आसप गरजेचें अशी अट घालची पडटली. सर्वसामान्य मनीस हो आपल्या पोटाचो पयलीं विचार करता. सरकारी नोकरे खातीर उमेदवारांच्यो मुलाखती इंग्लीश भाशेंतल्यान जातात. हाका लागून सरकारी नोकरी जाय तर इंग्लीश ही येवंक जायच. इंग्लीश ही आपल्या पोटाची भास अशें विद्यार्थी आनी तांच्या पालकांच्या मनार विंवता आनी सगले विद्यार्थी इंग्लीश शाळांनीच धांवतात. ते खातीर राजकारभारांत इंग्लीश भाशेचो उपेग उणो करून त्या जाग्यार कोंकणीचें गिन्यान गरजेचें असो नेम करून राजभाशा कायद्याच्या आदारान कांय प्रमाणांत भायल्या उमेदवारांक आडावन गोंयकारांक नोकऱ्यो दिवपा खातीरय बरे तरेन राजभाशेचो उपेग करपाक येता. तेच भाशेन वैजकी वो इंजिनिअरींग कॉलेजांनी प्रवेश दितना गोंयकार उमेदवारांचें हीत राखपूय कांय प्रमाणात शक्य जातलें. राजभाशेचो हो वेवहारीक फायदो आमच्यानी करून घेवं येता. ह्या संदर्भांत गोंयकार तरणाट्यांचो फुडार सांवाळून दवरपाचें साधन म्हूण कोंकणी राजभाशेंचें म्हत्त्व आनी मोल खूब्ब आसा. हें करता आसतनाच समाजीक आनी संस्कृतीक मळार आनी हेर शक्य थंय सरकारान कोंकणीक मान आनी प्रतिश्ठा मेळोवन दिवचे खातीर खासा पावलां उखलचीं पडटलीं.

कोंकणी राजभाशा जाले उपरांत राजभाशा कायदो चालीक लावंक खंयच्याच सरकारान फावो ते कसलेच उपाय घेवंक नात. ना म्हळें तरीय हाका आडवाद पु.लो.आ. सरकारच्या काळांतलो. ह्या वेळार कोंकणी राजभाशा आंदोलनातले एक फुडारी आनी एक कोंकणी भक्त श्री. चर्चील आलेमांव हांणी पु.लो.आ. सरकाराचे राजवटींत राजभाशा कायदो खातें आपणाकडेन दवरलें आनी राजभाशा

कायदो चालीक लावपाखातीर खास आदेश दिले. सरकारी कर्मचाऱ्यांक कोंकणीचें प्रशिक्षण दिवपाखातीर शिक्षक नेमले. सरकारी खात्यांनी देवनागरी टायपरायटर पावयले आनी राजभाशा कायदो चालीक लावपाखातीर वरीं पावलां घातलीं. पु.लो.आ. सरकाराचे राजवटींत राजभाशा कायदो चालीक लावपाखातीर सुरू केल्लें काम उपरांतच्या सरकारान मुखार चालू दवरलें ना. कोंकणीचें प्रशिक्षण दिल्लें ते सरकारी कर्मचारी आतां कितें करतात? उरिल्ल्या कर्मचाऱ्यांक कोंकणी प्रशिक्षण केन्ना दितले हाचो पाठपुरावो करूंक ना. सरकार सद्या राजभाशा कायद्याचें आपणाक कांयच पडूंक ना अशा थाटांत वग्गी आसा. सरकारी कचेऱ्यांनी त्या वेळार दिल्ले देवनागरी टायपरायटर उपेगाविना कोनशाक धूल्ल खायत पडल्यात. राजभाशा कायद्याचे वेगीं अंमलबजावणे खातीर राजभाशा कायदो खातें कोंकणीमोगी आमदार-मंत्र्याकडेन दिवपाचो विचार जावंक जाय.

कोंकणी राजभाशा जावनय राजकारभारांत आजून इंग्लीशच उपेगांत आशिल्ल्यान जाका फकत कोंकणीच येता असो गोंयचो सामान्य मनीस आयज काळोखांतच उरला. सरकारी ऑफिसांनी आशिल्ल्या गोंयांभायल्या वऱ्याच अधिकाऱ्यांक कोंकणी येयना. ताका लागून अशा अधिकाऱ्यांकडेन हांगचो सामान्य मनीस आपलें म्हणणें मांडपाक शकना. जावं असो अधिकारी उलयल्लें सामान्य मनशाक कळना आनी एके तरेन विकासाच्या कामाक आडमेळीं येतात. हाका लागून सकयल्या पांवड्यामावन उंचेल्या पांवड्यावेल्या सरकारी अधिकाऱ्याक कोंकणीचें गिन्यान सक्तीचें आसप गरजेचें आसा. ताका लागून सगल्या सरकारी अधिकाऱ्यांक टप्याटप्यान कोंकणीचें प्रशिक्षण सक्तीचें करपाक जाय. नव्यान सरकारी नोकरेक घेतल्या कर्मचाऱ्यांची निवड ही कोंकणीचें सारकें गिन्यान, कोंकणीचेर निश्ठा आनी कोंकणीत जे बरे तरेन राजकारभार चलोवंक शकतले अशा उमेदवारांक प्राधान्य दिवन करपाक जाय.

सरकारी कारभारांत राजभाशा कायदो चालीक लायले उपरांत ताची सारकी अंमलबजावणी जाता काय ना हाचेर देखरेख दवरपाक जाय. सरकारी खात्यांत एक दुसरो कोणय कर्मचारी हो कोंकणी द्वेश्टाय आसूं येता आनी ताचो द्वेश राजभाशा कायद्याक आडखळी हाडूं शकता. अशा अधिकाऱ्या आड खर कारवाय करपाची तरतूद कायद्यांत आसपाक जाय. आयज गोंयांत, सरकारी ऑफिसांनी प्युनाचे नोकरे सावन व्हडल्या हुद्दयार गोंयां भायले जायते अधिकारी आसात. हातुंतल्या वऱ्याच जाणांक कोंकणीचें अजिबात गिन्यान ना. त्या सगल्या अधिकाऱ्यांक कोंकणीचें गिन्यान सक्तीचें करपाक जाय. थरावीक मर्यादेची अट घालून ह्या काळांत तांकां कोंकणी प्रशिक्षण पुराय करपाची सक्ती करपाक जाय. जर

उंचेल्या पांवड्यावेल्या एकाद्रया भायल्या अधिकाऱ्याक ताच्या राज्यांत वचपाची इत्सा आसा आनी ताचे वदला भायल्या राज्यांतलो असो एकादो गोंयकार गोंयांत येवपाक इत्सुक आसा जाल्यार ताका गोंयांत येवपाक सोपेपणीं मेकळीक दवरपाक जाय.

आयज सरकाराचो लोकांवांगडा जाता तो पत्रवेव्हार इंग्लीश भाशेंत जाता. तो पुराय वेव्हार कोंकणीतल्यान जावपाक जाय. राजकारभार चलोवपाक लागपी कोंकणी उतरांचो कोश तयार करपाक जाय. सरकारा कडल्यान कोंकणी भाशेंतल्यान आयलेलें पत्र एकाद्रया अशिक्षीत मनशान कोणायकडल्यान वाचून घेतलें तरी ताका तें बरेंतरेन समजतलें. आयज सगल्याच सरकारी कचेऱ्यांनी फलक हे इंग्लीश भाशेंन आसात. हे फलक कोंकणीतच आसपाक जाय. कदंब बस महामंडळाच्या बसींनी आनी बसीं फाटल्यान बरयल्ल्यो सुचोवण्यो कोंकणीत आसपाक जाय. कंदब बसींच्यो तिकेटी राजभाशेंत म्हळ्यार कोंकणीत आसपाक जाय. कोंकण रेल्वे कोंकणी ही गोंयची राजभाशा हें पुराय तरेन विसरल्या, हें तांचे फलक पळयतकच जाणवता. हें अशें जावंक दिवंक उपकारना. कोंकणीक राजभाशेची हक्काची सुवात हा तें तें सुवातेर मेळपाकच जाय. कोंकणी गोंयची राजभाशा जाल्यान सगल्या सरकारी कचेऱ्यांनी कोंकणीतल्यान प्रसिध्द जावपी सुनापरान्त खबरांपत्र घेवप हें सक्तीचें आसूंक जाय. गोंय विद्यापीठांत आनी अकादेमींत कोंकणीच्या संशोधनाक उर्बा मेळपाक जाय. कोंकणीत शब्दकोश, विश्वकोश तयार करपाचें काम चल्लां. कोंकणी गोंयची राजभाशा जाले उपरांत कोंकणीचो आठवे वळेरेंतूय आतां आस्पाव जाल्ल्यान ह्या अशा कामाक वेग दिवपाची गरज आसा. कायद, नेम आनी हेर ख्यात्यांनी लागपी मजकूर भाशांतरीत करून घेवंक जाय. सरकारी म्हायती, ख्यात्यांवरवीं मेळपी म्हायती आनी खात्याच्यो जायराती कोंकणीतल्यान मेळूंक जाय.

गोंयांतल्या सामान्य-गरीब मनशाक राजकारभार समजून घेवप आनी तातूंत वांटो घेवप सोपें जावचें म्हण आपले आवय भाशेक राजभाशेचो दर्जो मेळोवन दिवपाखातीर गोंयचो मुखेल घटक आशिल्ल्या क्रिस्तांव आनी हिंदू भावांनी आंदोलन सुरू केलें. ते खातीर कांय जाणांक आपलो जीव लेगींत व्हगडावचो पडलो. खरें म्हळ्यार राजभाशा कायदो चालीक लावंक सरकार पुराय बांदिल्लें आसा. सरकार आपणाली ही जापसालकी जर टाळपाचो यत्न करता जाल्यार कोंकणीक राजभाशा करचे खातीर कोंकणी प्रजेचो आवाजान जशें आंदोलन सुरू केल्लें तशेंच तरेचें आंदोलन पर्थून एकदां सुरू करचें पडटलें.

गोंयांत फ्री पोर्ट जालो जाल्यार

फाटल्या कांय वर्सा सावन गोंयांत फ्री पोर्ट करपासंवंदान हालचाली, भासाभास सुरू जाली आनी गोंयांत फ्री पोर्ट आसचो काय नाका; फ्री पोर्ट आयलो जाल्यार ताचे गोंयांक कसले फायदे आनी कसले तोटे जातले हाचेर उलट-सुलट प्रतिक्रिया गोंयच्या लोकांमदल्यान आयकूंक येवंक लागल्यो. हाका लागून फ्री पोर्ट जाय म्हणपी लोकांचो एक गट आनी फ्री पोर्ट नाका म्हणप्यांचो एक गट अशे फ्री पोर्टासंवंदी लोकांमदीं दोन गट पडले. हातुंतल्यान गोंयांत फ्री पोर्ट आसचो काय नाका ह्या प्रस्नार गोंयांत एक नवो वाद सुरू जालो. फ्री पोर्ट म्हळ्यार निश्चीत कितें? ताचो गोंयांक आनी गोंयकारांक कसलो लाव जातलो? ताचें स्वरूप कशें कितें आसतलें? फ्री पोर्ट वास्को पुरतो मर्यादीत आसतलो काय अख्खें गोंय फ्री पोर्टाक उक्तें आसतलें? फ्री पोर्टाचो भार गोंय सांवाळूंक शकतलें काय कितें हे विशीं गोंयकारांक व्हडलीशी कसलीच खबर ना. फ्री पोर्ट पळोवच्या नांवार सिंगापूर, हॉगकाँगचे दौरे करून आयल्ल्या गोंयच्या मंत्र्यांकय ह्या फ्री पोर्टाविशीं व्हडलेंशें कांयच खबर ना.

सिंगापूर, हॉगकाँग, वहामा, वेरमुडा, मोनाक्को, कांपीआन आदी संवसारांतल्या वऱ्याच देशांनी फ्री पोर्ट आसात. विदेशांत स्थायिक जाल्ल्या आपल्या नागरिकांचे पयशे आपल्या देशांत येवचे आनी संवसारांतल्या देशांकडल्यान आपल्या देशाक परदेशी चलन मेळचें, ताका लागून आपल्या देशाक अर्थीक दिश्टीन व्हडलो फायदो जावचो हो ताचे फाटलो हेतू.

फ्री पोर्टाच्या कांय समर्थकांनी अख्ख्या गोंयांकच फ्री पोर्टाचो दर्जो जाहीर करचो अशी सुचोवणी केल्ली. देशांत ते खातीर खंयचो जागो योग्य आसा हाची पळोवणी करचेखातीर एका खास शिश्टमंडळान गोंयां वांगडाच तामीळनाडू आनी अंदमानाक भेटी दिवन पळोवणी केल्ली. ह्या शिश्टमंडळाक खंय फ्री पोर्टाखातीर गोंयचोच जागो आवडलो आनी ह्या शिश्टमंडळान खंय फ्री पोर्टा खातीर गोंय होच जागो योग्य आशिल्याचो अहवाल केंद्र सरकाराक दिलो.

भारतांत फ्री पोर्ट करपाचो मूळ विचार हो परदेशांत स्थायिक जाल्ल्या कांय

भारतीय नागरिकांचो अशें फ्री पोर्टाचे समर्थक सांगतात. जे फ्री पोर्ट जाय म्हणटात तातुंतल्या वन्याच जाणांक विदेशी चलन दोळ्यांमुखार दिसता. विदेशी चलनाक लागून तांकां गोंयांत फ्री पोर्ट जाय अशें तांच्या उलोवण्यांतल्यान जाणवता, तर कांय जाणांचो वैयक्तीक फायदोय आसा.

फ्री पोर्टाक आयात निर्यातीचेर जकात लागना. ताचे कसले कर नासतात आनी आसले तरीय ते सामके उणे आसतात. हरशीं विदेशी चलनाचेर जे निर्बंध आसात वो येतात ते फ्री पोर्टाक नासतात. ते खातीर फ्री पोर्ट जालो म्हणटकच हे निर्बंध सदळ जावन गोंयांक आनी देशाक सोपेपणीं व्हड प्रमाणांत विदेशी चलन मेळटलें. फ्री पोर्टाक जाय तितलो म्हाल आयात करूंक मेळटलो. ताचेर कसली मर्यादा वो बंधन येवचें ना. भायल्या देशांत स्थायिक जाल्ले भारतीय हेरकडेन गुंतवणूक करतात ते हांगा तशो सवलती मेळ्ळ्यो तर हांगाच गुंतवणूक करतले. देशा भायर स्थायिक जाल्ल्या भारतीयांक आनी हेर गुंतवणूकदारांक वोडून घेवंक ही एक बरी संद. हाका लागून देशा भायर आशिल्ले मूळ भारतीय आनी हेर राष्ट्रांचे लोक गोंयांत येवन गुंतवणूक करतले. उलाढाल वाडली म्हणटकच संवसारांतल्यान लोकांची रीग गोंयांत लागतली. ताका लागून सद्या गोंयांत आसात ताचे परस कितल्याशाच पटीन पांच नखेत्री हॉटेलांची गरज लागतली. हेर लोकांच्या मनोरंजनाखातीर मनरिझवणेच्यो कार्यावळी चलतल्यो आनी ह्या सगल्यांत व्हडलो फायदो म्हळ्यार गोंय आनी देशाक व्हड प्रमाणांत विदेशी चलन मेळटलें.

भारत देशांत पयलो फ्री पोर्ट गोंयांत करपाविशीं जायत्यो हालचाली, उलोवणीं जाल्यात. पूण हें सगलें कांय थरगविक लोकांभितरच जालां. आमचो भारत हो लोकशायप्रधान देश. देशांत, राज्यांत वो हेरकडेन खंयतरी सरकार कसलोय एकादो उद्येगीक वो हेर तरेचो कसलोय प्रकल्प सुरू करपाक सोदता जाल्यार लोकांक पुराय विस्वासांत घेवन प्रकल्पाची म्हायती करून दिवप जावं त्या प्रकल्पाच्या फुडाराक जावपी वायट वऱ्या परिणामांची म्हयती करून दिवप ही सरकाराची लागणूक थारता. पूण ह्या फ्री पोर्टाविशीं आजून मेरेन तरी लोकांक सरकारान कसलीच म्हायती दिवंक ना. फ्री पोर्ट म्हळ्यार कितें? ताचो गोंयांक कसलो फायदो जातलो, ताका लागून गोंयचेर कसलीं कसलीं बंधनां येतलीं, हें दर एका नागरिकाक कळूंक जाय. दर एका भारतीय नागरिकाक हें जाणा जावन घेवचो हक्क आसा. सरकार जर विस्वासांत घेयनासतना लोकांक काळखांत दवरून फाटल्या दारान हो फ्री पोर्ट गोंयांत हाडूंक सोदता जाल्यार लोकशायेचीं मुल्यां पायांपोंदा चिडून उडयल्ल्यासारकें जातलें आनी सरकारान चलयल्ली लोकशायेची

ती एक विटंवना जातली. हाचो असंतोश हांगच्या विचारवंत आनी जाग्रुत नागरिकांमदीं जातलो. हो असंतोश फाल्यां गोंय आनी देशाचे दिश्टीन वादीकारक थारू येता.

वरेंच प्रस्न हे थळाच्या लोकांच्या जिवीत आनी हितसंवंदांकडेन संवंदीत आसतात. ताका लागून अशा प्रस्नांकडेन संकुचीत नदरेन पळय नासतना अशा निर्णयार फाटल्याफुडल्या वऱ्या वायटाचोय विचार जावंक जाय. नाजाल्यार थोड्याशा फायद्याक लागून ताचे त्रास फाल्यां अख्ख्या गोंयांक भोगचे पडूं येतात. गोंयची संस्कृताय, हांगच्यो भाशा, अस्मिताय आनी लोकजीण ह्या सगल्या दिश्टीकोनांतल्यान फ्री पोर्टाचो विशय हो सामको गंभीर आसा. भारत सरकारान एकदां गोंयांत फ्री पोर्ट करपाचे दिश्टीन वावर सुरू केले उपरांत खूब्ब उसरां आमी जागे जाले जाल्यार आमी पुराय त्रासांत पडटले. ते खातीर सरकार जरी लोकांक काळखांत दवरूक सादता आसलें तरी हे विशीं चर्चा, परिसंवाद जावन लोकांमदीं जाग्रुताय जावप गरजेचें आसा.

सोबीत सुंदर दर्यावेळो, विशाल दर्या, खळखळत व्हांवपी हांगच्यो न्हंयो, वाऱ्यार धोलपी माड, पाचव्याचार दोंगर-रानांवनांनी नटिल्लें आमचें भारत देशांतलें ३७०२ चौ.कि.मी. क्षेत्रफळाचें गोंय सगल्यांत ल्हान राज्य. आयज गोंयांत सुमार १२ लाख लोक रावतात. फाटले शिरगणते प्रमाण फाटल्या १० वर्सांत गोंयची लोकसंख्या १६.१० टक्के वाडल्या. लोकसंख्या वाडीचें प्रमाण शारांनी ४८.६३ टक्क्यां परस चड आसा. गोंयांत जल्माचें प्रमाण उणें आसूनय गोंयचे लोकसंख्येत वाड जाल्या. नोकरीवेवसाया निमतान गोंयां भायल्यान आयिल्ल्या लोकांक लागून ही लोकसंख्या वाडल्या असोच ताचो अर्थ. गोंयांभायल्यान रोजगारी खातीर गोंयांत आयिल्ल्याक रोजगार मेळ्ळा आनी दुसरेवटेन गोंयच्या वेकारांचो आंकडो वाडत आसा. ह्या देशाचो नागरिक ह्या नात्यान खंयच्याय भारतीय नागरिकाक ह्या देशांत आपणांलें उपजीविकेखातीर खंयच्यायं राज्यांत नोकरी-वेवसाय करपाचो हक्क आसा. गोंयांत जे उद्येगीक प्रकल्प सुरू जाले ताका लागून राष्ट्राचो वेकारीचो प्रस्न सोडोवंक हातभार लागला. देशाचे घटनेप्रमाण भायले आनी थळावे असो भेद करप घटनावाह्य आसा अशें आसलें तरीय थळाव्या लोकांक उदरगत करपाक संद दिवप ही जापसालकी राज्य सरकाराचेर येता. पूण हे जापसालकेक राज्य सरकार जागला अशें दिसना. उद्येगीकीकरण जालें म्हणटकच तातूंत गोंयकारांक नोकऱ्यो मेळटल्यो अशें गोंयच्या सामान्य मनशाक दिसतालें. ह्या अशा उद्येगीक प्रकल्पांखातीर थळाव्या सरकारान कितल्याशाच दुडवांचें अनुदान दिलें. ह्या अशा उद्येगीक प्रकल्पांखातीर शेतां, भाटां, रानां, दुर्मिळ अशी जमीन,

उदक, वीज सवलतीच्या दरांत दिली. हाका लागून वरेचकडेन पर्यावरण इवाडलें, प्रदुशणाच्यो नवीन कटकटी सुरू जाल्यो. थळाव्या लोकांक अर्थीक आनी समाजीक प्रस्नांक तोंड दिवची पाळी आयला आनी ह्या सगल्यांचो त्याग करूनय गोंयांतल्या वेकारीचो प्रश्न सुटूं शकलोच ना. हो फाटलो सगलो इतिहास आसतना येदें व्हडलें क्षेत्रफळ आडावन हो फ्री पोर्ट गोंयचे रोजगारीचो प्रस्न सोडयतलो अशें मातूय दिसना. हाँगकाँग, सिंगापूर सारक्या फ्री पोर्टांत तर कामगारांचें शोशण चल्लां.

फ्री पोर्टाची उलाढाल वाडली म्हणटकच विंगड विंगड वेवसायांत गुंतवणूक करपी अख्ख्या संवसारांतले लोक गोंयांत येतले. ताका लागून पांच नखेत्री हॉटेलांची गरज लागतली. पयलींच गोंयच्या दर्या वेळांर पावला कणकणीं पांच नखेत्री हॉटेलां उबीं रावल्यांत. दर्या वेळांरय तांणी अतिक्रमण केलां. आयज आमकां ह्या दर्या वेळांर पांय दवरूक मेळना. ह्या पांच नखेत्री हॉटेलांक लागून रापण, रेंदेरपण, शेतां सारके पारंपारिक वेवसाय वंद पडले. ताचे वदला वेटर, झाडू मारपी अशा लोकांक लाचारीची जीण जगपाक लावपी नोकऱ्यो मेळ्ळ्यो. अशें आसतना तातूंत आनीक अशीं पांच नखेत्री हॉटेलां गोंयांत उबीं रावलीं जाल्यार अख्खें गांव हीं पांच नखेत्री हॉटेलां व्यापून उडयतलीं. अख्ख्या संवसारांतल्यान येवपी लोकांचे करमणुकीखातीर कॅसिनो, नायट क्लब, शिंदळकीसारक्यो घडणुको सुमाराभायर वाडटल्यो. हांगा गुंतवणूक करपी गिरेस्त लोकां वांगडाच संवसारांतल्यान तांचे मनीस, कामगारय येतले. ताका लागून रावपाक जागेची कृत्रीम टंचाय जातली. हॉगकाँगांत अशें घडलां. जमनीचे दर आकांतान वाडल्यातच पूण तशें मोल फारीक करूनय जमीन मेळना. वरीचशीं कुटुंबां ल्हान कुडांनी कशेंय तरेन रावतात. जमनीच्या उणावाक लागून हॉगकाँगांत सुमार एक मिलीयन लोक दर्यांत तयार केल्ल्या उवत्या घरांनी आनी वोटींनी रावतात. जर गोंयांत फ्री पोर्ट आयलो जाल्यार हीच परिस्थिती हांगा येतली.

वायणा शिंदळक्यांची एक व्हडली वसणूकच तयार जाल्या. फ्री पोर्ट जालो म्हणटकच ताचो आंवाठ सगलेकडेन पातळटलो. हाका लागून तरणाट्या चलयां वायलांक उक्तेपणीं भोंवप लेगीत कठीण जातलें. संस्कृतीक प्रदुशणाच्या ल्हारान हेर फ्री पोर्टाच्या आवाठांनी थळाव्यो चलयो, वायलां घुस्पल्यांत तशें फाल्यां गोंयांत जावं शकता. फ्री पोर्टाच्या ल्हारान गोंयची संस्कृताय, अस्मिताय थळाव्यो भाशा हें सगलें स्वंयचें स्वंय ना नपश्चात जावन वतलें.

फ्री पोर्ट जालो जाल्यार ताचो आवांठ हो वाडोवचो पडटलो. सद्या पोर्ट ट्रस्टाकडेन वेतूल मेरेनचो वाठार आसा. वेतूल फुडें कितलोसोच वाठार लागूं येता. हाका लागून कितलीशींच दर्या वेळ ना जातली. फ्री पोर्टाखातीर आनीक वर्थ

करचे पडटले. दर्यांत कितलींशींच सेटलाईट जुंवीं तयार करचीं पडटलीं. तेखातीर दर्या पुरोवन काडचो पडटलो. हाका लागून दर्याच्या उदकाची पातळी वाडटली आनी गोंयच्या हेर दर्यादिगांनी खारसाण भरतली आनी शेतां-भाटांचें, सुपीक जमनीचें लुकसाण जातलें. पयलींच मुरगांव बंदरांत येवपी बोटींतलें मीन शिंपडून आनी दर्यांत शिंपडिल्ल्या पेट्रोलीयम पदार्थाक लागून दर्यांत व्हड प्रमाणांत प्रदूशण जालां. दर्या प्रायांचेर बरेचकडेन दांवरागुळे लागून प्रदुशीत जाल्यात. फ्री पोर्ट जालो जाल्यार आयात निर्यात करपी म्हालवाहू बोटींचो आंकडो सुमाराभायर वाडटलो आनी सद्या आसा ताचे परस कितकेशेच पटीन दर्यांतलें प्रदूशण वाडटलें. ताका लागून दर्यांतल्यो वन्योचशो नुस्त्याच्यो जाती ना जातल्यो आनी दर्याची निसर्गीक संपत्ती ना जातली.

हाचे पयलीं गोंयांत राष्ट्रीय-आंतरराष्ट्रीय पातळेचे गुन्यांवकार आलाशिरो घेवंक' गोंयांत येवन राविल्ल्याचीं उदाहरणां आसात. फाल्यां फ्री पोर्ट जालो जाल्यार देश विदेशांतल्यान येवपी लोकांवांगडा कांय गुन्यांवकारीय लोक येतले. ह्या सगल्यांचेर नियंत्रण दवरप शक्य नासतलें. घुंवळी वखदांचे वेव्हार, शिंदळकी हातुंतल्यान गुन्यांवकारीचें प्रमाण हिसपा भायर वाडटलें.

फाटल्या दिसांनी कांय देशद्रोही लोकांनी मुंबयंत बॉम्ब स्फोट घडोवन हाडले. हीं सगलीं स्फोटकां आनी शस्त्रां दर्यांतल्यान हाडिल्ल्याचें आतां स्पश्ट जालां. फाल्यां गोंयांत फ्री पोर्ट जालो जाल्यार हीं स्फोटकां सहजपणान गोंयांत येवं शकतात आनी आमच्या देशाआड वावुरपी शक्तीक हो फ्री पोर्ट एक बरो मार्ग जावं येता.

फ्री पोर्ट सुरू करपा फाटल्यान भारत सरकाराचो हेतू स्पश्ट आसा. विदेशी चलन मेळोवपाचें एक साधन म्हण भारत सरकाराक फ्री पोर्ट जाय. ह्या फ्री पोर्टाक लागून भारत देशाक व्हड प्रमाणांत विदेशी चलन मेळटलें आनी खूब्ब फायदो जातलो हें एक सत; हातूंत दुबाव नाच्च. पूण गोंयचेर ताचे कसले घातक परिणाम जातले हाचो गंभीरपणान विचार जावंक जाय.

फाटल्या कांय वर्सांनी उद्येगीकरणाच्या नांवां सकयल रानां, शेतां ना करून उडयल्यांत. नवीं नवीं सिमेंटाचीं जंगलां जळींमळीं उबीं जायत आसात. ते खातीर न्हंयो, व्हाळ पुरोवन उडोवपाचें काम चल्लां. ताका लागून पर्यावरणाचो समतोल इबाडत चल्ला. एकेवटेन सरकार शेतां रोयात, शेतां पिकयात अशें शेतकामत्याक सांगता आनी दुसरेवटेन हीं शेतकामत्यांचीं शेतां, भाटां गोल्फ कोर्स, जपान ग्राम सारक्या प्रकल्पांक दिवंक सरकार वावुरता तर सरकार साळावली, तिळारी

सारके शिंपणावळीचे प्रकल्प सुरू करता. सद्या जीं शेतां, भाटां कितें उरलीं तीं ह्या फ्री पोर्टाच्या व्यापान पुराय ना जातलीं. मागीर ह्या अशा शिंपणावळीच्या प्रकल्पांचो उपेग तरी कोणाक असो प्रस्न पडटा. ह्या सगळ्यांचो विचार केल्यार गोंयच्या जमनींचें नियोजन आसप हें गरजेचें आसा. खंयचोय नवीन उद्देगीक प्रकल्प सुरू जावचो आसत जाल्यार ताचें कितलें क्षेत्रफळ आसा आनी तो प्रकल्प कितली जमीन आडायतलो हाचेर पयलीं पुराय अभ्यास जावंक जाय. गोंयांत जातल्या दर एका प्रकल्पाक हो नेम लागू आसूंक जाय. नियोजीत प्रकल्पाचो विस्तार खंय मेरेन आसतलो तें नकाशासयत प्रसिद्ध जावन ताची लोकांक म्हायती उपलब्ध आसपाक जाय.

फ्री पोर्ट सुरू जाले उपरांत जे उद्येग हांगा येतले ते गोंयकारांचे नासतले, गोंयच्या जावं भारतीय उद्येगपतींचेय नासतले. अख्ख्या संवसारांतल्या लोकांचे उद्येग हांगा आसतले. ह्या संवसारांतल्या उद्येगपतीं वांगडा तांचे कितलेशेच लोक गोंयांत येतले. ताका लागून खरे गोंयकार आसात ते अल्पसंख्याक जातले. ताचे वायट परिणाम हांगची संस्कृताय, भाशा, लोकजीण हांचेर जातले. शिंदळकी वाडटली. म्हारगाय आकांताची वाडटली. ताका लागून गरीब-सामान्य गोंयकारांचेर उपासमारीची पाळी येतली. आयज हेच प्रस्न फ्री पोर्ट आशिल्ल्या हाँगकाँग, सिंगापूरच्या मूळ लोकांक सतायतात. पूण ते खातीर कितें करचें अशें दिसलें तरी थळाव्या लोकांच्या हातांत आतां कांयच उरूक ना.

हो फ्री पोर्ट एका थरावीक वाठारापुरतो आसतलो हें फ्री पोर्टा संवंदानचें म्हणणें तर अख्खें गोंय फ्री पोर्ट जातलो हें दुसरें म्हणणें. फ्री पोर्ट हो एका थरावीक वाठारा पुरतो मर्यादित आसलो जाल्यार एके तरेन हो वाठार गोंयांक पयसावतलो. त्या वाठाराची येणावळ, उत्पन्न हाचो फायदो गोंयांक मेळचो ना. पुराय गोंयांक फ्री पोर्टाचो दर्जो दिलो जाल्यार गोंयांत गोंयकारांचें सरकार नासतलें. कारण फ्री पोर्ट अधिकारिणीर कांय खासा अधिकारी आसतले आनी खरेंपणीं तांचेंच सरकार गोंयार राज्य करतलें. हाचे शिवाय फ्री पोर्ट वाठारांत येवपाक वो गोंयांसावन भायर वचपाचेर कांय बंधनां येतलीं. हाका लागून स्वतंत्रतायेपयलीं जशी गोंयार पुर्तुगीजांची राजवट आशिल्ली तीच परिस्थिती परतून हांगा येतली. कांय थरावीक चेक पोस्ट गोंयांत येवपी लोकांक आनी येरादारीक उक्ते आसतले. गोंयांसावन भायर वतल्यांक कस्टमाचे तपासणेक तोंड दिवचें पडटलें. स्वतंत्रताये उपरांत गोंय आसा तशेंच वेगळें रावचें काय महाराष्ट्रांत विलीन करचें हो वाद उप्रासलो तेन्ना भौसंख्य गोंयकारांनी गोंय हें वेगळें आसचें असो मतपेटयेंतल्यान कौल दिलो. उपरांत गोंयच्या बऱ्या वायटाचे निर्णय स्वता

आमकां म्हळ्यार गोंयकारांक घेवंक मेळचें म्हण तांणी घटक राज्याची मागणी केली आनी गोंयांक घटक राज्याचो दर्जो मेळ्ळो. पूण जर फाल्यां गोंयांत फ्री पोर्ट करपाचें थारायलें तर गोंयकारांनी जें गोंय वेगळें राखलें आनी जाका घटक राज्याचो दर्जो मेळोवन दिलो ताका कसलोच अर्थ उरचो ना. फकत विदेशी चलनाचो विचार केलो आनी ताचे खातीर गोंयांत फ्री पोर्ट हाडपाचो यत्न जाता जाल्यार विदेशी चलना खातीर गोंयांक वळी दिल्ले सारकें जातलें. फ्री पोर्टाच्या परिणामांचो विचार केले शिवायं फ्री पोर्टाक येवकार दिवप हें आत्मघातकीपण जातलें.

पेडणें म्हालाचें गोंयाक देणें

दर एका राज्याची गिरेस्तकाय ही त्या राज्यांतल्या गांवां तालुक्यांतली संस्कृताय, अस्मिता, थंयची लोककला, लोकजीवन, सरभोंवतणचो वाठार, भुगोल, त्या वाठाराचें इतिहासीक म्हत्व, त्या वाठारान दिल्ले कलाकार आनी समाजाखातीर एकनिश्टेन वावुरिल्ले लोक हाचेर थारता. गोंयचे उत्तरेवटेन पेडणें म्हालान गोंय राज्याची सुरवात जाता. एकेवाटेन तेरेखोल न्हंय, दुसरेवटेन शापोरा न्हंय, उत्तरेवटेन विशाल दर्या हांचेमदीं पेडणें तालुको. नदर मारीत थंय पाचवीचार झाडां, दोंगर, कुळागरां, मोर्जी, हरमल, मांद्रें सारक्यो सोबीत प्रायो आनी न्हंयो. तातूंत भर घालपी हांगाचीं देवळां आनी इगर्जी. हांगाचो सैम पळयतकच खंयच्याय एका सादारण अरसिक मनशाक लेगीत रसिक करून सोडपी. खरें म्हळ्यार दोन वटेन न्हंयो आशिल्ल्यान पेडणें तालुको हें एक व्हडलें जुवेंच. पूण येरादारीचीं सगलीं साधनां उपलब्ध आशिल्ल्यान हें सहजपणान जाणवना.

मुखेलपणान हांगा हिंदू आनी क्रिस्तांव धर्माचे लोक. गोंयच्या हेर वाठारांप्रमाणच चडशा लोकांचें जिवीत हें शेतारच आ ारून. चडशे क्रिस्तांव भाव हे माडाची सूर काडटात. काजी लागतकच काजू फेणी काडपाचो वेवसाय क्रिस्तांव - हिंदू लोकांमदीं नेटान चलता.

१५१० त गोंयचे भुंयेर पुर्तुगेजांनी पांय दवरलो. गोंयकारांचो स्वाभिमान, संस्कृताय आनी धर्म चिड्डावन गोंय हो पोर्तुगालाचोच एक वाठार हें तांकां लोकांच्या मनार बिंबोवचें आशिल्लें. पोर्तुगीज गोंयांत येतकच तांणी गोंयांत हिंदूंक वाटोवन धर्मीक अत्याचार सुरू केले. पूण ह्या काळांत पेडणें म्हाल हो कुडाळ प्रांतांतल्या सामंत राजाच्या देखरेखेसकल मांडलीक म्हूण आशिल्लो आनी ताचे खातीर खंडणी वसूल करची पडटाली. अशें आसलें तरी खंडणी फारीक करताले, हाका लागून पेडण्याचो कुडाळांत आस्पाव नाशिल्लो. पेडणें म्हाल हो पुराय स्वतंत्रच आशिल्लो. कुडाळचो सामंत राजा आनी सावंतवाडीचो सावंत राजा हांचेमदीं शिमेप्रस्नावयल्यान सदांच लडायो जाताल्यो. एके लडायेंत सामंत राजाचो पराभव जावन ब्राम्हण राजवट नामशेश जाली. उपरांत ब्रिटीशांनी सामंत राजाच्या पालवान सावंत राजाचो पराभव केलो आनी ताका आपलो एजंट म्हणून नेमलो.

ह्या वेळार सावंतवाडी आनी पेडणें म्हाल एकेच राजवटी सकल आयिल्ले. पूण उपरांत लेगीत पेडणें म्हालाचो सावंतवाडी वांगडचो संवंद हो फकत खंडणी पुरतो आशिल्लो. उपरांत पोर्तुगेजांनी पेडणें म्हाल आपल्या ताब्यांत घेतलो. ह्याच वेळार तेरेखोल न्हंय हुपून पोर्तुगिजांनी तेरेखोल न्हंय लागसारचो कांय वाठार घेतलो.

गोंयांत पोर्तुगेज सत्ता आयले उपरांत तांणी धार्मिक अत्याचार सुरू केले आनी लोकजिवीताचेरय ताची छाप पडली. पूण पेडणें हो स्वतंत्र म्हाल पोर्तुगिजांनी जिखून घेतिल्ल्यान हांगाच्या लोकांर आपलीं मतां घातलीं वा धर्मीक अत्याचार केले तर पेडणें म्हालांतले लोक उठाव करपाची शक्यताय पोर्तुगिजांक दिसताली. हाका लागून खंयचेय परिस्थितींत अशा जिकून घेतिल्ल्या वाठारांतल्या लोकांची दुस्मानकाय ओडून घेवप पोर्तुगेजांक पटूंक ना. तांणी पोर्तुगेज राजवटीचे कांय नेम सोडल्यार पेडणें म्हालाक व्हडा प्रमाणांत स्वतंत्रताय दिली. हाका लागून पेडणें म्हालांत पोर्तुगेज राजवटीचे धार्मिक अत्याचार जावंक पावले नात. धार्मिक सुरक्षितेक लागून पोर्तुगेज सत्ता आशिल्ल्या गोंयच्या वाठारांतलीं कांय कुटुंबां पेडणें म्हालांत येवन थिरावलीं. आपले देव - देवी वाटोवंक उपकारना म्हणून देव - देवी पेडणें म्हालांत गांवांनी हाडून दवरलीं. पेडणें म्हालांत जे सद्या आमचे किरिस्तांव भाव आसात ते हेर गोंयांत जावं हेर वाठारांतल्यान हांगा येवन राविल्ले.

दोन राष्ट्रांमदीं जेन्ना झुजां पेट्टात तेन्ना शिमेवयल्या वाठाराक खूब्ब म्हत्त्व आसता. गोंयचे सुटके झुजांत पेडणें म्हालाचो म्हत्वाचो वांटो आसा. पोर्तुगेज राजवटीसकल पेडणें म्हाल आसतना पेडणें म्हाल हो महाराष्ट्र शिमेचे कुशीक आशिल्ल्यान गोंयचे सुटके खातीर देशांतल्यान येवपी स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांक पाखल्यांची नदर चुकोवन तेरेखोल न्हंयेंतल्यान आलतडीं पलतडीं पावोवप, म्हत्वाच्या कामाक हातभार लावप हीं कामां करतालो. गोंयचे स्वतंत्रतायेखातीर आपलें घर दार उत्काडार सोडून पेडण्यातले कितलेशेच स्वातंत्र्य सैनिक झुजल्यात. बाळा प्रभुदेसाय, बापू गांवस हांचे सारके वीर पुरूस गोंयचे सुटके खातीर झगडटां झगडटां हुतात्मे जाले. अशे तरेन गोंयचे स्वतंत्रतायेच्या झुजांत पेडणे म्हालान आपलो वांटो उखल्ला.

पेडणेकार हो उत्सवप्रिय मनीस. आपलीं शेतां - भाटां वसोवपी, माड कापपी रेंदेर, खोल दर्यांत नुस्तें मारपाक व्हडें घेवन वचपी, कश्टकरी रात दिसाचे आपले कश्ट आनी जिवितांतलीं दुख्खां विसरून एक पारंपारिक उत्सव म्हूण आनी मनाचे करमणुकीखातीर म्हूण ताची खोशी लोककलेंतल्यान सादर करता. हे लोककलेंत ताचे भोंवतणचो सैम, प्राणी, पक्षी आनी दिसपट्टे जिवीत हांचो संवंद

आसता. धालो, फुगडी नाचत गायत खासा पद्दतीन वायलां सादर करतात. धालांक उर्वी रावलीं म्हणटकच रातच्या णव वरांक सुरू जाल्लो धालो फांतोड मेरेन चलता.

पेडणें म्हालांत मुखेलपणान हिंदू आनी क्रिस्तांव धर्माचे लोक आसात. आपल्या मूळ हिंदू धर्माकडल्यान पयसावनय क्रिस्तांव भावांनी आपणाली मूळ संस्कृताय बरे तरेन तिगोवन दवरल्या. मांडो, धुलपदां हातुंतल्यान मूळ संस्कृतायेची छाप दिसता.

हांगाचो सैम आनी माती हांचेवांगडा संवंद सांगपी झाडाचीं फळां घेवन नाचत गायत वचपी हांगाचो शिगमो. नाचत वतना गायतात त्या गितांक जती म्हणटात. ह्या जतींनी सैमावांगडा नातें सांगपी कवनां आसतात.

शिगम्याचे सुंवारेक मुखार बनोंटे (वडयेक फाडो बांदून पेत्रोलान भिजयल्ले उपरांत उजो लावन) फिरयतात त्यो पळोवंक बरें दिसता. हिंदुंच्या ह्या शिगम्याप्रमाण सैमा वांगडा खोशयेन गायत उडयो मारीत क्रिस्तांव भाव सांजांव मनयतात. देवसू आनी तेरेखोल केरी हांगाच्या सांजावांक तर एक वेगळेंच खाशेलेंपण आसा. फुलांनी नटोवन थटोवन तयार केल्ल्या सांगडाचेर पारंपारिक लोकगितां म्हणत न्हंयेंतल्यान उडयो मारीत सांजांव मनयतात. हांगा क्रिस्तांव भावांमदीं तियात्र हो बरोच लोकप्रिय आसा. साद्या कथानकांतल्यान समाजांतल्यो बऱ्यो वायट घडणुको तातूंत दाखयतात. कांय वेळार समाजांतल्या वायट घडणुकांचेर टिका करपी गितांय मदीं मदीं सोडटात; ताका 'झुपाटी म्हणटात.

गोंयांतल्या गांवां - शारांनी जळींमळीं सोबीत सुंदर घरां, बंगले, इमारती, देवळां, इगर्जी दिश्टी पडटात, तातूंत पेडणेच्या गवंड्यांचो व्हडलो वांटो आसा. गरीब सामान्य मनशाच्या घरांपासून गिरेस्तांच्या घरांमेरेन नक्षीकाम आनी आधुनीक रितीन नटयल्ले बंगले, घरां अख्ख्या गोंयकारांक पेडणेच्या गवंड्यांनी उबारून दिल्यांत. गवंडेकाम ही एक कला एकट्याकडल्यान दुसऱ्याकडेन आयली. पूण आयज ह्या वेवसायाकडेन शिक्षण घेतिल्ले तरणाटे येवंक पळयनात; हें खंतीन म्हणचें पडटा. देखून गवंड्याकडेन एक कलाकार म्हणून पळोवन हे कलेक उत्तेजन दिवपाची गरज आसा.

मातयेचीं चित्रां, गणपती करप ही कला कुंभार समाज आनी हेर समाजांतल्या घराण्यांतय परंपरेप्रमाण चलत आयल्या. दिसपट्टे गरजेक लागपी पाटले, सुपां, आनी हेर तरेचें सामान वांवूंपासून तयार करून हरिजन वायलां लोकांची गरज भागयतात.

मातयेंचीं चित्रां, शिल्प कलाकृती घडोवपी कलाकारांमदीं पेडणें म्हालांत नामनेचे कलाकार जावन गेल्यात. तातूंत मांद्रेचे स. गणपत मांद्रेकार, तांच्या फाटल्यान तांचे पूत श्री. रमेश शेट मांद्रेकार हे ते कलेर हुकमत गाजयतात. पालयेंचे श्री. विष्णू परब आनी तांचे पूत श्री. सदाशिव परब, मांद्रेचे श्री. मुरारी म्हाम्हल, केरी गांवचे सूपूत डॉ. सुबोध केरकार हांणी हे कलेची सेवा उमेदीन चलयल्या.

दर एका थरावीक अंतरार भाशा शैली बदलता. पेडणेंय हाका आडवाद ना. पेडणें म्हालाक पेडणेकरी अशी खासा शैली आसा. अशें आसलें तरी हे पेडणेचे शैलीर दोन भाशांचो प्रभाव पडिल्लो जाणवता. महाराष्ट्र हद्दीवटेनच्या कांय वाठारार मालवणी भाशेची छाप जाणवता आनी मालवणी पध्दतीन उलयतना ते हेळे दितात. तर हेर चडशा वाठारांत बार्देश आनी गोंयचे कोंकणीची छाप जाणवता.

वनवासाक भोंवतना पांडव पेडणें म्हालांत आयिल्ले हाच्यो दोन आख्यायिका आयकुपाक मेळटात. पेडणें बाजारांतल्या नुस्तें मार्केटाबयल्या दोंगरार एक अर्दबट बुनयाद आसा. हे अर्दबट बुनयादीबद्दल आख्यायिका सांगतात ती अशी - पेडण्यां दर वर्सा दसरो उत्सव मनयतालें. तसो तो तेन्नाय मनयतले. ह्या दसऱ्याक अवसर येतकच खुबळिल्लो रवळनाथ देव एके वातीन आनी एके रातीन सात मजलीं देवूळ बांदून मागता, तसो ख्यंय तो तेन्नाय दसऱ्याक अशीच मागणी करतालो. वनवासावेळार भोंवत भोंवत पेडणेंच्या रानांत पाविल्ल्या पांडवांनी रवळनाथाक एके वातीन आनी एके रातीन देवूळ बांदून दिवपाचें आव्हान स्विकारलें आनी तशी सुरवातय केली. पूण इतल्यांन कोंबो आरडलो. दीस उजवाडचे पयलीं सगलीं कामां बंद उडावन कोणाक दिश्टी पडप ना हो पांडवांचो नेम. उजवाड आयिल्ल्यान पांडव हें देवूळ अर्दबट सोडून फुडल्या प्रवासाक गेले. हरमल गांवांतय ते आयले. जेवणाची वाळण लायली तेन्नाय कोंबो आरडलो आनी पांडवांनी हर हरमल अशी घोशणा केली आनी ते फुडल्या प्रवासाक लागले अशें सांगतात.

आपल्या पराक्रमाचेर पुण्यात नाना साहेब पेशव्यांच्या सैन्यांत पराक्रम गाजोवपी जिववादादा केरकार हो वीर पुरूस केरी गांवांतल्या केरकार घराण्यांतलो. ताचो पराक्रम पळोवन ग्वाल्हेरांतले पेशव्यांचे सेनापती शिंदे हांणी पेशव्यांक विनंती करून आपल्या सैन्यांत व्हेलो. थंय तांणी कितल्योशोच लडायो जिखून पराक्रम गाजयलो.

सुमार दोनशीं वर्सां पयलीं संत सोहिरोबा आंबिये हे पेडणें म्हालांतल्या पालयें गांवांत जावन गेले. तांचें खरें नांव अच्युत आंबिये. सोहिरोबा कविता

आनी अभंग बरयताले. संत तुकाराम, संत ज्ञानेश्वर सारके तांचे अभंग लोक गायताले. गरिव परिस्थितीक लागून बरोवपाक तांकां कागद विकत घेवप शक्य नासलें; म्हूण ते आपलें साहित्य पणसाच्या पानार बरयताले. एकदां हो कोयर समजून तांचे आवयन पानां भायर उडयलीं. पूण आवयचेर बेजारनासतना सगलें साहित्य तांणी पर्थून बरयलें. समाज परिवर्तन करपी अभंग म्हणून गांवांगांवांत ते भजन करताले. सिद्धांत संहिता हो तांचो कविता संग्रह उपलब्ध आसा.

गोंयची नामना भारत आनी भारताभायर ज्या गोंयकारांनी वाडयली, तातुंतले डॉ. भाऊ दाजी लाड हे एक गोंयकार. पेडण्यातलो पार्से हो तांचो गांव. घरची गरीब परिस्थिती पूण बापूय भाऊ आनी तांच्या भावाक घेवन मुंवय गेले. आपले हुशारीचेर डॉ. लाडांनी स्कॉलरशिपच्या आदारार दोतोरकेचें शिक्षण घेतलें. गरिबांक ते फुकट वखदां दिताले. कुश्टरोगाचेर तांणी संशोधन करून खासा वखदां तयार केलीं. दोतोरकी शिवाय तांणी समाज सुधारपाखातीर बरोच वावर केलो. इंग्रजांनी ताची दखल घेवन मुंवयचे शेरीफ म्हणून दोनदां तांची निवड केली. हो भौमान मेळोवपी ते पयले भारतीय.

गोंयचे भुंयेन ह्या देसाक विंगड विंगड मळार कितलेशेच नामनेचे कलाकार दिले, तातूंत पेडणें म्हालांतल्यान कितलेशेच कलाकार दिल्यात.

संगीत मळार पेडणें म्हालांतले मुरारबा पेडणेकार हांणी सतार, घुमार, मृदंग वाजपांत आनी गायनांत नामना जोडिल्ली. सूर वहार नांवाचें खासा वाद्य आनी संगीतांतलें म्हत्वाचें नोटेशन काडून सवंद भारतीय संगीत मळार तांणी आपलो हातभार लायलो. दामोदर मालपेंकार हो नामनेचो गावपी. अंजनीवाई मालपेंकार आनी बावलीवाई ह्यो मालपें पेडण्याच्यो. नाच गाण्यांत तांणी नामना जोडिल्ली. मधुकर पेडणेकार हो पेटी वाजपांत फाकिवंत. हिरावाई पेडणेकार ह्यो साहित्यीक आनी लोकगितां गावपी. भिकूमाम मांद्रेकार (गवय) आनी तांचो भाचो सुदाम मांद्रेकार (सांरगी वादक) मांद्रें गांवचे. हे दोगय मामा भाचे मुरारवाचे शिष्य. सावळाबाई पार्सेकार हिणें नाच, गायनात नामना जोडिल्ली. तिचो पूत अनंत पार्सेकार हो उपरांत तवलावादक म्हूण गाजलो. दामूअण्णा पार्सेकार हो व्हड तवला पकवाज पटू. राजाराम मांद्रेकार (मांद्रें) हांणी तवला, गायन नाच हातूंत नामना जोडली. गोंयांक आनी देशाक कितलेशेच कलाकार तांणी दिले. आयज तांची बायल शुभलक्ष्मी ह्यो कथ्थक नाच शिकोवन विद्यादानाचें काम करतात. हिरावाई वडोदेकार ह्यो मूळ पेडणेच्यो. हिंदी मराठीचे संगीतकार एन्. दत्ता हे आरोबा पेडणेचे.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001968

पेडणें म्हालान रंगमाची आनी सिनेमाक दिल्ल्या कलाकारांमदीं जयश्री [illegible]वकार (कोरगांव), मनोरमा वागळे (गोट्या सिरियलांतली सुमा), आत्माराम [illegible] कांता सुवेशकार हांचो उल्लेख करपाक जाय. मराठी, कन्नड, गुजराती, रंगमाची गाजोवपी अभिनय सम्राट प्रभाकर पणशीकार हे पणशी पेडणेचे. नामनेचे नेपथ्यकार बाबा पार्सेकार हे पार्से गांवचे.

अर्थीक नदरेन पेडणें मागाशिल्लो आसतय पूण ह्या सगल्या गजालींनी पेडणें भौ गिरेस्त आसा.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
806

J1

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : गोंय आनी गोंयकारपण

YEAR : 2001

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

No. ____________

Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.

Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN



श्री. प्रकाश तळवणेकार हो फकत बरोवपी वा विचार मांडपीच न्हय तर तो कार्यां तडीक व्हरपी सक्रीय कार्यकर्तो. ताच्यांत नेतृत्वाचे आनी निर्भीडपणाचे गुण आसात. प्रो सिव्ह स्टुडंट्स यूनियन हे संघटनेंतल्या विचारवंत विद्यार्थी फुडाऱ्यांच्या संपर्कांतल्यान प्रकाशाची विचारसरणी बरी फुलली. तो समाजाचें हित राखपी बरो पत्रकार. 'सुनापरान्ता' खातीर पेडणेंचो बातमीदार म्हण बरीच वर्सां काम करीत आसा आनी दै. गोमन्तक चो पेडणेंचो पत्रकार म्हणूनय जापसालदारकी सांबाळटा. ताच्या वृत्तपत्रांतल्या बरपावळींतल्यान लोकांविशीं आशिल्ली तळमळ आनी समाजीक बांधिलकी दिश्टी पडटा. कोंकणी राजभास चळवळींत ताणें पेडणेंचो प्रतिनिधी कसो सक्रीय वावर केल्लो.

हरमल दर्या वेळेर सरकारान जपानग्राम, गोल्फ कोर्स हाडपाचें थारायलें तेन्ना जाग्रुत गोंयकारांची फौज आनी ते संघटनेचे वावुरपी भौमानेस्त रॉलंड मार्टीन हांणी लोकांमदीं ताचे आड जाग्रुताय करपाक 'पेडणें किनारी ग्राम कृती समिती' स्थापन केली, ते समितीचो सचीव प्रकाश आसलो. ताणें गोल्फ कोर्साच्या आनी जपानग्रामाच्या वायट परिणामांविशीं दिसाळ्यांतल्यान लेख बरोवन आनी पदयात्रा काडून गोंयच्या लोकांमदीं जाग्रुताय केली. गोंयकारात जे निश्ठेन वावुरपी आसात आनी जे गोंयचे विशीं सपनेतात आनी आवंडेतात तातुंतलोच प्रकाश एक. ताच्या दोळ्यांत गोंयचेविशीं उपाट सपनां भरल्यांत.

गोवा कोंकणी अकादेमी,

बोरी. फोंडें. गोंय